
मन
मोवळाय
पुंडलीक केळेकार

दादोन (तांचे लागींचे लोक तांकां ह्याच नांवान वळखताले) हिंदी वा इंग्लीश कथांचें अनुसर्जन कोंकणींतल्यान केलां तेंय ह्या पुस्तकांत वाचपाक मेळटलें. स. सुमंत केळेकार, हे तांचे व्हडले भाव. लिखाण करपाची प्रेरणा तांकां तांच्या भावाकडल्यान मेळ्ळी. तशेंच स. शशिकर केळेकार हाणीं भुरगेपणा सावन तांकां खूब प्रोत्साहन दिलें.तांच्या रक्तांत सळसळपी कोंकणी भाशेचें प्रेम ह्या पुस्तकांतल्या साहित्यांतल्यान दिसता.

मन

मोवळाय

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY * MANGALORE *
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

मन मोवळाय

पुंडलीक केळेकार

बिम्ब
प्रकाशन

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
MANGALORE

प्रकाशक / बिम्ब प्रकाशन, 'धर्म-लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,
आगशी - गोंय ४०३ २०४.

दूरध्वनी / (०८३२) २४३८३५५, २२१९२४९

प्रकाशन क्र. / १०१. **अक्षर जुळणी** / बिम्ब प्रकाशन.

छापणावळ / इम्प्रेशन्स - बेळगांव.

© **शीला केळेकार**

पयली आवृत्ती / ३ जून २०१४.

मुखपृश्ठ / पुंडलीक केळेकार हांचें पिरवळचें घर / **चित्रकार** : सज्जन भाटकार.

पुंडलीक केळेकार हांचें रेखाचित्र : डॉ. सुबोध केरकार

मन मोवळाय (कथा आनी ललित) सर्गेस्त पुंडलीक केळेकार.

Man Movllay (Konkani Short Stories & Essays)

© ***Late Pundalik Kelekar.***

मोल : ₹ १९९/-

बिम्ब
प्रकाशन

अर्पणपत्रिका

आयज ३ जून बाबाचो सत्तरावो वाडदीस. बाबाचो जीव सदांच आपल्या भुरग्यांचेर आनी आपल्या कामाचेर. गौरी, किर्ती, उमा हीं तांचीं आवडिचीं नांवां ताणीं आपल्या तिनय चलयांक म्हळ्यार आमकां दवरलीं. आमकां बरें शिक्षण दिवन, आपल्या पांयार उबीं रावपाची शक्त दिली. हाका लागून आमी सदांच बाबाच्या उपकारांत आसतलीं.

आयच्या दिसा उजवाडायल्लो हो तांच्या कथांचो, ललित निबंदांचो आनी अनुसर्जीत कथांचो झेलो आमी आमच्या बाबाचे निसुवार्थी सेवेक अर्पण करतात.

तांचीं भुरगीं,
गौरी, किर्ती, उमा.

वळख

पुंडलीक रामचंद्र केळेकार उर्फ दादो
(३ जून १९४४ - ११ जानेवारी २००८)

श्री. घारुबाब आनी मुक्ताबाय केळेकार हांगेर पिरवळ गांवांत जल्म.

मॅट्रीक शिक्षण - भाटीकार स्कुल, मडगांव.
बिएस्सी - धेंपे कॉलेज, पणजी.
एमएस्सी बायोकॅमिस्ट्री - गोंय वैजकी महाविद्यालय, (मुंबय विद्यापीठ)

हॉस्पिसियु, मडगांव हांगा जीव-रसायन शास्त्र विभागाचे मुखेली आसले.

साहित्य नेमाळ्यांनी तांच्यो कथा, निबंद बी उजवाडाक आयल्यात. त्या खेरीज ताणीं गोंय कला अकादमीचे बरो अभिनय आनी संगिता खातीर पुरस्कार जोडल्यात.

१९६७ सालांत 'जय गोमंतक' हे संस्थे वरवी, गोंयशाहीर उल्हास बुयांव हांच्या कला पथकांतल्यान तांच्या सांगातान १७ गांवांनीं लोकांमदीं जागृताय हाडपाचो वावर केला. तांचे निसुवार्थी लोकसेवे खातीर आयचे मुखेलमंत्री मनोहरबाब पर्रीकार हांचे हस्तुकी तांचो सत्कार घडोवन हाडिल्लो आसा.

उमाळो

सर्गेस्त पुंडलीक रा. केळेकार, म्हजे घरकार.

तांच्या सत्तराव्या वाडदिसाच्या निमतान मोगाचीं आर्गां.

ताणीं बरयल्ले कांय निबंद, कथा आनी तांकां आवडिल्ल्या हेर भासांतल्या कथांचें ताणीं केल्लें अनुसर्जन गुंथून हांव आनी आमचीं भुरगीं गौरी, किर्ती आनी उमा तें साहित्य पुस्तक रुपान तुमच्या मुखार दवरूंक सोदतात.

दादोन (तांचे लागींचे लोक तांकां ह्याच नांवान वळखताले) हिंदी वा इंग्लीश कथांचें अनुसर्जन कोंकणींतल्यान केलां तेंय तुमकां ह्या पुस्तकांत वाचपाक मेळटलें. स. सुमंत केळेकार, हे तांचे व्हडले भाव. लिखाण करपाची प्रेरणा तांकां तांच्या भावाकडल्यान मेळ्ळी. तशेंच स. शशिकर केळेकार हाणीं भुरगेपणा सावन तांकां खूब प्रोत्साहन दिलें.

तांच्या रक्तांत सळसळपी कोंकणी भाशेचें प्रेम ह्या पुस्तकांतल्या साहित्यांतल्यान दिसता.

'पिरवळ म्हजो गांव' हो तांचो निबंद अकरावेच्या कोंकणी अभ्यासक्रमांत आस्पावल्लो.

ह्या निबदांत, पिरवळा सैमीक सोबितकाये वांगडा गांव घडयल्ल्या दर ल्हान व्हड मनशाची तुस्त ताणीं केल्या.

वेळ फावो जाता तेन्ना ल्हान ल्हान काणयो बरोवन 'राष्ट्रमत' दिसाळ्यांत उजवाडाक हाडल्यो. पूण कामाच्या व्यापांत ही आवड वाडोवपाक ते शकलेनात. तांची दुसरी आवड म्हळ्यार संगीत. आपल्या व्हडल्या भावाच्या पावलार पावल दवरून 'संगीत संशयकल्लोळ' केल्लें. तांची त्या नाटकांतली 'आश्विनशेट'ची

भुमिका लोकांक खूब मानवल्ली.

दादोन जरी आपले विचार कागदार मांडले तरी कामाच्या व्यापाक लागून ते पुस्तक रुपान तुमचे मेरेन पावलेनात.

आयज ती खंत पयसावतली.

आपल्या विचारांची निर्मिती तुमच्या मुखार दवरतना दादोच्या ओंठार तोच हांसो फांकतलो आशिल्लो जो आयज आमच्या काळजाच्या कोनशाक खंयतरी आसा.

मनीस हो आज आसा फाल्यां ना. पूण तांचें लिखाण काळजांत सासणाचें घर करता. तेच पासत आयच्या ह्या दिसा ताणीं थोडेंभोव जें कितें बरयलें तें वाचप्यां मुखार दवरपाचो आमचो हो ल्हानसो यत्न.

कोंकणीचे वाचक म्हज्या घरकाराचे हे कलाकृतीचें व्हड मनान स्वागत करतले, ही आस्त बाळगून, तुमचे सुवादीन करतां.

देव बरें करूं...

– शीला पुं. केळेकार

आकें, मडगांव – गोंय.

दोन उतरां

म्हों्व्या यादींचो दादो-पुंडलीक केळेकार – हांच्या चोवीस साहित्य कृतींचो 'मन मोवळाय' नांवाचो पुंजुलो म्हजीं दोन उतरां घेवन तुमच्या हातांत येता. दादोची घरकान्न शीलाबाय हिचे मागणेक मान दिवन हांवें हीं उतरां बरयल्यांत.

दादो म्हजो तिपोलभाव. आमच्या केळेकार भावांत, बापोलभावांत, तिपोलभावांत दादो सगल्यांत धाकलो. आज्याचें म्हळ्यार पुंडलीक केळेकार हांचें नांव ताका दिल्लें. इतलेंच न्हय तर आज्याक 'दादा' म्हण उलो मारताले तें दादाय हाका मेळ्ळें. मुखार दादा उतर चड जड दिसूंक लागिल्ल्यान जावये, आमच्या प्रियोळच्या चौगां-घरांत दादाचें 'दादो' जालें. उप्रांत इश्ट मित्रांचोय तो दादो जालो.

जाणट्यांवयल्यान धाकल्याची वळख घडोवपाची प्रथा आमच्यांत आसा. तिका लेखून म्हाका सांगचें आसा तें म्हळ्यार जावन गेल्ले शिक्षणतज्ञ, शिक्षक, लेखक आनी रंगमंच कलाकार सुमंत केळेकार हांचो दादो धाकलो भाव.

सुमंता भाशेनूच दादो गोड रुपाचो, तेच भाशेन मुखामळार एक सासणाची निरागसताय लाभिल्ली व्यक्ती आशिल्ली. हो जाण्टो जाला अशें मानूंक मन तयार जायनाशिल्लें. आपलें मुळावें शिकप दादोन गांवांत पिरवळा, हायस्कूल फोंड्यां, कॉलेज मडगांवां आनी पोस्ट ग्रॅज्युयेशन पणजे पुराय केलें. मडगांवचे तेन्नाचे नांवाजते दोतोर कुशा कुडचडकार हांची धूव शीला हिचेकडेन ताचें मोगा उप्रांत लग्न जालें. मडगांवांतूच दादोन आपलो पॅथॉलॉजी वेवसाय सुरू केलो, जो ताचे उप्रांत ताची एकली धूव चलयता.

दादो सुमंता भाशेन रंगमंच कलाकारूय आशिल्लो. तो गातालो आनी कोंकणी, मराठी नाटकांनी कामां करतालो. ताणें बरीच लोकप्रियता जोडिल्ली.

दादोकडेन बरोवपाचें कसब आशिल्लें ही खबर त्या काळार चार-चौगांत कशी पातळ्ळी ना हाचें म्हाका अजाप जाता. ताच्यो कथा अदींमदीं राष्ट्रमतांत येताल्यो, पूण बरोवपाचो ताका छंद लागिल्लो हें आज कळटा. घरांतलीं ताचीं

कागद-पत्रां चाळटना हें पशटक आपल्या हाताक लागलें अशें शीलान सांगलें. आपणाक आनी भुरग्यांक - तिगां चलयांक - दादोचे यादीक तांचें पुस्तक काडचें अशें दिशिल्ल्यान आनी बिम्ब मासिकाचे संपादक बाब दिलीप बोरकार हांचो आधार मेळटलो असो सल्लो मेळिल्ल्यान आपणें तांकां विनंती केली आनी ताणीं बरपां चाळून तीं मानून घेतलीं अशें शीलान दिलिपाचे उपकार मानीत म्हाका सांगलें.

हांवें म्हळें, 'घेतिल्ली जबाबदारी दिलीप लक्ष दिवन पुराय करतलो आनी एक सुंदर पुस्तक तुज्या हातांत पडटलें हाचें तुज्यान खरेपण बाळगूं येता.'

बऱ्याच वर्सां पयलीं बरयल्ल्यो ह्यो कथा वा निबंद समिक्षेखातीर म्हजेकडेन न्हय, तर दादोली याद जागोवपाखातीर वाचप्यां मुखार येतात. त्यो सगळ्यो कथा न्हयत. तातूंत निबंद, सादे लेखूय आसात. कथांनीं कांय अणकारिल्ल्यो अप्रतिम कथा आसात ज्यो अणकारप्याच्या मन-मोवळायेची वळख घडयतात. खासा लेखकान बरयल्ल्यो ज्यो कथा आसात तांचे वयल्यान भोंवतणच्या घडणुकांकडेन लेखक कसो उदार मनान पळयतालो आनी तांचेर प्रगल्भ भाश्य करतालो तें कळटा.

आयज जायत्यो कोंकणी कथा आमकां वाचूंक मेळटात. कथा हें माध्यम लेखकांक तशें वाचप्यांकूय आवडटा. गोंयांत हें कथाविश्व विंगड विंगड रुपांनी परगटिल्लें दिसता. हातूंत दळदीर, गिरेस्तकाय, पयशांची मस्ती, तंत्रगिन्यान, सपनां, सर्ती, आपले-पेले... हो मसालो आसाच. मोनजात आनी सैम हांचेंय म्हण एक विश्व आसा. (ह्या संग्रहांतली 'मरण' कथा ही देख) खाशेली नदर आनी कळाशी आशिल्ले लेखकूच हें कागदार उतरावंक शकतात.

कथा कश्यो करच्यो हाचेवयर आयज गोंयांत कार्यशाळा जातात. दादोक ती संद मेळ्ळी ना. राष्ट्रमत दिसाळ्यांत ताका सुवात मेळ्ळी. तरी पूण 'फिनिशिंग टच' म्हण आसता तो ताच्या कश्टांक लागिल्लो जाल्यार आनिकूय बेस बरो प्रॉडक्ट आमकां मेळपाचो.

आयज पुंडलीक केळेकार आमच्यांत ना. अशें आसलें तरी ताचो हो संग्रह ताचेविशींच्यो म्होंव्यो यादी जागयतलो अशें हांव मानतां.

- गुरूनाथ केळेकार

मांडावळ

कथा

१. कुवाडें / १
२. उमाशेची रात / ४
3. हुंवारो / ७
४. चोर / १२
५. चूक / १७
६. देवालागीं मागणें / २१
७. सुंदरकाय / २५
८. वळख / ३१
९. गणेश / ३४
१०. सपन / ३९
११. योगायोग / ४२
१२. त्रिकोण / ४८
१३. गौरी / ५3

ललित

१४. मिलाग्रेचो दोतोर / ५९
१५. कॉलेजीचो प्रिन्सिपल
कसो आसचो?
- म्हजी एक कल्पना / ६3
१६. अडचावट मांय / ६८
१७. पिरवळ म्हजो गांव / ७२

अनुसर्जीत साहित्य

१८. मरण / ७९
१९. बिहारचो उलो / ८२
२०. पेर / ८८
२१. वॉन्टेड / ९२
२२. झिंगू / १००
२3. पत्राची उमळशीक / १०४
२४. कर्तव्य / १०८

दादोच्यो
कथा

* कुवाडें
* उमाशेची रात
* हुंवारो
* चोर
* चूक
* देवालागीं मागणें
* सुंदरकाय
* वळख
* गणेश
* सपन
* योगायोग
* त्रिकोण
* गौरी

कुवाडें

तो शेनवार आशिल्लो. मडगांवां तर म्हाका सांजेवेळच्या तीन वरांमेरेन पावपाक जाय आशिल्लें. दनपारचो जेवलों, भायर सरलों आनी मोटारीची वाट पळेत पिरवळच्या नाक्यार येवन रावलों. म्हाड्डोळचे दिकेन मडगांव वचपी बस येता तिचेर म्हजी नदर पडली. थांबऽथांबत, पॅसेंजरांक देंवयत, घेत ती येताली. म्हज्या म्हऱ्यांत पावना फुडें हांवेंय बी हात दाखयलो. मोटार थांबली. गाडी सामकी भरिल्ली. आठ-धा लोक उबे राविल्ले. वरभर उबो रावन वचचे परस दुसरी गाडी धरिल्ली बरी अशें खिणभर दिसलें. पूण मागीर येवजिलें, बेगीन तर पावपाक जाय. तेभायर दनपारची वेळ. धा-धा मिनटांनी गाडयो जश्यो सांजवेळच्यो मेळटात तश्यो कांय मेळपाक ना ह्या वेळार! अर्द-अर्द वरान गाडी. मुसकां तरी मारीत कित्याक बसुया? वचुया म्हुण मोटारीच्या फुडल्या दारांतल्या पयल्या सोंपणार पावल घालें. खिणांत विचार आयलो फोंड्यां कोणूय तरी देंवतले आनी म्हाका बसूंक जागो मेळटलो. झडझडीत पावल उखल्लें आनी उजवो खांको वयर काडीत बाकींच्या लोकांभशेन हुमकळत रावलों.

गाडी सुरू जाली. वेलींगचो सांकव काडलो. कोनेचीं आडवीं-तिडवीं व्होल्तां कापीत गाडी फास्ट वताली. फुडल्या दाराक तेंकून आशिल्ल्या एका सिटा म्हऱ्यांतूच हांव उबो राविल्लों आनी देखून म्हज्या उजव्या हाताच्या एका सिटार एक चली बशिल्लें म्हजे नदरेक पडलें. तीग जण बसपाच्या त्या सिटार दोन चल्यां मजगतीं तें वेवस्तीत बशिल्लें.

ते चलयेची दावी कूस, फाट आनी फुडो म्हाका स्पश्ट दिसतालो. कांत बरीच काळी आशिल्ली, पूण तरतरसाण आनी सुटसुटकाय दोळ्यांत भरले बगर रावनाशिल्ली. तिणें स्लीवलेस पोल्को घाल्लो पूण तो ताका मात लेगीत सोबनाशिल्लो. साडयेचो पदर परतो परतो निसरून मांडयेर पडटालो. परतोय

वयर काडटालें आनी तोवूय बी मुरको मारुनूच, फाटल्या-फुडल्यांचेर नदर फिरकायत. फर्मागुडीवेल्या गोपाळ-गणपतीक पांयां पडटना लेगीत ताका मुरखोच येवजलो. म्हऱ्यांत बशिल्ले दोगूय जण तरणे द्वारपाळ ताका हात, पांय, कोपर, भूज तेंकोवन बशिल्ले.

फोंडेच्या मिलीटरी कॅम्पाकडें बस पावली आनी ते चलये म्हऱ्यांत बशिल्लो एक चलो उठपाची तयारी करपाक लागलो. ताका फोंडेंच्या प्रासार देंवपाक जाय आशिल्लें जांवये! तो उठतकीर म्हाका थंय बसपाक जागो मेळटलो हे आशेन मनांतल्या मनांत म्हाकाय सूऽ जालें. गाडी प्रासार पावली आनी थांबली. तो चलो उठलो आनी वचपाक लागलो. त्या रिकाम्या जाग्यार बसपाक हांवें पांय फुडें काडला मात चार सिटां फाटलो एक भुरगो घसके मारीत आयलो आनी म्हाका धुकलीत आपूण वचून त्या सिटार बसलो.

म्हाका बङ्क्यां देंवपाक जाय आशिल्लें. देखून फुडल्या दोन सिटांचेरूच बसप हांव पसंत करतालों. पूण आतां फुडलो खंयचो? फाटलोय बी रिकामो नाशिल्लो. तात्पर्य उबो रावपाची पाळी म्हजेर परतीय येवन पडिल्ली.

ताटकळत उबो राविल्लेकडें आनी आनीक विचार तरी कसले सुचतले? मुखार बसलां तें चली कोण जावये ह्या प्रस्नान म्हाका जापेक घालो.

फोंड्यां प्रासारसून गाडी सुटऽ म्हणसर तें थंड आशिल्लें. नव्यान येवन बशिल्लो चलो आपले हात पांय हालयतालो, पूण वाचा मात बंद आशिल्ली. फोंड्यां तिस्कार पावतकच दावे वटेन वचपी मडगांवच्या रस्त्यावटेन गाडी वळ्ळी आनी तो चलो ताचेर मात्सो लकलो. हांसून खिदळून ते चलयेनूय ताका येवकार दिलो. ताका ताचो स्पर्श जाय आशिल्लो जांवये! मिलिटरी कॅम्प काडून जातकीर निलगिरीच्या झाडांकडें बोट दाखोवन तो ताका कितें तरी सांगूंक लागलो आनी इतल्यान हारश्यांतल्यान घस्स करून येवपी वाऱ्यान दोगांचोय हांसो बसभर फांकायलो. बसींतले खूबशे जाण घुरमेन आशिल्ले तर कांय जाण आपल्या गजालींनी मिसळल्ले. हांवें बसींत अशीऽ नदर भिरकायली. पूण कोणा एकाचेंय लक्ष तांचेकडें गेल्लें म्हाका दिसलें ना. एक-एकलो आपले तंद्रेंत आशिल्लो. हांव तांचे म्हऱ्यांत उबो राविल्ल्यान म्हाका तांचो हांसो मात्सो अजापाचो दिसलो. एक अनवळखी चलो फाटल्यांतल्यान येवन फुडें ताचेसरी बसता आनी अब्बा पांच मिनटांत वळख करता तें पळोवन म्हाका तांचें मात्शें कवतूक करचेशें दिसलें.

फ्रांसाक असल्यो जलद गजाली घडटात म्हणपाचें म्हज्या वाचनांत आयिल्लें. पूण तसले देखाव हांवें अजून पळोवंक नाशिल्ले. गोंयांतूय बी असलें घडूंक लागलें म्हणपाचें कळून आयलें. बोरयेच्या कोकाकोला फॅक्टरीकडें गाडी पावली. तीं दोगांय जाणां आतां भरपूर उलयतालीं. ताणें ताच्या खांदार आतां हात घाल्लो. 'कोका कोला', 'फांटा' हे शब्द त्या चल्यान उच्चारले आनी 'म्हाका बाये रूऽच आयली' ह्या शब्दान त्या पातोळ्यान ताका जाप दिली. ताचो तो हावभाव पळोवन आनी तीं उतरां आयकून म्हाका त्या दोगांय जाणांची कीव येवपाक लागली. कोणूय तरी धंदेवाईक आसतलें अशें मनांतल्या मनांत हांवें रागान म्हळें.

इतल्यान गाडी बोरयेच्या पेडार पाविल्ली. म्हजें सहज लक्ष गेलें. ताचो हात मात्सो आतां मुखार पाविल्लो. तकली तकलेक तेंकताली. ताचो दावो हात ते चलयेन आपल्या उजव्या हातांत घेतिल्लो. तीं इतलीं घट्ट बशिल्लीं की थंय त्या सिटार तिगां बदला आतां चौगजाणांक बसपाक जागो जाल्लो. सीट मात्सो उक्तो दिसता तो पळोवन एका तोपयेकारान वचून थंय आपलो कुलो तेंकयलोच. तीं आनी मात्शीं घट्ट जालीं. आतां पोले पोल्यांक तेंकूंक लागिल्ले.

गाडी बोरयेचे इगर्जेसरी पावपाक कंडक्टराकडें तांची नदर फिरकली. ताका पळोवन तीं दोगांय जाणां हांसलीं पूण वेंग मात सोडली ना. म्हजे मुखार एक प्रस्नचिन्ह निर्माण जालें. तें कोण? फोंड्यां ताचेसरी येवन तो बशिल्लो. ताचे नंतर तांची वळख थंयच्या थंय जाली आनी ते वळखी उपरांत ताणें ताच्या खांदार हात घाल्लो; मागीर हात हातांत घेतिल्लो, पोले पोल्यांक तेंकयल्ले. आतां हाचेफुडें कितें घडटलें काय? बस इतल्यांत बोरयेच्या पुला आयल्यान येवन थांबली. ताणीं आनी वेळ केलो ना. झुब्ब करून उठलीं आनी सकयल सावर्डेच्या रस्त्यार वचपाची वाट धरली.

म्हाका सूऽऽऽ जालें.

बोरयेचो पूल चलून वचून परतो जेन्ना हांव बसींत बसलों, तेन्ना म्हजो प्रस्न हांवें कंडक्टराक सहज विचारलो. ताणें जाप दिली– शिरोडेचो तो अमको, कुंडयच्या आमक्याले चलयेकडेन लग्न जाला...

उमाशेची रात

बऱ्याऽ रातचो हांव जागो जालों. उमाशेची ती रात. मात्तय उजवाड नाशिल्लो. काळखे रातीकडें दोळे उक्ते करून खंय म्हुण पळेतलों? हे कुशीवेल्यान ते कुशीर अशीं कांय मिनटां हांतुणाचेरूच काडलीं. न्हीद म्हजी सोंपिल्ली. मेजार दवरलेले घडयाळीचेर नदर मारपाक हांव उठलों. साडे पांच जाल्लीं. म्हाका सूऽऽऽ जालें. सकाळ जायत आयिल्ली. कुडीचें जनेल उगडलें आनी भायर पळेलां मात, म्हजो आवरो उडलो. शेजारच्या एका घराच्या हुंबऱ्यार एक मनीस आनी ताका उजो पेटिल्लेवरी म्हाका दिसलो. हें पळेनाफुडें हांव खरेलोंच जागो आशिल्ल्याची खात्री पयलीं करून घेतली. वेळ आनी केलो ना तसोच धांवलों आनी अनुसुयाक उठयलें.

सांखळे भयणीगेर गेल्लेकडें ते राती ही गजाल घडली. कांय मिनटांतूच हुलपलेलो वास सगळ्यांच्या नाकांत गेलो. गजाली-बोबो-हुंयेली आयकूंक आयल्यो. आनी थंय वचपाक, कोणें तरी एके बायलेन त्या हुलपलेल्या देहार हाडून बालदीभर उदक रकयलें. तें त्या घरांतलें चली आशिल्लें.

एका गिरेस्त मनशाचें तें घर. अपुर्बायेचीं दोनूच भुरगीं. एक चलो आनी एक चली. ताचो धंदो म्हळ्यार, बाजारांत ताचें एक व्हड भुसारी दुकान. बापूय आनी पूत सकाळींफुडें जे दुकानार वताले ते जेवणापुरते येवन, परते जे वताले ते बद्द रातच्या णवांक परतताले. चली रुपान सोबीत, कामां करपांत तर हुशार, तातूंत आनी बापायले लाड. कितें विचारता? वयार आयिल्ल्या चलयांनी आपली विशी सदांच सांबाळूंक जाय. इश्कोलाक वता थंय ताचें एका भुरग्याचेर प्रेम बसलें. मोगाक दोळे नासतात ते अशे. तो एक शिंप्यालो पोर आशिल्लो. रूप सोडीत जाल्यार, ताच्या गुणांक लागिल्ली चुट्टी. शिकप-सवरप खंयचें! हेडूंक भोंवूंक वचप आनी फकाणां-मस्कऱ्यांनी वेळ घालवप! आनी हेंवूय कोणा

खुस्तार? बापायचे पयशे चोरून दिसपट्टे ताचे सुवादीन करपांत तें हुशार आशिल्लें. ताचे वांगडा फिरप, कोणाक दिसना अश्या जाग्यार वचून खबरी मारप. माजर दोळे धांपून दूद पिता, आपणांक आनी हांगा कोण पळेत? अशें तांकां बाबड्यांक दिसत. पूण प्रेमाचे धुंदींत फिरपी मनशाक लोक तरी कशे दिसतले? असल्यो गजाली म्हण्टात त्यो लोकांक कळपाक वेळ लागना. सगळ्या गांवांक हे 'युती' चो एकूच विशय मेळिल्लो.

बऱ्याऽ तेंपान बापायच्या कानार कोणें तरी ही गजाल घाली. ताका वायट दिसलें. चलयेक ताणें तापोवन काडलें. जाण्टो बी म्हुण पळेनासतनां तेंवूय ताका जापेर जाप दिवपाक लागलें. ताचो चलयेविशीं आशिल्लो मोग माया सगळी उडली. समजावपाचे यत्न तागेले फुकट वचपाक लागले. हाताभायर गेल्ले चलयेचें पावल ताचे प्रतिष्ठेक काळें लावपाक पाविल्लें. कोणा मनशाक ही गजाल कळप, त्या मनशान बापायक दोशी ठरवप. खरेलेंच ताचें हें दुर्दैव. लोकांदृश्टीन जाल्लो 'देख नाशिल्लो बापूय.'

त्या दिसाच्यान तो कठोर जावपाक लागलो. मायेचो किर्ण ताणें खीणभर पयस दवरलो. चलयेक ताणें सामकें बंदिस्त दवरलें. तिची नदर, तिचें उलोवणें, तिच्यो हालचाली चार वण्टींभितर घडपाक लागल्यो. कितले दीस म्हुण अशें चलतलें? मोग मोगासरी वळटा. ताका वेळ काळ कसो समजूंक येत! आनी बापूय तरी बावडो खंय-खंय म्हुण लक्ष दितलो! दिसा ढवळ्या चलतल्यो भेटी-गांठी आतां रातच्यो जावपाक लागल्यो. दिसभर दुकानार रावून पुरो जाल्लो देह. तो हांथुणार घालपाक ताका सुस्त न्हीद पडटाली. आनी हेवटेन एकमेकांक मेळपाचे आशेन बापायक न्हीद पडटा ताचेर लक्ष आसपी तळमळपी हो देह.

दीस वतात तश्यो कृतीय बी बदलूंक लागल्यो. हुलोप लागल्याबगर मात लज राखपाची ताका शक्यता दिसना जाली. कडक उपाय म्हुण रात-दीस ताका घरांत घालून भायल्यान चावी करून घेवप, इतल्याकडेन पावलें. म्हयनो जालो, दोन म्हयने जाले. जेवणा खाणाचेर तर ते चलयेन सामकें उदक सोडिल्लें. जिवाची ताका पर्वा नाशिल्ली. कलंक लावपी धुवेविशीं माया ताच्या मनांत अजून तरी उत्पन्न जावंक नाशिल्ली. परिस्थिती बदलुची, चलयेन आपलें धरणें सोडचें अशें ताका दिसचें. पूण मोगाचें फूल अजून बावूंक नाशिल्लें. आवय तर सामकी निर्शेल्ली. धूव, आवय-बापायची सांगणी मानपाक तयार नाशिल्ली आनी बापूय

घराण्याची प्रतिष्ठा दवरूंक पळेतालो.

घरचें वातावरण धुवेच्या मनासारकें जावप शक्य नाशिल्लें आनी तेच वांगडा मोगाचीं उडपी पांखां कापून दवरून ताका सूख नाशिल्लें. तेच रातीं, सकाळच्या झिळमीळटच्यार उठून ताणें आपल्या आंगाचेर पेट्रोल रकोवन घेतलें, जनेलांतल्यान भायर ऊडी मारली आनी उजो पेटोवन घेतलो.

'आत्महत्या'. सगळ्यांच्या तोंडांतल्यान हीं उतरां फुटलीं. हाचें कारण लोकांक खबर आशिल्लेंच. देह सामको हुलपून गेल्लो. पूण जीव मात अजून वचूंक नाशिल्लो. दोतोर आयलो पूण हॉस्पिटला शिवाय दुसरी आनी ताका वाट नाशिल्ली. वेळ आनी केलो ना रोखडेंच ताका मोटारींत घालें.

सगळेकडें धवसार धुकें पसरावल्लें. दंव पडटालो. कांय वेळान मोटार सुटली. सगळी रात भणभणलेले रस्त्यावेले दिवे एकदम पालवले. अपशकून कशे. दिवचलच्या हॉस्पिटलांत व्हरून ताका घालें. बापूय-आवय आनी सोयरे - शेजारी म्हऱ्यांत चिंतेन बशिल्ले. दनपारच्या बारा वरांचेर ताका शुद्ध आयली. मायेच्या मनशांत जिवांत जीव आयलो. दोळे मात ताचे उक्ते जायना जाले. आवयच्या उल्याक ताणें जाप दिली. बापायच्या तोंडांतल्यान कष्टी उतरां फुटलीं 'एका शिंप्याच्या पोरा खातीर पोरान आपलो जीव त्रासांत घालून घेतलो.'

आवय ताच्या तोंडांत कुलेरांतल्यान थेंब थेंब थंड काफी घालताली. बापायक पुतापेक्षा धूव सदांच चड जाय आसता. ताचें बरें जाल्लें ताका नाका आशिल्लें अशें न्हय. पूण समजून-सवरून एका व्यसनी आलेमपेड्ड्यार भुरग्याच्या गळ्यांत भांगरासारके आपले धुवेक व्हरून फांशी दिवप ताका जमलें ना. धुवेक जाल्ल्यो वेदना पळोवन शिंप्याल्या पोराबद्दल ताच्या मनांत द्वेश उत्पन्न जातालो. पोटांतल्यान फुटिल्लीं तीं ताचीं कश्टी उतरां चलयेच्या मोगाक जड जालीं.

बापायचीं तीं उतरां आयकून ताचे वोंठ हालूंक लागले. हात-पांय थरथरपाक लागले. आनी ताका अस्पश्ट उतर फुटलें.

''ताका गाळी घालपाचो तुका अधिकार ना.''

थेंबाथेंबान सांठायिल्ले घोंट-भर काफयेच्या आधारान तोंडांतल्यान फुटील्लीं तीं ताचीं उतरां निमणींच ठरलीं.

हुंवारो

दिनूऽऽऽऽ

ताका कोणेंतरी उलो मारलो आनी तागेले तकलेंत चलपी विचारांचें चक्र बंद पडलें. तागेले हे विचार फाटल्या दोन दिसमेरेन चलताले. सकाळ जावं, सांज जावं, दनपार-रात वेळ काळ नाशिल्लो. न्हिदेक तर सामकी कातर लागिल्ली. वोल्तेरार पडला थंय तो एकटोच आपले तंद्रेंत आसतालो. जेवपाक, च्या पिवपाक, तशेंच न्हावपाक जेन्नां घरचीं मनशां उलो मारतालीं तेन्ना 'ओ' दिवन तो आपलीं कामां आटोपून घेतालो. कोणेंय कितें विचारलें जाल्यार तो बेस बरी जाप दितालो. सभावांत बदल जाल्ल्याचें तो दाखोवन दिवंक तयार नासलो. उलो मारतकीर आपलीं कामां करून तो येतालो आनी दुसऱ्याच खिणाक तागेलें विचारचक्र परतें सुरू जातालें. विचाराची दडक एका मागशी एक येवन ताचें मन हुंवारांत सांपडिल्लें.

दिनू एक तरणाटो, कॉलेजींत शिकपी भुरगो, सदांच हांसऱ्या तोंडाचो, सदांच आनंदान उफाट भरिल्ली तागेली चर्या आज बदललेली पळोवन तागेले आर्मींग लेगीत दुखेस्त जाल्ले. परिक्षा सोंपून एक म्हयनो जाल्लो. रिझल्ट जरी लागूंक नासलो तरीपूण दिनू पास जातलोच म्हणपाचें सगळ्यांक खबर आशिल्लें. रिझल्टाचो हुस्को हें दिनूक बदलपाक कारण नाशिल्लें. जण एक आमीग ताका विचारून पळेतालो. पूण ताचें अस्वथ मन आपलें दुख्ख भायर ओतीऽ नाशिल्लें. ताका आपली व्यथा सांगनशी दिसताली. पूण ताचें मन दुसरेकडेन वोडटालें. सांगून लोकांकडल्यान हांशें करून घेवचे परस न सांगिल्लेंच बरें अशें ताका दिसतालें. ताच्या जिवनांत आजमेरेन जी गजाल घडलीना ती गजाल आज घडिल्ली.

दिनू आनी प्रभा हांची वळख जाल्ली कॉलेजींत. दोगांय जाणां एकेच कॉलेजींत

शिकतालीं आनी देखून एकमेकांक पळोवन घेवपाची तांकां संद सांपडटाली. दिनू जेन्नां जेवपाक येतालो तेच वेळार प्रभा येतालें. दोगांय जाणां एकमेकांची वाट पळेतालीं. तो आपल्याकडें उलोंवक येतलो हाची वाट तें सदांच पळेतालें; पूण दिनू मात्सो लजेस्त आशिल्ल्यान ताका पावल फुडें घालपाक धीर येना आशिल्लो. प्रभान आपलेकडें मेकळेपणान उलोवचें अशें ताका दिसतालें. आनी तो म्हुर्त केन्ना काय येत सो जातालो. दोगांय जाणां वेगवेगळ्या वर्गांत आशिल्ल्या कारणान कसलीच समस्या घेवन ताचेकडें वचपाचीय संद नाशिल्ली. शिवाय प्रभा सायन्सीक आशिल्लें आनी तो आर्टसाक. दिनू सगळ्या कार्यक्रमांनीं वांटो घेतालो. खेळ जावं, कसलेय प्रोग्राम जावं वा कसलेंय कोंपिटीशन आसूं, दिनू, तातूंत वांटो घेतल्याबगर रावनाशिल्लो आनी प्रभा त्या प्रोग्रामांक गेल्याबगर रावनाशिल्लें. कॉलेजिचो एक टर्म सोंपत आयिल्लो. पूण तांचे वागणुकेंत कांयच बदल जांवक नाशिल्लो. तांचें मन एकमेकांचेर बशिल्लें. पूण उलोवणीं मात जांवक नाशिल्लीं.

कॉलेजिच्या दुसऱ्या टर्माक सुरवात जाल्ली. गॅदरींग लागीं पाविल्लें आनी त्या निमतान कोंकणी नाटकाच्यो तालमी चलताल्यो. दिनूक मुखेल पार्ट आशिल्लो आनी हिरोयिनचें काम करपाक प्रभाक आमंत्रण गेल्लें. नाटकांत केन्नाच काम करूं नाशिल्ल्या प्रभान ताचो स्वीकार केल्लो. वेळ आयिल्लो, दोगांचीय वळख जाल्ली. आनी वळखिचें रुपांतर मोगांत जाल्लें. जें जावपाक जाय आशिल्लें तशें जाल्लें. दोगांय जाणांचें मन एकमेकांचेर बशिल्लें. प्रभान आपलो सांगाती सोदून काडिल्लो आनी आपल्या घरच्यां कडल्यान विरोध जावचोना हाचीय बी ताका खात्री आशिल्ली. देखून आपूण जावन ताणें ही खोश्येची गजाल तांच्या कानार घाल्ली. दिनूकूय प्रभा सोबऽ सारकें आशिल्लें. गोरेंपीठ्ठ, काळ्या बारीक लुकलुकीत दोळ्यांचें, गुलगुलीत धाकटी म्हुर्त. बावली कशी आपल्या मैत्रिणींच्या घोळक्यांत उठून दिसतालें. थंड सभावाचें प्रभा दिनूच्या सभावांत सारकें बसतालें. तांचें उलवणें, तांच्यो भेटी-गांठी लोकांच्या दुष्ट दोळ्यांक खुपसताल्यो. हाच्यो चाडयो ताका, ताच्यो हाका हें कळीचें सुत्र चलतालेंच. पूण त्या गजालींक दोगांच्याय मनांत वाव नाशिल्लो. तीं मानूंक केन्नाच तयार नाशिल्लीं. तांचो मोग अखण्ड आशिल्लो. तांचें दोगांय जाणांचें नातें सगळ्यांक कळून चुकील्लें; देखून समाजांत वावरुपाक तांकां भंय

दिसनाशिल्लो. मन ताणीं एकमेकांक ओंपिल्लें आनी विश्वास उत्पन्न करून घेतिल्लो.

परिक्षा लागीं पावत आयिल्ली. पास जावपाक जाय हे नदरेन दोगांय जाणां शिकतालीं, पूण तांच्या मनांत घोळटालो तो एकूच विशय आनी तो म्हळ्यार 'फुडाराचो'. परिक्षा सोंपतकच दोगांय जाणां आप-आपल्या घरा वतलीं. फुडलें वर्स ये म्हणसर वेळ कसो घालवप हेच चिंतेंत तीं दोगांय जाणां आसतालीं. दिनू आपल्या फुडाराचो सांगाती जावपाचो आसा हें प्रभान आपल्या घरा कळीत केल्लेंच आनी देखून सुटयेच्या दिसांत ताणें आपल्यागेर येवचें अशें प्रभाक दिसतालें. ताणें आपल्याली ही इत्सा ताका सांगली. लजेस्त दिनू ताचे हे इत्सेक हयकार दिवंक तयार नाशिल्लो. निमाणें ताच्या उतराक मान दिवन आपूण एक दीस तुमगेर येतां म्हणपाचें दिनून ताका वचन दिल्लें. तागेल्या भयणांक, भावांक आनी आवयक लेगीत दिनू वळखतालो; आनी दिनू एका नामवंत आनी बऱ्या नांवाजत्या घराण्यांतलो शिकिल्लो-सवरिल्लो भुरगो म्हणपाची ताची नामनाय आशिल्ली. आपूण थंय, तांगेर गेल्यार आपलो आदर सत्कार बरो जातलो हाची ताका खात्री आशिल्ली. पूण लज ताका एकवटेन फाटीं ओडटाली. थंय वचप भिडेस्तकायेचें जातलें हाची ताका पुराय खबर आसून लेगीत ताणें थंय येतलों म्हणपाचें वचन दिल्लें; फक्त प्रभाक खोशी दवरपाक.

परिक्षा सोंपून प्रभा आनी दिनू आपापल्या घरा गेलीं. पत्रांतल्यान खबरी वताल्योच. दिनूगेर आज एक आमीग आयिल्लो आनी ताचो वांगड घेवन, प्रभागेर वचपाचें आज ताणें थारायल्लें. आपूण अमकेच दिसा येतलों म्हणपाचें कळीत करनासतना ताणें प्रभागेर वचपाक पावल भायर घालें.

मन आंवळून मित्रावांगडा ताणें प्रभाल्या घरांत पावल घालें तें बरोबर दनपारच्या दोन वरांचेर. तें खंयूच पासयेक बी वचचें न्हय म्हुण ताणें हो वेळ पसंत केल्लो. वचून दोगूयजण बांकार बसले. घरांत बापूय आनी आवय ना म्हणपाचीं चिन्नां दिसतालीं. खंयूय तरी गेल्यां जांवक जाय असो ताणें तर्क केलो. एका निमतान प्रभाकूय आतां मेकळेपणान उलोवपाक कोणाचो भंय नाशिल्लो आनी भिडूय नाशिल्ली. अर्द वरान सुमार प्रभा च्या घेवन आयलें. पूण दिनूचे नदरेक नदर सुद्धां लायनासतना थेट भितर गेलें. आनी मात्शें रावन येत बी काय म्हुण ताणें वाट पळयली. पूण ते बरोच वेळ थंय रावन लेगीत प्रभान आपलें मुलूस

मन मोवळ्या

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY MANGALORE विश्व कोंकणी ग्रंथालय

लावंक दिली ना. तागेले भयणीचो निरोप घेवन ते भायर सरले आनी घरा येवपाक ते मोटारींत बसले. जशी जशी मोटार धांवताली तशे हाचे विचारूय धांवताले. तो येवजितालो....

म्हाका ताणें आपल्यागेर कित्याक आपयल्लो? ह्याच खातीर मूं? म्हजेकडेन एक शब्द लेगीत उलोवपाक आयलेंना. म्हजो आदर-सत्कार असोच ताका घडोवन हाडपाक जाय आशिल्लो? ताका तागेलीं पयलींचीं उतरां याद करून दितालीं. कॉलेजींतलें प्रभा आनी घरांतलें प्रभा एकूच काय असो ताका प्रस्न पडलो. हॉस्टेलांत आसतना ताची वागणूक आनी आज ताणें घडोवन हाडिल्लें दर्शन दोनूय गजाली ताका वांगडाच येवजून येताल्यो. ताका आपलेच करणेची लज दिसताली. खरो अन्याय प्रभाचो आसून लेगीत तो ताचो अन्याय करनाशिल्लो. ताचो ताका हे वेळार राग येनाशिल्लो. पूण आपुणूच दोशी म्हणपाचो ताका भास जातालो. आपल्यांत कांय दोश आसा म्हणून प्रभान आपलेवेलें मन काडलें काय?

ह्या विचारान तो जास्तच दुखी जालो. हुंवारांत सांपडिल्लेवरी तो व्हांवत गेलो. दुख्खी मनान तो घरा परतलो आनी आज दोन दीस जाले तो येवजुणुकेंत आसलो.

दिनूऽऽऽ

ताका कोणें तरी उलो मारलो. सदांचे भशेन न्हांवपाक वा जेवपाक आपयला हे विचारान तो उठलो आनी कुडींतल्यान भायर वचत जाल्यार पोष्टमन. ताणें ताच्या हातांत एक पत्र दिलें. अक्षर प्रभाचेंच आशिल्लें. तशेंच पिनून वडवचेंशें दिसलें. पूण ताणें तें फोडलें आनी थरथरत्या मनान तो वाचूंक लागलो.

मोगाळ दिनू,

तूं काल आमगेर येवन गेलो. म्हजे वागणुकेन तुका राग आयला हें हांव जाणां. तूं आमगेर आयलो. हांवें सांगलें म्हणून आयलो. तूं आमगेर आयल्लो तेन्ना तुज्या म्हऱ्यांत बसून खूब उलोंवचें म्हुण दिसतालें. पूण ज्या वेळार तूं आयलो त्या वेळार म्हज्या मनांतले विचार मनांतच उरले.

कॉलेजांत शिकपाक पयस शारांत आसतना हांव तुजे बरोबर मन मेकळेपणान वागतालें. कारण थंय आमचे घरचे अशे आत्मीयतेचे, वळखिचे कोणच उरनाशिल्ले. पूण घरांत म्हजेर जाल्ले संस्कार वेगळे. ते संस्कार इत्सा आसूनय

म्हाका काडून उडोवंक जायनात. घरच्या वातावरणांत कितें जादू आसा कोण जाणा; म्हाका तुजेकडेन उलोंवचें साधलें ना. भावंडां फुडें आनी तुज्या आमिगा फुडें तर म्हजें तोंड उगडलेंच ना. च्या दितनाय म्हजे हात थरथरताले. सानपणा पासून मनाचेर जाल्ले संस्कार कितले बळिश्ट आसतात न्हय?

कितेंय जालें तरी म्हजें मन आज अस्वस्त जालां. तुका म्हजे वागणुकेन कितें दिसलें आसतलें ह्या विचारानूंच हांव घुसमट्टां. तरी म्हाका दिसता ते संस्कार म्हजेर तशेच आसचे. आमचो फुडार बरो जातलो जाल्यार ते संस्कार आसूंकच जाय. सुधारणेच्या हुंवारांत ते संस्कार हुमटून पडले जाल्यार लगाम नाशिल्ले म्हजे जिणेक एकाद्रें वाकडें वळण लागत! आमचो फुडार अंध:कारमय जायत!

दिनू! हांव चुकलें आसत तर म्हाका क्षमा कर!

सदां तुगेलेंच,

प्रभा...

दिनून पत्र वाचलें. ताका प्रभान नवी नदर दिल्ली. दिनूलो मनांतलो हुंवारो थंड जालो!

(कोंकण भारती – ऑगस्ट १९६८)

चोर

रात जाल्ली. सगळेकडेन काळोख जाल्लो, सगळें शार मेल्लेवरी न्हिदिल्लें. वातावरण भयानक दिसतालें. पूण असले काळखे रातीक आनी भयानक वातावरणाक जर शंभू भीत रावलो तर ताचें पोट कशें भरत?

त्या घरांतल्या मागिलदारांतल्यान भितर वचपाचो शंभू यत्न करतालो. जनेल उगडपाचे तयारींत जसजशें तो पावल फुडें घालतालो तसतशी ताची नदर भोंवतणच्या वाठारार वताली. लागीं कोणाचीच अशी जाग ना ती पळोवन ताणें हळूच जनेलाची खिळी काडली आनी भितर सरलो. काळोख गुप्प जाल्लो. कोणाचीच जाग नाशिल्ली. घरा कोणूच नाशिल्लेवरी किण्ण पडिल्लें. घरांतली तर हालचाल कोणाकूच आयकूंक येना आशिल्ली.

शंभू हळुहळू एकएक पावल फुडें मारूंक लागलो. फुडें वतां वतां ताचो पांय एका मेजाक लागून ताचेवयलो व्हाझ सकयल पडून फुटिल्ल्याचो आवाज जालो. तो भिलो. पूण मात्सो. घरांत कोण एक जितो जीव ना हे कल्पनेनूच ताका धीर आयलो. इतल्यांत भितरल्यान एक प्रस्न आयलो-"कोण थंय?"

शंभू भिलो. जनेलाचें आदूफ ओडून घेतलें आनी जनेलाक लायिल्ल्या पड्ड्याभितर आपलें तोंड लिपोवपाचो यत्न करूंक लागलो. पूण कुडींतल्या पेटिल्ल्या दिव्यामुखार ताचीं शाणेपणां उगड्यार पडलीं. बोल्सांतलो सुरो काडपाक ताणें तयारी दाखयली आनी इतल्यांत ताची नदर एका भुरग्याचेर पेडली. धा वर्सांचो भुरगो आपल्या हांथुणाचेर उठून बशिल्लो. तो भिंवक नाशिल्लो. तोंड कावरें बावरें जावंक नाशिल्लें. अजापान पूण हांसरे नदरेन ताणें ताका विचारलें, "तुमी कोण? चोर?"

ताका जाप दिवपाची सोडून शंभून आपल्या बोल्सांत परत हात घालो. पूण

सुरो भायर काडचे बदला हात पोकोच भायर आयलो. ताचें हांसरें रूप पळोवन शंभूक आपलें कृत्य करप शक्य जालेंना. शंभू एक कट्टर चोर आशिल्लो. खुनी आशिल्लो. कितल्यां लोकांक ताणें सहज जिवेच मारल्यात. पूण हो एक धाकटो भुरगो आशिल्लो. ताचे दोळेच शंभूक भिवयताले. जशे हांसरे नदरेन भुरग्यान ताका प्रस्न केल्लो तशेच हांसरे नदरेन ताणें ताका जाप दिली- ''हय, हांव चोर.''

भुरग्यान अजापान ताका पळेलें, ''छट् तुमी चोर? आसूंक फाव ना! तुमच्या हातांत सुरो खंय आसा तर?''

शंभून अपुर्बायेन ताची फाट सांसपिली आनी हांसून ताका विचारलें, ''तुजें नांव कितें?''

''मुन्ना. आनी तुमचें नांव कितें?''

''म्हजें नांव चोर!'' बोल्सांतलो सुरो काडून ताणें ताका दाखयलो. गाजुलार करपाच्यो चावयो आनी हेर वस्तू ताणें जेन्ना ताका दाखयल्यो तेन्ना मात मुन्नाक खरें दिसलें. शंभूच्या हातांतलो सुरो घेवन ताणें ताका विचारलें, ''कितें काम आसा तुमचें आमगेल्या घरांत?''

''म्हजें काम चोरपाचें. तुजे आवय-बापूय खंय गेल्यात?''

''पापा आनी ममी सिनेमाक गेल्यांत. आनी एका वरा भरयांत परततलीं.''

''तुका केन्नाच व्हरनांत तीं?''

''व्हरतात. पूण आयचो सिनेमा हो जाण्ट्यानीच पळोवपाचो. देखून पापान म्हाका व्हेलोना.''

''तूं एकटोच आसा तर हांगा आज? भंय दिसना तुका?''

''भंय, दिसता तर. म्हज्या सांगाताक आमगेली वावराडी आशिल्ली, पूण तिगेलो चेडो बरो ना म्हुण ती आतांच गेल्या घरा.''

मुन्ना सगळें सांगीत वतालो आनी तेंच शंभूक जाय आशिल्लें. आसा तितलें घेवन घरचीं मनशां येवचे पयलीं पळ काडूंक जाय ह्या विचारांत तो आशिल्लो. इतल्यान मुन्नान ताका विचारलें,''तुमी चोरी कशी करतात?''

''तें तुका दिसतलेंच आतां.''

शंभून सगळेकडें एक व्हिस्त मारली, पूण ताका कांय एक नदरेक दिसलेंना. आपलेंच तें घर अशें समजून अधिकारान ताणें ताका विचारलें. "तुमगेले बरे बरे कपडे खंय आसात?"

"चल दाखयतां" अशें म्हणून ताणें ताचो हात आपल्या हातांत घेतलो आनी एके आरमारीकडेन बोट दाखयत ताणें म्हळें, "हातूंत आसा आमगेले बरे बरे म्हारग कपडे. चावी मात पापान व्हेल्या."

"आमकां चावयांची गरज ना!" अशें म्हणीत ताणें रोखडीच आरमार गापुलार केली आनी बेगीन बेगीन सगळ्यो वस्तु आपले पिशवेंत भरपाक लागलो.

"हळू काडात. फेर्र वतलें नाजाल्यार. म्हाका तर फेर्र नाशिल्ले कपडे आवडनात."

"आरे, अशें जर आमी सगळें सांबाळ्ळें तर आमचें कशें जातलें?" शंभून ताका समजायलो... आरमारींतल्या वयल्या खणांत दवरलेल्या एका भांगरा पट्याचें घड्याळ ताका दिसलें आनी ताणें ताका हात घालो.

"हें घड्याळ तुमीं व्हरतले?" ताच्या दोळ्यांत दुकां आयलीं. "फाटल्या वर्सा म्हगेल्या मामान ती म्हजे आवयक दिल्ली आनी तो आमगेर परत पावलोचना. ती घड्याळ एक याद म्हुण आवयन दवरल्या. ती जर व्हरत तर ममी खूब रडटली."

"असलें भांगराचें घड्याळ जर व्हेलेंना तर आमी चोर कसले? भिंव नाका तूं. तुगेले आवयक पापा असलेंच घड्याळ हाडून दिवंक शकता." शंभून दिल्ले जापेन मुन्नाक खरें दिसलें आनी तो गप्प बसलो.

"तुगेले आवयचें भांगर खंय आसा?"

"खंय म्हणजे? तिजोरेंत. भांगर केन्नां असले आरमारींत दवरतात?" मुन्नान ताका पिसो केल्लेवरी जाप दिली.

मुन्नान ताका सरळ तिजोरेसरीं व्हरून, चावयांचो घोंस ताचे सुवादीन केलो. ताणें तातुंतल्यो सगळ्यो वस्ती आपले पिशवेंत ओतल्यो आनी आशिल्लीं नाशिल्लीं पयशांचीं बंडलां काडून वचपाचे तयारीक लागलो. जेन्ना तो दारासरीं पावलो तेन्ना तो ताका म्हणूं लागलो. "हें तुमी सगळें व्हरतात तर?" आतां मात हे वेळार ताचें तोंड चिंतेस्त जाल्लें.

वेळ खूब जाल्लो. सिनेमा सुटपाचो जाल्लो. त्या पिश्या पोराचेर एक थापट फुलोवन वचचें अशें ताच्या मनांत आयलें. पूण मनशान तशें करप योग्य न्हय अशें ताचे ताकाच दिसलें. ताकाय पूण भावना म्हणटात त्यो आशिल्ल्योच. शंभूचें नांव पुलीसांच्या 'ब्लॅक लिस्टां'त जरी आसा तरी पूण त्या पोराचेर हात उखलपासारखी ताच्या मनांत जनावरा सारखी बुद्ध उत्पन्न जावंक नाशिल्ली. ताणें पिशवी जमनीर दवरली आनी म्हळें, ''हांव चोरपाक आयिल्लों. चोरिल्लो म्हाल व्हरूंकूच जाय.''

''हय तेंवूय खरेंच.'' शंभूचें म्हणणें ताका पटिल्लें. ''पूण ह्यो वस्तू जर तश्योच तुमकां व्हरपाक दिल्यो तर पापा म्हाका उलयतलो. ते कोणाकूय जर ह्यो वस्तू दीत तर तांचेकडल्यान पावती बरोवन घेतात. तुमी म्हाका पावती दिशात?'' खणांतसून पावतीचें पुस्तक आनी पेन काडून ताणें शंभूक प्रस्न केलो.

मुन्नान दिल्ल्या कागदाचेर शंभून ''म्हारग कपड्यांनी भरिल्ली आनी भरगच्च भांगरांनी भरिल्ली पिशवी'' अशें मुन्नान सांगिल्लीं उतरां बरयलीं आनी ताणें सकयल बेगीन बेगीन आपली सही करून तो गेलो.

शंभू सपणां देंवत वताना मुन्ना ताका सांगतालो, ''वळख दवरात. केन्नाय तरी आयलेबगर राव नाकात.'' तो फाटल्यान पळेतालो. लायटीच्या चक्क उजवाडांत मुन्नाचें हांसरें तोंड स्पश्ट दिसतालें.

अजून रातूच आशिल्ली. वाटेर लोकांचे येरादारीवेल्यान सिनेमा सुटिल्ल्यावरी दिसतालें. पासयांवेल्यान वचपी लोकांकडें सहज नदर फिरोवन शंभू मनांतल्या मनांत म्हणटालो, ह्या लोकांभितर त्या पिश्या पोराचे आवय-बापूय आसूंक जाय. बेगीन बेगीन वचून ताणें आपले कुडीचें कुलूप काडलें. इतल्यांत गुरख्यान ताका प्रस्न केलो- ''साब, तुमी खंय गेल्ले?'' ''सिनेमाक'' म्हुण सांगून ताणें आपले कुडीचें दार धांपून घेतलें, कपडे देंवयले आनी सुस्त नदरेन वोल्तेरार पडलो.

वोल्तेरार आड पडिल्ले कडेन तो विचार करीत बशिल्लो- तो हांसरे तोंडाचो भुरगो- ताचे ते प्रस्न- ताच्या प्रस्नांक आपल्यो जापो- ते कपडे- तीं भांगरां- ती पावती... पावतीची याद काडना फुडें तो भियेलो. शंभून त्या पोराक खरींच

उत्तरां दिल्लीं. ताणें विचारिल्ल्या सगळ्या प्रस्नांक ताणें दिल्ल्यो जापो सत्य सत्य आशिल्ल्यो. आपूण चोर हें ताणें खऱ्यांनींच सांगिल्लें आनी सत्य सत्य उलयतानां- वावुरतानां ताणें पावतेचेर सुद्धां खऱ्यांनीच आपली सही केल्ली. आतां तागेलें खरें नांव पोलीसांक कळटलें ह्या भंयान तो कावरो-बावरो जालो.

शंभू उठलो. कपडे आंगार चडयले. ती पिशवी हातांत घेतली. कुडीचें दार धांपलें लेगीत ना आनी तसोच लागलो चलूंक. वता आसतना गुरख्यान ताका परत विचारलें,

''साब आतां आनीं परत रातचो खंय वता!''

''पोलीस स्टेशनाचेर!''

आनी तेच वाटेन शंभूचीं पावलां पडटालीं.

चूक

मार्चची ३१ तारीख आशिल्ली. सरकारी ऑफिसांतलो अत्यंत म्हत्वाचो दीस. माधव एका ऑफिसांत एका व्हड हुद्यार आशिल्लो. सांजवेळचीं साडे पांच केन्नां जालीं म्हणपाचें ताचे नदरेक मात लेगीत आयलेंना.

घरांतले गॅरेजींत मोटार दवरून तो भितर सरलो. ताची घरकान्न मीरा 'महिला मंडळा'चे एके सभेक गेल्ली. फ्रिज उगडून ताणें कोका कोला काडलो आनी ताचो एक एक घोंट घेत वोल्तेरार आड पडलो. इत्सा जाली म्हुण ताणें सिगरेट ओडपाक बोल्सांत हात घालो; आनी तेच वेळार ताच्या हाताक बोल्सांत आशिल्ली घड्याळ लागली. मीरान ती सारखी करून हाडपाखातीर ताचेकडें आज पंदरा दीस जाले आपली घड्याळ दिल्ली. सदांच तो ताचेकडल्यान उलोवणी खातालो आनी आज सारखी करून हाडटांच म्हुण ताणें ताका वचन दिल्लें.

ऑफिसांतले गडबडीक लागून आज तो तें सारखें करून घेवपाक विसरून गेल्लो. मीरा आज ताचेर कितलें फडफडटलें हाचो ताणें विचार केलो आनी मात्सो भियेलोय. मीराची इत्सा तो आज पंदरा दीस जाले तरी पूर्ण करूंक शकना आशिल्लो. अजूनपर्यंत चूक सुदारप शक्य आशिल्लें देखून बाजारांतलीं दुकानां बंद जावचे पयलीं वचपाचें ताणें थारायलें.

बेगीन बेगीन ताणें कोट आंगार चडयलो आनी गॅरेजींतल्यान गाडी भायर काडून, जाता तितली फास्ट व्हरून स जावचे पयलीं बाजारांत पावपाचे ताणें यत्न केले पूण व्यर्थ. घड्याळां सारखी करपाचीं दुकानां सगळीं धांपिल्लीं. आतां हेंच तोंड मीराक दाखोवन ताचेकडलीं उलोवणी खावचेपेक्षां रातचीं आठ-णव मेरेन अऽशी क्लबांत मजा मारून एकदम जेवपाच्या वेळार हाजीर रावचें अशें ताणें थारायलें. तशीच गाडी ताणें परतिली आनी एका क्लबांत वचून बसलो.

क्लबांत गर्दी आशिल्ली. कास्ताद पियोवपी लोकांचो एका मेजाभोंवतणीं मेळावो जाल्लो आनी हातांत ग्लास घेवन येवजणीवरी जावन बशिल्ले. येवपी लोकांक येवकार दिवपाखातीर मेरी आनी फातिमा तयारींत आशिल्लीं. क्लबांतल्या मदल्या हॉलांत दोन जोडपीं वाजपाच्या तालार नाचतालीं आनी कुशीक एका मेजार एकटेंच एक चली बशिल्लें. कपडे ताण घट्ट घाल्ल्यान ताची सुंदरकाय फुलून दिसताली. काळेच केंस, बारीक दोळे आनी लुबलुबीत आंग पळोवन माधवाक थंय ताचेसरी वचून बसन दिसलें.

मेरी आनी फातिमा माधवासरी येवन ताची ऑर्डर कळीत करून घेतालीं. हें पळोवन माधवान ते चलयेक म्हळें 'म्हजे वांगडा एक ग्लास बीयर घेवपाची तयारी आसा?'

'घेवयां' तिणें आनंदान ताका जाप दिली.

हांसून खेळून तीं दोन ग्लास बीयर पिलीं. बँडाच्या तालार पांच मिनटां दोगांय जाणां नाचलीं. जाल्ल्या सहवासांत माधवाक ती खूब आवडली. असल्यो चलयो चुकून मेळटात. पूण चड वळख आनी ताचेविशीं वासपूस घेतिल्ली बरी न्हय देखून तिचो निरोप घेवपाचो ताणें थारायलें. 'खंय रावता?' ह्या प्रस्नाचेर माधवाक जेन्ना तिचेकडल्यान जाप मेळ्ळी ते वेळार ताणें तिका आपले मोटारींतल्यान पावोवपाची आस्त दाखयली.

हॉटेलांतलें बील पागार करून तीं दोगांय जाणां भायर सरलीं आनी मोटारींत येवन बसलीं.

मोटार चलताली. मळब निवळ आशिल्लें. पुनवेचो चन्द्रीम निकतोच वयर सरतालो. रस्त्याचे दोनूय वटेंतल्या शेतांतलीं भाताचीं कणसां वाऱ्याच्या झोतार खेळटालीं. रात सुंदर दिसताली.

माधव मोटार चलयतालो आनी ताच्या म्हऱ्यांत सामकी तेंकून ती बशिल्ली. तिगेले केंस वाऱ्याचे झोती वांगडा ताचे मानेक खातखुतल्यो करताले. एके वटेन अश्या ह्या गोड वातावरणांत माधव मोटार हळुहळू व्हरतालो.

जितलो माधव तिचेकडे मेकळेसाणीन वागतालो, तितली ती ताका तेंकून येवन बसताली. माधवाक आपले जबाबदारीची जाणवीकाय आयली. घरा बेगीन वचूंक जाय अशें जेन्ना ताका दिसलें तेन्ना ताका कितलीं वरां जालीं काय?

अशें समजून घेवपाची इत्सा जाली. आनी तेच वांगडा ताका मीराले घड्याळाची याद जाली. लग्ना वेळार मीराक तागेल्या बापायन दिल्ली कितली म्हारग घडयाळ ती....

येवजितां येवजितां ताका संशय आयलो.... म्हऱ्यांत बशिल्ले मैत्रिणीक अशी मात्शी कुशीन बसपाक सांगलें आनी तिका कळीत जावचें न्हय अशे तरेनें ताणें आपलीं बोल्सां सांसपिलीं.

बोल्सांत घड्याळ नाशिल्लें. आपल्या वांगडा ही लाडीगोडी करून घड्याळ तिणें चोरिल्लें हाची ताका सामकी खात्री जाली. ताणें मोटारीचे ब्रेक एकदम दामले, कर्र.... कर्रऽऽऽऽ असो आवाज करीत मात्शी फुडें वचून गाडी थांबली.

"कितें जालें?" गाडी थांबनाफुडें तिणें ताका विचारलें.

"घड्याळ... घड्याळ!" माधवान तापीत म्हळें.

"किदें... किदें उलयतात तुमी? कसलें घड्याळ?" ती एकदम भियेल्ले वरी जावन उलोवंक लागली.

"बोवाळ करिनासतना दी तें घड्याळ. ना जाल्यार म्हाका तें फोर्सान घेंवचें पडटलें." माधवान तिचो हात दामून म्हळें.

"कसलें घड्याळ? किदें म्हण्टात तुमी?" ती भियेवन रडूंक लागली.

"बरे भशेन दिता काय ना तें सांग. हांव तसल्या रडण्याक भिना." हात मात्सो चड दामूनच ताणें म्हळें.

ती अदीकूच भियेली. तिणें बेगीन बेगीन घड्याळ काडून ताचेर मोखून वडयलें. ताणें तें पळयनासतना बोल्सांत घालें. तिका फरफरून भायर काडली आनी आपूण बसून, दार बंद केलें आनी तिका एकटीच रस्त्यार सोडून ताणें मोटार फास्ट सोडली.

घरचे दिशेन मोटार वतासतना माधवाच्या मनांत विचार आयले. 'किदें बिलंदर चलयो ह्यो! दिसपाक बऱ्यो पूण लाडी गोडी करतात तें फक्त हे खातीर! किदें तिचें नाटक पळेयात! घड्याळ बोल्सातलें केन्ना काडलें तें लेगीत कळ्ळें ना. ह्यो सगळ्यो चलयो दिसपाक साद्यो आसतात पूण भितरल्यान मात सामक्यो... सुटलों, जावं बाबा. घड्याळ सारकें जालेंना तें सोडूच. पूण जर तर चोरयेक गेल्लें तर कितलें नुकसान जातलें आशिल्लें!'

घरा पावनाफुडें ताणें मोटार गॅरेजींत दवरली आनी तडक येवन आपले कुडींत गेलो. मीरा सभेक गेल्लें अजून येवंक नाशिल्लें. बटन दामून दिवो पेटयला मात, माधव एकदम शॉकाद जालो. कारण म्हऱ्यांतल्या मेजाचेर येदोळ अर्दवट पियेवन दवरिल्ले कोकाकोला बाटले म्हऱ्यांत, मीराचें घड्याळ आशिल्लें. बोवाळान वचचे वेळार घड्याळ बोल्सांत घालपाचें सोडून ताणें मेजारूच दवरिल्लें.

"ते चलयेचें नांव तरी किदें? आनी नामो?'' विचारून घेवपाक ताका याद नाशिल्ली. "आतां करचें तरी किदें?'' माधव गोंदळांत पडिल्लो.

तो भायर आयलो. गॅरेजींतल्यान गाडी भायर काडली आनी त्याच रस्त्यान तो परत मोटार फास्ट सोडीत गेलो.....

देवालागीं मागणें

कपलाक ताच्या आटयो पडिल्ल्यो. पोल्यार ताच्या फिकेपणा दिसून येतालीं. वयलो वोंठ सदांच धांपून दवरपी ताच्यो धव्योफुल्ल मिशयो आज थरथरताल्यो. वक्लाच्या वाटकुळयाच भिंगांतसून सदांच लुकलुकपी ताचे दोळे आज धांपिल्लेवरी दिसताले. घामान चिप्प भिजून हारशावरी जाल्लें खोमिस ताच्या गळ्यांतल्या जानव्याचे पोड स्पश्ट दाखयतालें. देवाऱ्या मुखार आसनमांडी घालून बशिल्ली भिकुदादाली थरथरती कूड आज हात जोडून कितें मागताली? देवाऱ्यांतले मूर्तीकडेन काकुळते नदरेन ताणें आपली दृष्टी कित्याक एकवटीत करून दवरलेली? अशें कसलें संकश्ट ताच्या पदरांत पडिल्लें? 'नाण्याक जश्यो दोन वटो आसतात, तश्यो मनशाचे जिणेंत लेगीत सूख आनी दुख्ख अशीं दोन रूपां आसतातूच.' अशा उतरांनी लोकांचें सांत्वन करपी आज हो साठी हुंपिल्लो जाण्टो मनीस देवाकडसून कितेंय तरी सोदतालो.

भिकुदाद एक नांवाजतो मनीस! मानादीक, चार चौगांक पावपी असो, मनान सदांच निर्मळ. अशा ह्या देवमनशाक गांवांत कोण वळखनाशिल्लो? कित्याचीय गरज लागली जाल्यार लोक भिकुदादासरींच धांवून येताले. गांवांत कितेंय घडपाचें आसा जाल्यार भिकुदादाचें मत घेतल्याबगर कोणच मुखार सरनाशिल्ले. भिकुदाद म्हळ्यार गांवांतल्या सगळ्या मनशांक अभिमान. लोक ताका एक मोठो भाटकार, पयशेकार, आनी जाण्टो मनीस अशे नदरेन पळेनासतना बापायसमान लेखताले. ताणें केन्नाच कोणांक वायट उतरांनी दुखयलोना. अशा ह्या म्हापुरुसाच्या दोळ्यांत दुकां दिश्टी पडत जाल्यार गांव कसो सुस्त बसत! तांचें मन कळवळ्ळ्या बगर कशें रावत?

दुसऱ्यांचें बरें करप, तांच्या सूख-दुख्खांत भागिदार जावप हेंच एक आपलें कर्तव्य अशें मानून जाणें आपलें आजमेरेनचें जिणें काडलें, ताका आज गांवचो

लोक आधार दिना जाल्यार आनी कोण दितले? सदांच आपलेपणान आनी मायेमोगान वावुरपी-सवरूपी भिकुदाद आपलें दुख्ख मात केन्नाच कोणाक सांगनाशिल्लो. ताची सुलूस लेगीत तो लोकांक लागूंक दिना आशिल्लो.

भिकू हो आवयबापायलो एकलोच पूत. ताचो बापूय रघुवीरदाद ताचे भशेनूच मोठ्या मनाचो आशिल्लो. ताका बापायचोच चड सहवास मेळिल्लो. रघुवीरदादाली इस्टेट इतली आशिल्ली, मान इतलो आशिल्लो, पूण ताच्या घरांत खूब वर्सांमेरेन पाळणें हालूंक नाशिल्लें. देखून ताचे उप्रांत खूब तेंपान नवसांनी जाल्लो हो भिकू ताका स्वर्ग कसो आशिल्लो. भिकू म्हळ्यार सगळ्यांचो जीव. ताणीं ताचें कितेंच उणें केलेंना. तो कितें म्हण्टा तें हाडून दिवपाची तांक तांकां आशिल्ली आनी ताची उमेद भागोवप हातुंतूच खरें सूख आसा अशें तीं मानतालीं. भिकू म्हळ्यार आनंद, भिकू म्हळ्यार विश्व, भिकू म्हळ्यार सगळें अशें समजुपी रघुवीरदादाल्या जीवनांत तो जल्माक येतकच फक्त पांच वर्सांनी दुख्खाचो दोंगर कोसळ्ळो. भिकुले आवयक काळजाची पिडा जावंक लागली. अळंग आनी साळकावरी जाल्ल्या तिच्या शिरपुट्या देहाक येवजून येतालें तें फक्त भिकुच्या फुडाराचें! घरकाराक दम्याची पिडा, आपणाली ही अवस्था आनी अशे परिस्थितींत भिकुचें जातलें कशें हें येवजू-येवजुनूच तिचें चड जडार पडिल्लें. नवसांनी जाल्ल्या पुताक ती चड दीस पळोवंक उरलीना. भिकू स वर्सांचो आसतनाच ताची आवय ताका सोडून गेली.

भिकुचो सांबाळ करपाक हेर लोक नाशिल्ले अशें न्हय पूण आवयचे मायेची सर हेरांक येवची पडल्या? रघुवीरदाद जाता तितलो यत्न करतालो; घरकान्नीच्या उगडासान तो कश्टी जातालो. भिकू जावचे पयलीं भुरग्याचे आशेन तळमळपी रघुवीरदाद आज चलो आसून लेगीत दुख्ख सोंसतालो.

भिकू जाण्टो जाल्लो. भुरगेपणा सावन समजिकाय, प्रेमळ आनी शुद्ध मन हे गूण ताणें बापायकडसून घेतिल्ले. आवयचो मोग चोखून घेवपाची संद मेळनाशिल्ल्या ह्या पोराक सगलें समजतालें. घरच्या वेव्हारांत लक्ष घालप, भाटां-बेसां सांबाळप हे तागेले सदांचेच नेम आशिल्ले. बापूय कश्टी जावचो न्हय म्हुण तो जाता तितले यत्न करतालो. आपली जोत केन्ना पालवत हाची खात्री नाशिल्ल्यान जीव आसतनांच आपल्या दोळ्यां सामकार भिकुचे चार हात करून उडोवंचे हे नदरेन रघुवीरदादान ताचेसरीं प्रश्न काडलो. भिकुची तिशी

सरिल्ली. बापायच्या उतरा भायर नाशिल्लो तो. रोखडोच ताणें हयकार दिलो आनी लागच्याच म्हुर्तार ताणें ताचें लग्न करून उडयलें.

रघुवीरदादाच्या मरणा उप्रांत भिकूच घरचो धनी जाल्लो. बापायचीच सावळी. ताचेभशेनूच रूप आनी वागणें लेगीत तशेंच. तो भायर अभिमानान जगतालो पूण ताका जी बायल मेळिल्ली ती मात सामकी झगडाळ. दर एका उतराक ती ताका धेकणायताली. भिकुचो थंड सभाव मात जाप करनाशिल्लो. घरांत कोणय आयल्यार, जेवपाक बी रावल्लो तिका सोंसनाशिल्लें. उतरा कणकणीं तिचीं नस्तीं उलोवणीं आनी तिचो तो तापट आनी बडबडो स्वभाव पळोवन तो सामको उबगल्लो. पूण भटा सामकार हातांत हात दिवन घरकान्न म्हुण हाडिल्ले बायलेक उश्टवाऱ्यार घालपाची दुश्ट बुद्धी ताच्या मनांत केन्नाच येवजून आयलीना. सत्यान वावुरपी मनशाचें रूप एक दीस तरी कळून येतलें हे आशेर तो वावुरतालो. आपल्याकडसून जितलें दिवंक जाता तितलें सूख दिवप ह्या मत्ताचो तो आशिल्लो. नाका जाल्लें उलोवणें आयकून तो सामको बेजार जावन गेल्लो. जीव आसा सर जगूंक जाय हें चिंतून तिचे बडबडे जिबेक तो केन्नाच तोंड दिना आशिल्लो. तोंडाक तोंड दिल्यार झगडीं जातात देखून समाजाक पळोवन तो वोगी रावतालो. कुळाची अब्रु राखप हेंच एक आपलें व्हड कर्तव्य अशें तो मानीत आयिल्लो. लग्न जावन तीन वर्सां जाल्लीं. तांकां एक सोबीत बरो चलो जाल्लो. चल्याचें हांसतें तोंड पळोवन भिकूक खोस जाताली. जाण्टेपणांत आपल्याक ताचेकडल्यान आधार मेळटलो हाची ताका खात्री दिसून येताली. भिकून आपले बायलेचे दुर्गूण कितलेय जरी लिपोवपाचे यत्न केले, तरी पूण सगळो गांव तिगेलो स्वभाव वळखून आशिल्लो. पूण भिकुल्या तोंडाक पळोवन लोक वोगी रावताले. तो खूब त्रास सोंसतालो पूण आपले बायलेच्यो वायट गजाली ताणें चाडयो करून दुसऱ्यांच्या कानांत केन्नाच फुंकल्योना. भिकूक आज येदो व्हडलो संवसार आसा, अपुर्बायेचो चलो पदरांत आसा, मान-भोवमान आसा पूण ताच्या वाट्याक नाशिल्लें तें सूख! भुरगेपणांत आवयचें सूख मेळ्ळेंनां आनी आतां बायलेकडल्यान मेळत म्हुण आस नाशिल्ली.

खूब वर्सां पासार जालीं. सगळो गांव ताका भिकुदाद म्हुण वळखतालो. ताचो चलो जाण्टो जाल्लो. शिकिल्लो-सवरलेलो, पूण बापायच्या उतराक मात ताणें केन्नाच मान दिलोना. मंद सभावाच्या बापायक तो तापयतालो,

किणकिणायतालो आनी तुसडे नदरेन पळेतालो. येदीं व्हडलीं भाटां-बेसां आसून लेगीत तातूंत वावर करप हें ताका कमीपणाचें दिसतालें. आपल्याक समाजांत खूब मान आसा सो ताका दिसतालो. पूण बापायच्या व्हडपणाक लागून ताच्यो वायट करण्यो लेगीत लोक मोनेपणान सोंसताले. ही गजाल ताका केन्नाच मनाक पटनाशिल्ली. आवयची देख ताका बादिल्ली. सदांच दुस्वासान वागपी चल्याक भिकूदाद समजावपाचो यत्न करतालो. पूण तातूंत ताका यश मेळनाशिल्लें. वेंगांत घेवन वाडयल्लो हो ताचो पूत आज ताका खोंट मारिल्लेवरी करतालो.

जें सूख भुरगेपणांत आवयकडल्यान मेळ्ळेंना; जें सूख तरणेपणांत बायलेकडल्यान घेवपाक तो शकलोना, तें जाण्टेपणांत भुरग्याकडल्यान तरी मेळटलें हे आशेर तो जगतालो. तेच आशेर ताका जगन दिसतालें. मरपावेळार तें सूख घेवन जीव सोडया अशें तो दिस-रात येवजितालो. पूण तें खंय मेळूंक आयलां?

संबंद जीण दुख्खान आनी त्रासान सारपी भिकुदाद, देवासरीं कितें मागतलो काय? भिकुदादाल्या तोंडांतल्यान हाची जाप केन्नाच फुटलींना.

सुंदरकाय

उबाळाचे दीस आशिल्ले. सगळी रात घुंवघुंवन पुरो जाल्लो फॅन उठून बंद करचो म्हुण हांवें म्हजें पांगरूण कुशीक उडयलें. एक बरी व्हडली जांबय दिली, उठलों, फॅनाचो बटन ऑफ केलो आनी परतें येंवन आंग हांतुणाचेर हांवें घालें. सगळेकडेन थंड जाल्ले वरी जाल्लें. फॅनाचो घरघरपी आवाज म्हज्या कानार अजून घोगेतालो. इतल्यान दाराची बॅल वाजली. इतल्या सकाळीं कोण म्हणपाचें म्हज्या मनांत मात लेगीत आयलेंना. उठलों, बानयान चडयलें आनी दाराची खिळी काडली. उगडून पळेत जाल्यार एक सुंदर चली. हांवें तोंड धुवूंक नाशिल्लें, केंसांक फणी मारूंक नाशिल्ली. ते चलयेक पळोवन म्हाका भयंकर लज जाली. हांवें म्हज्या घाणयाऱ्या तोंडांतल्यान एक शब्द लेगीत काडलोना. कुरवांनींच ताका घरांत भितर सरपाक सांगलें आनी तें सोफाचेर बसलां शें पळोवन हांव थेट भितर गेलों. बेगीन बेगीन ब्रश काडून ताका पेस्ट लायलें. रातच्या उदकान घोंट घेतलो आनी काम जाता तितलें बेगीन आटपून घेतलें. तें कित्याक आयलां म्हणपाचें कळीत जावपाक म्हजें मन भितरल्या भितर धांवतालें. हांव एक आंकवार चलो. निकतोच कॉलेजची डिग्री घेवन भायर सरून एका व्हड हुद्याचेर एके मोटे कंपनींत काम करतालों. कामाचो अणभव पयलीं कांयच नाशिल्ल्यान तकलेर खूब वजें पडटालें. नोकरेक लागल्यार एक म्हयनो लेगीत जावंक नाशिल्लो. हांव एक त्या गांवांत सामको नवखो आशिल्ल्यान म्हज्यो वळखी लेगीत व्हड नाशिल्ल्यो. म्हज्या ऑफीसांत काम करपी लोक आनी त्या भायर पाववालो, दुदकार, मडवळ आनी घर लींप करपाक चेडो, हाचेभायर म्हजी वळख दुसऱ्यांकडेन, तशीच तांची वळख म्हजेकडेन म्हण्टा ती खंयच नाशिल्ली. चलयो आनी तातूंत म्हज्या सारक्या एका लजपी चल्याच्यो वळखी चलयांकडें

आसप म्हळ्यार म्हजें एक व्हड कार्य. पूण तें केन्नाच शक्य नाशिल्लें. तोंड धुवन हांव ताचेसरीं आयलों. इतले सकाळीं म्हजे सारक्या एका अनवळखी मनशाकडें तें कित्याक आयलां, म्हाका मात लेगीत सुगावो लागलो ना. कदाचीत म्हजेकडें संबंद जुळोवपाक ताका जाय आसत, होच एक संशय म्हज्या मनांत आयलो. एका टोकार तें बसलांशें पळोवन सोफाच्या दुसऱ्या टोकार हांव बसलों आनी उलोवणें सुरू करपाक हांवें जाप घाली.

"तुमचें नांव कितें?"

भानार आयिल्लेवरी येवन तिणें जाप दिली. "हांव - म्हजें नांव मिसेस देसाय."

ती लग्न जाल्या म्हणपाचें म्हाका तिच्या उलोवण्यावेल्यान कळ्ळें आनी त्याच वेळार गळ्यांतलें मंगळसुत्रूय म्हजे नदरेक मेळ्ळें. कांय वेळ म्हज्या मनांत घोळिल्लो विचार थंयच्या थंयच विरलो. मात्शें वायट दिसलें खरें पूण तेवेळार मात्शें बरेंय दिसलें. परक्या गांवांत एके चलयेकडें संबंद दवरप आनी ताचे परिणाम बरे-वायट भोगप; नसते भानगडींत पडप म्हाका योग्य दिसनाशिल्लें. हांव एका विचारांत पडिल्लों पळोवन ती मागीर फुडें उलोवपाक लागली.

"तुमच्या ऑफिसांत काम करपी मिस्टर देसाय हांची हांव..."

"कळ्ळें कळ्ळें" तिचें उतर सोंपचे पयलींच हांवें म्हळें.

"कितें काम आशिल्लें?" हांवें प्रस्न केलो.

तिणें काडून म्हजेकडें एक चीट दिली. मिस्टर देसायानीं बरयल्ली ती चीट आशिल्ली. आपूण दुयेंत आसां, देखून चार दिसांची सुटी दिवची अशें मागून बरयल्ली ती चीट आशिल्ली.

"बरें" हांवें म्हळें आनी एक आनंद मेळिल्लेवरी जावन ती हांसऱ्या रूपान 'थँक्यू' म्हणून परतली.

सकाळच्यो सगळ्यो विधी सोपोवन हांवें कपडे चडयले आनी ऑफीसांत गेलों. मिस्टर देसाय ही व्यक्ती म्हज्या दोळ्यां मुखार येवपाक लागली आनी तेच वांगडा ताचे बायलेची ती सुंदरकाय म्हाका त्रास दिवंक लागली. मिस्टर देसाय हो इतलो कुरूप आशिल्लो की, ताका पळेल्यार लेगीत म्हाका संताप येतालो.

काळो किट्ट, खांपरी कसो, विद्रुप रुपाचो आनी रडक्या तोंडाचो. तें रुप पळोवन म्हाका तो दोळ्यां मुखार लेगीत नाका आशिल्लो. आनी ताची बायल? तिचें रुप, ताचेकडें तुलना करपाक म्हज्यान नजो जालें. मनांत मात एक विचार घोळूंक लागलो. येदी सुंदर चली ह्या देंवचाराक मेळची कशी? हे चलयेन हाका पसंत केलो कसो? विचारानींच आयचो दीस सोंपलो. हांवें वेळ आनी केलो ना. रुमार बी वचपाचें सोडून तसोच थेट हांव देसायागेर गेलों. खरें सांगपाचें म्हळ्यार, तागेर गेलो हांव फक्त तिका लागून. पूण निमित्त मात केलें ताचे खबरेक आयलां म्हुण. मन म्हजें तिचेसरीं ओडटालें. तिचें रुप म्हाका पळेन दिशिल्लें. तिका पळोवन खोशी जावपाचें आशिल्लें. हांव पावनाफुडें म्हाका तिणें हुनहुनीत येवकार दिलो. ज्या हांसऱ्या तोंडान ती म्हज्या रुमारसून परतल्ली तेंच रुप तिणें म्हाका परतें दाखयलें. सगळो वेळ तिका पळेत रावचें अशें जरी म्हाका दिसलें, तरी ते वेळार एके लग्न जाल्ले बायलेकडें अशे विशिष्ट नदरेन पळोवप म्हाका अभिमानास्पद नाशिल्लें. रोखडीच नदर दुसरेकडें फिरोवन हांवें तिच्या यजमानाची वासपूस केली. 'येयात' म्हुण तिणें म्हाका ताचेसरी व्हेलो. तिचीं मंद आनी नाजूक पावलां लेगीत म्हज्या दोळ्यांत भरतालीं.

हांव ताचेसरीं उलयतालों. ताची विचारपूस करून घेतालों. ताच्यो वेदना आयकून कितें वखद घेतल्यार बरें दिसत हाची जाणीव ताका हांव करून दितालों.

हॉटेलांत जशें वतकच 'च्या' म्हणनाफुडें एका मिनटांत 'च्या' येता तशी कांय मिनटांतच म्हजेसरीं 'च्या' आयली. हांव येतलों म्हुण हिका खबर आशिल्लें काय? पूण कशेंय जावं. पावण्याचो आदर सत्कार जसो जावंक जाय आशिल्लो तसो म्हाका मेळ्ळो. वरभर ताचेसरी रावन हांव रुमार येवपाक भायर सरलों.

तो बरो जायसर हांव ताच्या घरा वचपाक लागलों. कांय तेंपातूच म्हजी आनी तिची बरीच वळख जावन आयिल्ली. रुमार येतकच सदांच म्हजें मन अस्वस्थ जाल्लेवरी जावप. फकाणां-मस्करी, हांसप-खेळप, मजेंत-आनंदान हांव म्हजे दीस मनयतालों पूण फक्त ती जेन्ना म्हजे मुखार म्हाका दिश्टी पडटाली तेन्नाच. अशें कित्याक जावंक फावो म्हाका? म्हज्या मनांत फक्त एकूच विचार घोळटालो. ती हाका मेळ्ळी कशी?

सदांचे भशेन हांव तागेर एक दीस गेल्लों. मिस्टर घरा नाशिल्ल्याची गजाल तिणें म्हज्या कानार घाली. तिगेलो चलो, गोरो गोमटो सुरेश तिचे वेंगेंत आशिल्लो. दोगांय जाणां प्रेमाचे धुंदींत मन घालयतालीं. हांव दिसनाफुडें ती उठली आनी म्हज्या प्रश्नाक तिणें जाप दिली. हांव परतुपाक लागलों. तिणें म्हाका आडायलो. 'च्या' घेवन वच म्हण सांगलें. बायलमनीस एकलीच घरा आसतनां तिचेसरीं उलयत रावप हेंवूय म्हाका बरें दिसलेंना. पूण तिणें राव म्हुण सांगलें म्हुण-रावलों. हरशीं तिचेसरीं उलयत रावन आनंद भोगप हेंच हांव खरें सूख मानतालों, ही वेगळी गजाल. म्हज्या मनांत उत्पन्न जाल्लो प्रस्न तिका विचारपाचो होच एक योग आयला अशें समजून हांवें तिचेसरीं उलोवपाक सुरुवात केली.

प्रस्न विचारला मात, तिच्या दोळ्यांतल्यान ढळढळीत दुकां गळ्ळीं, हांव भिलों. म्हजें कावरें-बावरें तोंड पळोवन तिणें म्हाका मात्सो धीर हाडलो. ती म्हणूंक लागली. ''हीं दुकां सुखाचीं. दुख्खाचीं न्हय.'' आयकून मात्शें बरें दिसलें खरें, पूण तेचवेळार 'हें अशें कशें' म्हणपाचें जाणून घेवपाची उमेद जाली. ती सांगताली-

''हांव एका श्रीमंत घराण्यांतली चली. आमचें घराणें मोठें गिरेस्त पूण अभिमानास्पद. कोणाकडल्यान वायट म्हणून घेवप, कोणाकूय दुखवप ह्यो गजाली आमच्या घरच्यांकडल्यान केन्नाच घडून येनाशिल्ल्यो. कोणाकडल्यानूय अपमान करून घेवप म्हळ्यार मरण अशें आमी समजतालीं. कित्येक पिढयो आमी ह्यो आमच्यो अभिमानाच्यो गजाली आयकत आयिल्लीं आनी तातुंतच आमकां मोठेपणां दिसतालीं.''

''हांव अठरा वर्सांचें आसतनां म्हजो एका गिरेस्त आनी सुंदर भुरग्या वांगडा मोग जुळून आयलो. चोरून एकमेकांक मेळप-उलोवप आमचें सदांच चलतालें. आमीं दोग जाणां सोडून आनी कोणाकूच आमचें हें प्रेमप्रकरण खबर नाशिल्लें. दोन वर्सां मेरेन हें प्रकरण चल्लें. सादें जें मेळप उलोवप जातालें ताचे वयर गजाली घडपाक लागल्यो. तरणेपणाचे उमेदीन घनिष्ट संबंद जुळून आयले; आनी एक वेंगांत धरिल्लो चलो म्हजो फुडारी अशें धरूनच हांवें ताका विश्वासलो. कांय तेंपानूच म्हजेर एक प्रसंग येवपाकडेन पावलो. हांव आवय जावपाकडेन पाविल्लीं.

त्या भुरग्यान म्हजेकडले संबंद तोडिल्ले. ताणें आपलो सुवार्थ सादिल्लो. ताका मागीर म्हजी गरज नाशिल्ली.''

''म्हजेर आयिल्लो प्रसंग पळोवन म्हाका मरणाशिवाय आनी दुसरो उपाय नाशिल्लो. कित्येक पिढयो एका व्हड अभिमानान जगत आयिल्लें घराणें उस्टवाड्यार वचपाची म्हजी तयारी नाशिल्ली. घराण्याक कलंक लावपाचें दुख्ख जें म्हज्या आवय बापायक जातलें आशिल्लें ताच्या परस ह्या संवसारांत न रावप हेंच म्हाका योग्य दिसतालें. तेंच एक भूषण अशें हांव समजतालें. मरणाशिवाय म्हाका दुसरो पर्याय नाशिल्लो. हे परिस्थितींत म्हज्या मरणाआड आयले ते हे.'' आपल्या घोवाच्या फोटवाकडेन बोट दाखयत म्हाका सांगताली.

''तेच राती हांव लागचेच बांयत जीव दिवपाक गेलें. देवाक मनांतल्या मनांत पांयां पडलें आनी उडी मारली. त्या आवाजान एका मनशाक जाग आयली आनी ताणें उडी मारून म्हाका वयर काडलें. त्या मनशाचो म्हाका राग आयलो. वाचयल्ल्या बद्दल उपकार मागपाचे सोडून हांवें ताका गाळी मारपाक सुरू केल्यो. तो म्हाका कसोच सोडना जालो. ताका हांवें म्हजी सगळी वस्तुस्थिती सांगली. म्हाका आनी मरणाशिवाय दुसरो कसलोच पर्याय ना अशें जेन्ना ताका सांगलें तेन्ना ताणें म्हज्यो सगळ्यो अटी मान्य करपाचें वचन दिलें. हांवें ताका पोटांत भुरगें आशिल्ल्याचें सांगलें. म्हजेर मरणाचो योग हाडून दिवचे परस आपूण कितेंय आयकुपाक तयार आसां म्हणपाचें जेन्ना ताणें म्हाका सांगलें तेन्ना घराण्याची अब्रु राखपाची हे दृष्टीन हांवें ताका म्हजेकडें लग्न जावपाची म्हजी इत्सा परगटायली. ताणें म्हज्या उतराक मान दिलो. दुसऱ्याच दिसा आमी लग्न जालीं.''

दोळ्यांतलीं दुकां तिणें पदरान पुसलीं आनी फुडें सांगलें, ''आज लग्नाक पांच वर्सां जालीं, पूण म्हाका ज्या सुखांत ताणें दवरलां तें पळयत जाल्यार हांव देवाकडें इतलेंच मागतां की ताचो मोग म्हजेर असोच उरचो आनी तो उरतलोय हाची म्हाका खात्री आसा. अजून मेरेन ताणें म्हजेकडें फाटल्या गजालीविशीं एक शब्द लेगीत काडूंक ना. खऱ्या रूपान जरी हो म्हजो पूत सुरेश ताचो नासलो तरी पूण तो तेच मायेन ताचेसरीं वागता. जाणें म्हज्या घराण्याची अब्रु राखली,

जाणें म्हाका नवो संवसार दाखयलो आनी जे मायेन तो म्हजेकडें वागता सवरता ताचेपरस म्हाका आनी व्हड कांयच दिसना.''

हांव थंड बसून आयकतालों. म्हज्या तोंडांतल्यान चुकून उतरां फुटलीं– ''पूण तुका तुजो घोव सुंदर आसचो अशें दिसना?''

''सुंदरकायेविशीं तुमची व्याख्या कितें?'' तिणें म्हाका प्रश्न केलो.

हांव थंड रावलों. ती म्हाका फुडें सांगूंक लागली, ''ज्या चल्याकडेन हांवें पयलें प्रेम केलें तें सुंदरकायेक लागून. पूण ताचें मन म्हाका कळपाक वेळ लागलोना. पूण जाचेकडें हांव आज म्हजो संवसार करतां ताचें मन इतलें व्हड आसा की तेंच ताचें व्हडपण आनी तीच ताची सुंदरकाय अशें हांव समजतां.'' म्हज्या प्रस्नानी जाप म्हाका मेळिल्ली.

वळख

'टणऽ टणऽऽऽ'

वरां स वाजिल्लीं. सकाळ जाल्ली. भायर शेवणीं चिंवचिंवतालीं. शेतकार लोक लुवणेक वचपाच्या निमतान आमच्या घरावयल्या रस्त्यार एकठांय जाल्ले. हांव मात आज हांथुणाचेरूच लोळटालों. खरें म्हळ्यार म्हाका सगळी रात न्हीद नाशिल्ली. हाचे पयलीं वाजिल्लीं चार, पांच, साडेपांच हांवें स्पश्ट आयकल्लीं. एके कुशीवेल्यान दुसरे कुशीर, पांगरूण घेवप-उजो मारता म्हुण परत उडोवप; वाचपाची गोडी आशिल्ल्यान कितेंय तरी वाचुंया हे आशेन दिवो पेटोवप; न्हीद येताशी दिसता म्हुण दिवो पालोवप. खरें म्हळ्यार दिवो पेटोवन दवरल्यार लेगीत आज म्हजें वाचपाचेर लक्ष नासतलें आसलें. मन चंचल जाल्लें. कित्याकूच गोडी नाशिल्ली. आज म्हाका थंय वचपाचें आशिल्लें. ताचेसरी- ताचेकडेन उलोवपाक- म्हजी वळख ताका दिवपाक - ताची वळख करून घेवपाक.

हांव ताका वळखतालों, तेंय म्हाका वळखतालें जावंये! एके जात्रेक हांवें ताका पळेल्लें. ताणेंय म्हाका बेसबरो पळेल्लो जावंये! पूण उलोवणी जावपाक संद नाशिल्ली. आमचे मजगतीं कसलेच संबंद नाशिल्ले, नातेंय नाशिल्लें. अशे परिस्थितींत म्हज्या मनांतलो उमाळो ताका सांगून उडोवपाची म्हाका कसलीच संद मेळनाशिल्ली. अशी तशी केन्नाय मेळ्ळी जाल्यार म्हाका धीर येनाशिल्लो. आज म्हाका थंय ताचेसरी वचपाची एक संद आयिल्ली. ही संद परत मेळचिना हें म्हाका बेसबरें खबर आशिल्लें. आनी ते खातीरूच मनाचो निश्चय करून ताका मेळून येवपाचो आज हांवें विचार केल्लो. हांतुणावेलो उठचे पयलीं मनांत एकूच विचार घोळटालो- ताचेसरीं वचप काय ना? आज वतलों, फाल्यां वतलों करून एक वर्स सोंपिल्लें आनी वचपाचो एकूच निर्धार जेन्ना मनांत घोळत रावतालो तेन्ना, म्हज्या म्हाकाच दिसतालें, 'पोरा, तूं कसो वतलो? तुका ताणें जाप दिली ना जाल्यार!' आनी ह्या प्रस्नांच्यो जापो दिवपाक म्हाका जमनाशिल्लें, देखून

काळीज धडधडटालें. येवजिल्ल्या सगळ्या गजालींक उजो पेटिल्ले भाशेन दिसतालें. शांत जातकच मन म्हज्या म्हाकाच हळू सांगतालें, 'नाका त्यो भानगडी, तूं आसा तोच बरो' पूण मन स्वस्त बसनाशिल्लें. हुस्को मेकळो करून उडोवचो हेच आशेन, मत आनीआनीक बदलचेंना ह्या निश्चयान, पांगरूण भिरकटावन उडोवन तोंड धुवपाक गेलों. ब्रश घेवन तोंड धुवपाचो यत्न चलिल्लो. मेकळो हात बाबड्या ब्रशाक दांत घांस-घांसपाक लायतालो. 'कितलो वेळ तोंड धुवप चल्लां!' हीं कोणालीं तरी उतरां आयकून हांव मात्सो भानार आयलों. सगळ्यो विधी आटपून थंडसाणेन कुडींत वचून बसलों. - पांय थरथरूंक लागले- देखून हांतुणाचेर लवंडलों. वरां णव जाल्लीं. घरांतल्या रेडियोचेर पदां चलिल्लीं. पूण कसले भाशेंतलीं तीं पदां आशिल्लीं हें सांगपा इतलें म्हाका भान नाशिल्लें. पदांचो सूर जरी कानार पडलो तरी पूण मन मात धांवतालें ताका सोदपाक. कितें करप आतां? वचप काय ना? विचारांक म्हगेल्या थारो मेळनाशिल्लो.

दनपार जावन सांजवेळ येवपाक लागिल्ली. वेळ होगडायल्यार तो परत येवपाक ना हें कळीत जावन म्हज्या हांवेंच म्हज्या न वचपाच्या विचारांक थारो दिलोना. कपडे आंगार चडयले, केंस वळयले, बूट घाले, देवाक पांयां पडलों आनी रस्त्याची वाट धरली. मोटार येवपाची वाट पळेत बसलों. मोटार आयली... हांवें हात दाखोवन गाडी थारायली. वचचें काय ना म्हणपाचें परत येवजूंक लागलों. इतले म्हणसर 'चड बेगीन' हीं कंडक्टराचीं उतरां आयकून मोटारींत वचून बसप म्हाका भाग पडलें. एका जनेला म्हऱ्यांतल्या सिटार वचून बसलों. मोटार थांब थांब थांबताली. हळू आनी थांबून वता ते मोटारींत हांव केन्नाच बसना, ते मोटारीविशीं आनी चलोवप्याविशीं म्हजें मत बरें केन्नाच नासता. पूण आज हे गाडयेंत हांव बशिल्लों. गाडी थांबताली ताचेर म्हजें लक्ष नाशिल्लें, मोटारींतल्या देंवपी-चडपी लोकांचेर म्हजी नदर नाशिल्ली. आनी इतलेंय आसून मोटार खुबूच फास्ट वता अशें म्हाका दिसतालें. आनी ताचे बरोबरूच म्हज्या खवदळपी विचारांकूय गती लागिल्ली. गाडी लागीं लागीं पावत आयली तशे म्हजे विचार मिनटां-मिनटांक बदलूंक लागले. मन एकेवटेन म्हाका सांगतालें, 'नाका तूं वचूंक. ताणें तुकां कितेंय म्हळ्यार तुज्या तें मनाक लागतलें. तुका तुगेलें सगलें जिवीत बरे भाशेन फुलोवंक जाय. तुजो अपमान जायत जाल्यार तुजें मन कित्याचेरूच लागचेंना. तूं पिसो जातलो. तुगेलें जिणें व्यर्थ वतलें.'

कादंबरींतल्यो घडणुको हांवें वाचिल्ल्यो, ताचे परिणाम बरे वायट जाल्लेय हांवें वाचल्यात. खरी वस्तुस्थीतीय हांवें पळेल्या. पिशे जाल्ल्या लोकांचीं उदाहरणां म्हजेकडेन आसात. म्हाका हें खरें दिसता- ना, हांव वचना. पूण मन म्हाका दुसरे वटेन ओडून व्हरतालें- पिशा, तूं वच. ताका मेळ- वळख तुजी ताका दी- ताची वळख करून घे- एक वर्स जालें आजमेरेन तुवें तुगेलो उमाळो चेंपून दवरला. चल, हुस्को मेकळो जातलो.' हे विचार मनांत येनाफुडें धडधडटें काळीज थांबपाची दिशा दाखयतालें. पूण त्या उपरांत वचनशें दिसनाशिल्लें. तरेक तरांच्या विचारांनी मन खुबळटालें. दोनूय बाजू खऱ्यो दिसताल्यो. मोटारींतल्या जनेलांतल्यान झणझणींत वारें येवन पोले म्हगेले थंड जाल्ले. उलोवपाची तांक नाशिल्ले भशेन, कळीमरीत जाल्लेवरी जीव थरथरले भाशेन दिसतालो. कंडक्टराकडेन मोटारीचे पयशे दिवन ताचेकडल्यान उरिल्ली मोड घेवपाची म्हजी याद विचारां भितर विरिल्ली.

मोटार पावली. हांव देंवलों. वरां सांजवेळचीं पांच जाल्लीं. तें जनेलाचेर बशिल्लें एक पुस्तक वाचीत. हांव रस्त्यारच उबो रावलों. दुसऱ्या एका घराच्या आड. हांव रस्त्यारच उबो रावलां तें ताणें पळेल्लें. ताचेसरीं वचपाक हांव आयलां, तरी पूण वचचें काय ना हो प्रस्न परत पडलो. आमची नदर एकमेकांचेर पडिल्ली. पूण इतल्यान म्हजी तान भागूंक नाशिल्ली. तिळसांजचीं सात जायत आयिल्लीं. पूण पांय म्हजो फुडें धुकलच नाशिल्लो. परत परत उचकून येवपी विचारांचो अंत करपाक एकूच उपाय आशिल्लो. आनी तो म्हळ्यार, कित्याचीच पर्वा करिनासतना ताचे सरी वचपाचो.

रस्त्याचेर कोण एक जितो जीव नाशिल्लो. धिटायेन ताचेसरी वचपाक हांवें पांय मुखार काडलो. भोंवतणी खंयच नदर मारिनासतना सरळ वचपाक भायर सरिल्लों, तोच उजवे कडल्यान येवपी एके धाकटे मोटारीक लागून मात्सो पडलों. पयलींच कळीमरीत जाल्ल्या जिवाक मोटारीन चड त्रासांत उडयल्लो. शुद्ध गेल्ल्यान फुडें कितें घडलें तें म्हाका कळ्ळें ना.

पूण शुद्ध आयली अशें जेन्ना म्हाका दिसलें तेन्ना दोळे उगडून पळेत जाल्यार हांव हॉस्पिटलांत एके खाटीर न्हिदिल्लों आनी-तें-म्हज्या दोळ्यां मुखार बशिल्लें-म्हाका जाल्ले दुखापतींचेर वखद चोळपाक.

गणेश

कांय वर्सां फाटली गजाल. ओतुब्रांतली सुटी मजेंत घालोवपा खातीर हांव म्हजे मावशेभयणीगेर रेयझ-मागुश गेल्लों. सुटी म्हणटांच सप्तकांतले सातूय दीस सारखेच. दीसभर खेळप-नाचप, फिरप आनी जेवन-खावन-न्हिदप होच आमचो नेम आशिल्लो. सकाळची जाग जरी बेगीन आयली जायत, तरी हांथुणाचेरूच लोळून धा वरां मेरेन एकमेकांचीं फकाणां करप आनी एकदां जसो भितल्ल्यान 'उठात मरे!' असो धेंगसो पडलो तेन्नाच आमी फुडले विधीक लागताले.

एक दीस अशेच आमी खबऱ्या-मस्कऱ्यांनी सकाळ उजवाडायताले. पूण ते दीस सदांचेभशेन धेंगसो आयलोना. हांव उठलों आनी तोंड धुवपाक मोरयेसरीं गेलों. थंय तातू आनी विमलाबाय चिंतेस्त नदरेन विचार करीत एकमेकांक पळेतालीं.

तातू सरकारी दोतोर जाल्ल्यान ताची बदली दामांव जाल्ली. येदो व्हडलो संवसार आतां इतले पयस व्हरप कसो? तेभायर भुरग्यांचें शिकप; अशे तरेतरेचे विचार विमलाबायचे तकलेंत घोळटाले पूण येदे मायेन आनी अपुर्बायेन धा वर्सां मेरेन वाडयल्ल्या गणेशाक (तांगेर पोशिल्लो कुत्रो) कसो व्हरचो वा ताका एकटो सोडून आमी कशीं वचप ह्या एकाच विचारांत पडिल्लो तातू एक सारको घुस्मट्टालो आनी अस्वस्थ जाल्लो.

तातू दामांव वचपाक गेल्लो. बिराड मात मायाच्या म्हयन्यांत व्हरपाचें ताणें थारायल्लें. त्या दिसांनी मुंबय वचणारी बोट सांजेवेळच्या पांचांक पणजेच्या धक्यारसून सुट्टाली.

म्हाकांय ते दिसांनी सुटी आशिल्ल्यान हांवेंय दामांव वचून येवपाचें थारायल्लें. जालें. दामांव वचपाचो दीस उजवाडलो. सगळीं जाणां भायर सरलीं.

विमलाबाय, तिगेल्यो चलयो, लता आनी शैला, वांगडा चेडूं मंगल, ताचे स्वाधीन केल्लो चार साकांनीं भरगच्च बांदिल्लो उबो संवसार, हांव आनी तातूलो जीव, गणेश कसलेच त्रास नासतना बोटीच्या धक्यार येवन पावलीं. कुत्र्याक आनी तिकीट लागता म्हणपाचें आमकां खबर नाशिल्लें. आमी सरळ भितर सरलीं आनी बोट सुटचे वेळार एका कॅप्टनान येवन आमकां ही तिकीटाची खबर गमयली. धांव-धांवत वचून हांवें तिकीट हाडली, बोट सुटपाक पयलींच उशीर जाल्लो आनी तातूंत आनी हांवें भितर सरपाक पांच मिनटां चड लायल्या बदला थंय हाजीर आशिल्ल्या लोकांकडसून चार गाळी घेतल्याशिवाय हांव कसो सुटन! गणेशा खातीर उद्भवलेलो हो पयलो प्रसंग.

बोट सुटली. पांच मिनटांच जावंक, एक धवो फार्दाद फितांवालो आयलो आनी म्हणूंक लागलो, 'ह्या कुत्र्याक डॉग-बॉक्सांत घालात' डॉग-बॉक्स म्हळ्यार कसो आसता, खंय आसता हाची आमकां कांय खबर नाशिल्ल्यान थंय आशिल्ले साक व्हरून गणेशाचेर घाले आनी ताची जर अवस्था कितेंय बरी वायट जायत जाल्यार, गणेशापरस तातूच्याच जिवाचो म्हाका चड हुस्को जालो. आमचेकडें साकांनी भरिल्लें सामानूच खूब आशिल्लें. तातूंत आनी रात जायत आयिल्ली. दोन साक कडांनी पसरायले. तातूंत ताका बसयलो आनी आमी त्या कडांनी बसलीं. न्हीद तरी कोणाक पडटा? तो भायर सरून तांकां दिसत आनी ताणीं व्हरून ताका 'डॉग बॉक्सांत' घालचो न्हय ह्याच हुसक्यान आमीं रात जागयतालीं. कोणूय ऑफिसर जसो म्हऱ्यांतल्यान पासार जालो तशीं आमी कडकडीत जागीं रावन तो खंय पळेता हाचेरूच आमची नदर फांकारताली. आनी जसो एकदां तो म्हऱ्यांतल्यान गेलो तशीं गात्रां पडिल्लेवरी जावन, आळस दिवन परतीं आमीं खबऱ्यांक आनी मस्कऱ्यांक लागतालीं. रात कशेभशेन सोंपली. दीस उजवाडलेलो. सकाळच्या मंद झोतीचेर सगळ्यांक लकणी येवंक लागिल्ली. हांवें म्हजी नदर गणेशाचेर घाली. तो सुस्त न्हिदिल्लो. हांवूय न्हिदपाच्या ल्हारार आशिल्लों. दोळे धांपतां न धांपतां, इतल्यान शैलान म्हाका बेगीन बेगीन खडखडावन जागो केलो. आमच्या मुखार तो कालचो ऑफिसर दोळे वटारून उबो राविल्लो.

'तुमी तुमगेल्या सुण्याक डॉग बॉक्सांत घालो?'

ताणें आमकां प्रस्न केलो.

दोन साकांमदीं गच्च कुरमुटी करून बशिल्लो गणेश हाका दिसप कशेंच शक्य ना अशें समजून शैलान नेटार जाप दिली- 'हय घालो.'

'आनी हें कितें?' आपल्या रोताच्या तोंकान तो आमकां कितें दाखयतालो.

धडधडीत फटी मारिल्ल्या शैलाच्या तोंडार काळी किट्ट साय फाफुडली. दोन साकां मदल्या उरिल्ल्या बुराकांतल्यान गणेशाची तांबडीगुंज शेंपडी येंवाळें कशी पातळेल्ली. गणेशान आमच्या बोडार हाडिल्लो हो दुसरो प्रसंग.

तो आपली ऑर्द फर्मावन गेलोच. रात कशेय परिस्थितींत काडली. दिसाचे मात हे भोग करूंक मेळचे नांत म्हुण ताका आमी 'डॉग-बॉक्सांत' घालपाचो ठरयलो. निमाणें व्हरून घालो आनी आमी येवन आमच्या जाग्यार बसलीं. पोटचो पूत जाल्लेवरी आमी ताका परतीं परतीं पळोवन येतालीं. चारूय पांय फांकारून तो सुस्त न्हिदो काडटालो. आमी मात आमचो जीव वयर-सकयल हाडटालीं.

निमाणें आमी मुंबय पावलीं. बोट धक्याक लागली. लोक भायर सरूंक लागले. गणेशाक लताचे स्वाधीन केलो. आमीय आमचीं पावलां उखलूंक लागलीं. बोटीचे शिडयेवेल्यान देंवतना, गणेश लताक कसोच आयकना जालो आनी निमाणें सरपळी तोडून तो थंयचे गर्देंत नाच जालो. गणेश म्हणून सोदूंक वचत जाल्यार हेवटेन सामान घेतिल्लो कुलीय बी गर्देंत दिसच ना जालो. सगळ्यांचेर आकांत. कुलीक पयलीं सोदप काय गणेशाक? देवान पूण आमकां रोखडोच आदार दिलो. गणेश एका लागच्याच झाडा पोंदा वचून मुततालो. सगळो वेळ बोटींत बसून पोट फुगार जाल्ल्यान निमाणें नजो जावन ताणें सरपळी तोडिल्ली आनी जिवाक सुसेग घेवपा खातीर तो त्याच कामाक लागून धांवत गेल्लो. (हो आमी केल्लो तर्क.)

दामांवचे भोंवडेर गणेशान हाडिल्लो हो तिसरो प्रसंग. बोटीच्या धक्यारसून आमी 'बॉम्बे सेंट्रल' गेलीं. दामांव वचपाक गाडी सांजवेळच्या साडे-सातांक सुटपाची आशिल्ली. आमी थंय पाचांक पाविल्लीं. रेल्वे स्टेशनाचेर आमच्या

सामानां वांगडा आमकां गणेशाचेंय बी वजन काडचें पडिल्लें. गर्दी आशिल्ल्यान आमी 'सेकंड क्लासां'त वचून बसलीं. गाडयेचो टी.सी. आयलो (गाडी सुटचे पयलीं) आनी ताणें आमकां कुत्र्याक 'डॉग बॉक्सांत' घालूंक जाय म्हणपाची ताकीद दिली. गाडयेच्या एका तोंकावेल्या डब्यांत आमी बशिल्लीं आनी डॉग बॉक्स आशिल्लो दुसऱ्या तोंकार. गाडी दामांव फक्त तीन मिनटां थांबता म्हणपाची आमकां खबर आशिल्ली आनी अशे परिस्थितींत रातच्या दोन वरां राती गाडी जे वेळार थंय पावता त्या वेळार देंवून डॉग बॉक्साकडेन वचपाकूच तीन मिनटां जाय आशिल्लीं. आतां जातलें कशें ह्या विचारानूच सगळीं अर्दीं जालीं. टी. सी. सामको सुटकेशी फाटल्यान लागलो. हांवेंय नेट दाखयलो. ताका वस्तुस्थिती समजावन दिली. तरीपूण तो आयकना जालो. आमी कशींच सकयल देंवना जालीं आनी गणेशाकूय डॉग बॉक्सांत घालपाक आमी नकार दिलो. इतल्यान गार्ड आयलो. तो समजुपी गृहस्थ आशिल्लो. ताणें आमची व्यथा समजून घेतली. कुत्र्याक डॉग बॉक्सांत घालूंक जाय म्हणपाचो ताणें कायदो सांगलो. गार्डाचो डबो त्या 'डॉग बॉक्सा' म्हऱ्यांतूच आसा म्हणपाचें ताणें सांगलें आनी कुत्र्याक काडल्या बगर आपूण गाडी सोडिनां म्हणपाचें ताणें आमकां वचन दिलें. ताच्या उतरांचेर आमी स्वस्थ बसलीं. पूण कोणाक सूख लागता? दामांव पावत आयिल्लीं. मंगल चेडवाक हांवें गाडी थांबनाफुडें धांवत वचून गणेशाक हाड म्हणपाचें सांगिल्लें. आनी ते प्रमाणे तें गेल्लें. हांवूय बी ताचे फाटोफाट गेल्लों थेट गार्डाच्या सरीं. गणेशाक भायर काडचे पयलीं जर एकाद्री गाडी सुटली जायत जाल्यार चेन ओडपाचीय हांवें तयारी केल्ली. गार्डाचे सरी वचत जाल्यार तो पयलींचो नाशिल्लो. ताची 'अंधेरी' बदली जाल्ल्याचें म्हाका ताणें सांगलें. एकदम हांव काचाबूल जालों. पूण रोखडेंच म्हजे नदरेक गणेश आनी मंगल प्लॅटफॉर्मार दिश्टी पडलीं. गाडी सुटली. सगळीं एकठांय जालीं. मंगल मात रडत बशिल्लें. गणेशाक काडूंक वेतना ताचो खंय हात कोणें एका मनशान घट्ट धरलो आनी ते दुखीन तोच हात तें आपल्या कपलार घेवन रडटालें. गणेश मात शेपटी हालोवन ताका समजायतालो.

गणेशा खातीर उप्रासलेलो हो चवथो प्रसंग. कशेभशेन दामांव पावलीं. याद काडून काडून हांसो येतालो. हांव थंय मागीर एक म्हयनो रावन परतो गोंयांत

आयलों.

आज हे गजालीक बरोबर साडेचार वर्सां जालीं, तातू दामांव एक वर्स रावन परतो रेयझ-मागूश आयलो आनी आठ दिसां पयलीं गणेश पेङ्ड्यार जालो म्हणपाची गजाल कळीत करून शैलाचें म्हाका पत्र आयलें. हांव रोखडोंच गेलों. तातूची नदर चिंतेस्त आशिल्ली. सगळ्यांच्या तोंडार दुख्खाची सया पसरलेली.

'दामांव, बोट, कुली, बॉम्बे सेंट्रल, गार्ड, तो कंडक्टर आनी मंगल' हे शब्द कोणेंय लेगीत उच्चारल्यार म्हजे मुखार आज येता तो फक्त 'गणेश.'

सपन

दिलीप आनी शैला आज मेकळेपणान एकमेकांकडेन उलयल्लीं. दिलीपालो मोग शैलाचेर आसा म्हणपाचें सगळ्यांक खबर आशिल्लें. शैलाचें मन मात वळखूंक येना आशिल्लें देखून दिलीपान आज शैलाकडेन प्रश्न काडिल्लो. उजळ्ळेल्लो फोड केन्नाय तरी फोडूंक जायच हे नदरेन हुस्क्या मेकळो जावपा खातीर आज ताणें शैलाक गांठिल्लें दर्याचे देगेर. आज ताणें ताका विचारिल्ल्या प्रश्नाक शैलाकडसून जाप मेळिल्ली. सांजेवेळचीं स वरां जावन लेगीत अस्तंमपी सुर्याकडसून येवपी वारें ताका हून लागतालें. धवी फुल्ल रेंव हुनहुनीत आंग कापून गेल्ल्यावरी ताका दिसतालें. काळीज धडधडटालें आनी आंगांतल्यान घाम व्हांवतालो. तांबडोगूंज सुर्य उदकांत वचपाचे तयारेन आशिल्लो. रसरशीत ल्हारां वांगडा भुरगीं आपलो जीव खेळयतालीं. आनंदाचे भुंयेर आयज एका ल्हानशा दुख्खान भाग घेतिल्लो. दिलीपाक आज शैला कडसून नकार मेळिल्लो. दिलीपाविशीं निर्माण जाल्ली कीव आज शैलान धडधडीत परगटायल्ली. मोनो जाल्लो दिलीप पुतळ्यावरी दिसतालो. ताच्या मनांत शैलाचीं उतरां घुंवतालीं. तागेली चिंतेस्त नदर आतां घरची वाट सोदीत वताली.

तो घरा येवन आज बेगीनूच न्हिदिल्लो. दुखेस्त मन भायल्यान दाखोवपाचें जाता तितलें तो चुकोवंक सोदतालो. घरच्या लोकांकडेन उलयताना-वावरताना ताच्या तोंडार दिशिल्लो बदल लिपोवपाचो तो जाता तितलो यत्न करतालो. पूण अडेक हाडिल्लें स्वरूप घरच्यांक वेगळेंच दिसतालें. सदांभशेन तो न्हिदिल्लो. आज ताचें मन रिकामें जाल्लें. चिंता नाशिल्ली. गजाल घडपाची ती घडिल्ली आनी ताका सुस्त न्हीद पडिल्ली.

ताच्या सपनांत शैला ताका मेळपाक आयिल्लें. बऱ्याऽ तीन म्हयन्यांनी दिलीपाकडेन तें बरे भशेन उलयतालें. दिलीपाक एकेवटेन अजाप जाल्लें. पूण

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY विश्व कोंकणी पुस्तकालय

दुसरेवटेन दीसऽ कीं, मेळपाक आयलां म्हुण! फाटल्या गजालींचेर बरोच आढावो घेत जाल्यार आज दिलीपान ताका जाप दिवप न्हय आशिल्लें. पूण तें तागेर आयिल्लें, सोयरें ह्या नात्यान. ताणें ताका येवकार दिलो. शैलाचें उलोवप आयकून दिलीपाक अजाप जातालें. ज्या मनशान तोंड सोडून ताका तरेतरेचीं विशेशणां लायिल्लीं त्याच मनशाच्या तोंडातसून आज तोखणायेचीं उतरां भायर सरतालीं. घडिल्ले गजालीचेर विचार न करपाचो शैला ताका सल्लो दितालें आनी चुकून उतरां ताच्या तोंडांतसून आयिल्ल्याबद्दल तें ताची माफी मागतालें. हाचे फुडें अशें घडचेंना म्हणपाचें तें ताका आश्वासन दितालें. दिलीप थंडसाणेन तागेलीं उतरां आयकतालो. ताका शैला बद्दल मात सुद्धां घृणा निर्माण जावंक नाशिल्ली. म्हणिल्ल्या उतरांचो राग ताका नाशिल्लो. आपल्या कर्तुबांचें फळ ताका मेळ्ळां अशें दीसऽ आनी आपल्याच नशिबाक तो रडटालो. दोन म्हयन्यां उपरांत शैलाक ताची याद जाल्ली जावंये! ताणें म्हणिल्ल्या उतरांचो ताका पच्छाताप जाल्लो जावंये! आनी आपलेविशीं एक भावना निर्माण जाल्ल्यान आज तें आपलेसरी आयलां अशें ताका दिसतालें. तें उलयता ताचे वेल्यान तागेलो तर्क ताचे ताकाच खरो दिसतालो. तो कांय एक शब्द उलयनासो पळोवन शैलाच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतालीं. दिलीप एक सारको तागेल्या तोंडाकडेन पळेत राविल्लो. दिलीपाक ताचो एकेवटेन राग आयिल्लो. पूण तेचभशेन ताची ताका काकुळट दिसताली. चारूय दोळे स्तब्ध आशिल्ले. दिलीपाल्या तोंडांतसून उतरां फुटिल्लीं– 'शैला–' जनेलांतल्यान आयिल्ल्या सुर्याचीं किरणां दिलीपाचेर पडिल्लीं. दीस जाल्ल्याची ताका जाणविकाय जाल्ली आनी घडिल्लें नाटक सत्य नासून सपन म्हणपाचें ताका कळून आयिल्लें. तागेले दोळे ओले जाल्ले. घडिल्ल्या सपनाची कथा ताच्या दोळ्यां मुखावेल्यान आनीक एकदां गेली. उठून तो आपल्या सदांच्या वावराक लागलो.

दिलीपाली परिक्षा जावन आज म्हयनो जाल्लो. शैलाविशीं तागेलें मन अजून आशिल्लें. पूण शैला दिसना फुडें तो ताका पळोवंक लेगीत तयार नाशिल्लो. उलोवपाक तर धीर जायच नाशिल्लो. पूण उलोवपाची इत्सा मात जाताली ताचेकडेन जाल्ले भेटीची याद काडना फुडें ताका कच्च जातालें. जाल्लें गेल्लें विसरून वचपाचें ताणें थारायल्लें.

आज तागेलो रिझल्ट जाल्लो. फर्स्ट क्लासांत तो पास जाल्लो आनी ते

भायर विद्यापिठाचीं दोन आनी कॉलेजचीं तीन बक्षिसां मेळयल्लीं. सकाळ सावन आज दिलीपाक लोक परबीं दिवंक येताले. आमीग लोक तर दिलीपा भोंवतणीं जमिल्ले. दनपार जावन सांजवेळ जाल्ली. दिलीप पासयेक गेल्लो. थंय ताका अकस्मात एके चलयेन उलो केलो. फाटल्यान पळयत जाल्यार ताका अजाप जालें, शैला ताका उलो करतालें.

दोन म्हयन्यां पयलीं जें शैला ताका मेळिल्लें, तें ताका आज पयलेच खेप मेळटालें, तोच वेळ-तोच जागो- तेंच शैला. दिलीपान ताच्या उल्याक नम्रतायेन येवकार दिलो. Congratulations म्हणून ताणें दिलीपाक तोखणायलो आनी I am sorry म्हुण ताचेकडेन माफी मागपाक लागलें.

दिलीपाक आज दोनूय वाटांनी यश आयिल्लें.

तागेलें सपन खरें जायत वतालें.

योगायोग

मुंबय शिकूंक आसतनां कांय गोंयकार आमिगां वांगडा हांव ग्रँटरोडार एका रूमांत रावतालों. एका आयतारा म्हजे आतेभयणीगेर हांव सांताक्रुझ गेल्लों. म्हाका रोकडेंच परतुपाचें आशिल्लें. जेवण बी जातकीर दनपारच्या कडार एका बस–स्टॉपाचेर येवन हांव राविल्लों. आयतार आनी तातूंत आनी दनपार जाल्ल्यान म्हजे शिवाय थंय कोण एक नाशिल्लो. ॲरनेस्ट हेमिंग्वे ह्या नोबेल बक्षीस मेळोवपी साहित्यीकाचें 'मॅन विदाऊट वुमन' हें पुस्तक वाचीत हांव बसीची वाट पळेत राविल्लों. इतल्यान थंय एक चली आयलें. थेट हांव उबो राविल्लों ताच्या दोन तीन फूट लागसार. अर्थात तें म्हजे खातीर येवंक नाशिल्लें. दनपारचें कडक वत सोसूंक नज जावन हांव ज्या झाडाचे सावळेक राविल्लों तेच सावळेचो ताणेंय बी लाव घेतिल्लो.

तें चली रसरशीत. आंगाक हातकापो फिट्ट व्हिस्तीद, धोपरांकडल्यान वेंतभर वयर. गळो उक्तो. केंसांक मर्दीच भांग आनी गच्च भरिल्ल्यो केंसांच्यो चुडयो दोनूय कानावयल्यान व्हरून फाटल्यान पोनीटेल कश्यो बांदिल्ल्यो. हेवटेन तेवटेन पळेताना गोरेच मानेर पडिल्ले ताचे काळे कीट्ट मुदयाळे केंस झालर कशे नाचताले. कपलाक कुकूम नाशिल्लो आनी दाव्या हातांतली काळी पर्स झेल–झेल झेलताली. तें कोण? पंजाबी.... सिंधी , महाराष्ट्रीयन काय गुजराती? कोणूय जावं! ताचो भेस म्हाका मात लेगीत आवडलो ना, पूण तें शिरवंत आनी नाजूक आशिल्लें हातूंत मात लेगीत दुबाव नाशिल्लो.

ताका पळेना फुडें हांवें म्हजें वाचप बंद केलें आनी पुस्तक धांपलें. पुस्तक धांपिल्ल्याचो आवाज ताणें आयकलो आनी आपली नदर म्हजेवटेन फिरयली. पयलीं पुस्तकाचेर आनी मागीर म्हज्या तोंडाचेर. फिरयल्ली मान परती फुडो करतना ताणें आपलें नाक वांकडें केल्लें. पुस्तकाचें नांव ताका आवडलें ना

जांवये आनी देखून असलीं पुस्तकां वाचतल्याविशीं ताच्या मनांत घृणा निर्माण जाता म्हणपाचें ताका दाखोवन दिवपाक जाय आशिल्लें जांवये!

दोळ्यां मुखावेलो हो देखाव पळेतां पळेतां केन्ना बस येवन म्हऱ्यांत तेंकली हें लेगीत कळ्ळें ना. बस गच्च भरिल्ली. 'खाली एक' अशें जेन्ना कंडक्टरान सांगलें तेन्ना हांव मुखार सरलों आनी बसींत चडूंक वतना म्हजो कोपर तागेल्या उगड्या भुजाक लागलो आनी तें खुबळ्ळें. तरेतरेच्या अपमानास्पद उतरांनी ताणें म्हजी लज काडपाक सुरवात केल्ली पळोवन म्हाका वायट दिसलें. बसींत दवरलेलें पावल हांवें परतें घेतलें आनी ताका वचपाक वाट मोकळी केली. तेंवूय हट्टी. खुटो कशें रावलें. म्हजे हे उपकार ताका नाका आशिल्ले जांवये. तात्पर्य बस आमकां दोगांकूय थंयच उडोवन गेल्ली. दुसरी बस येता म्हणसर हांव ताचे हावभाव पळेतालों.

मेळटा ती संद घेवन वयार आयिल्ल्या चलयांक धक्के दिवपी भुरगे मुंबय खूब आसात. असल्या ह्या गोश्टींचे ताका हाचे पयलीं अणभव बी आयल्ले जातले देखून आज ताच्या भुजांक जाल्ली दूख ही केवळ म्हजे चुकेक लागून आशिल्ली तरी ताका एक निमित्त मेळिल्लें. हरशीं तोंडाचो दिवो तागेलो खरेलोच तोखेवपा सारको आशिल्लो. पूण फक्त पंदरा मिनटां पयलीं घडिल्ली ती गजाल आनी म्हाका उद्देशून म्हणिल्लीं तीं ताचीं उतरां ताच्या तोंडार उदेल्लीं म्हाका स्पश्ट दिसतालीं. उप्रांत एकदीस तेंच चली म्हाका लोकलींत दिसलें. चुकीन बुडबुडलेलें म्हजें मन ताचेकडें पळोवपाक म्हज्या दोळ्यांक आडायतालें. दुसरें स्टेशन येतकच डबो बदलुपाचें हांवें थारायलें. पूण हे करणेन एके चलयेक भियेल्लेवरी जायना मू? 'तुजी चूक ना जाल्यार तूं कित्याक भिता? थंड बस.' मनाचो एक कोनसो म्हाका धीर दितालो. खार स्टेशन आयलें. जनेलाकडलो एकटो मनीस देंवलो, आनी त्या जाग्यार वचून हांवें म्हजी बसकण मारली. मुंबयचे लोकल गाडयेंत दादल्यांक तशेंच बायलांक फर्स्ट क्लास आनी थर्ड क्लास डबे आसतात. अशें आसतना हें आमच्या डब्यांत कित्याक? एक उत्सुकता म्हुण जेन्ना बांद्रा पावतकीर हांव देवन बायलांच्या डब्यांत व्हिस्त मारून आयलों तेन्नाच म्हाका ताचो हेतू कळिल्लो. दनपार जाल्ल्यान तांचे डबे रिकामे आसतात. आनी तेच खातीर ताका थंय एकटें बसपाक भंय दिसतालो जांवये! माहिम पावतकीर आमचो डबो सामको रिकामो जालो. फक्त आमी दोगजाणां थंय

आशिल्लीं. म्हाका दिसलें, आतां हें वतलें. पूण गेलें ना. ज्या मनशान तुका धक्को दिल्लो, त्या मनशाचो तुका आतां धीर कसलो? हो विचार ताच्या मनांत आयलोना काय? कितेंय जावं. तें थंय थंड बशिल्लें. अर्धकुटें वाचिल्लें पुस्तक हांव परतो वाचूंक बसलों. म्हजे दोळे पुस्तकाचेर केंद्रीत आशिल्ले खरे, पूण तकलेंत मात वादळ घुंवतालें. कांय वेळान ताचेवटेन हांवें म्हजी नदर फिरयली. ताणें गॉगल लायिल्लें. खंय पळेता म्हणपाचो मात लेगीत अदमास लागनाशिल्लो. पूण एक मात खरें, जेन्ना हांवें म्हजी नदर ताचेवटेन फिरयली तेन्ना ताणें आपलें नाक मुड्डिलें. तोच मोदेल, तीच तरा, नाक मुड्डीतकीर तें सुंदर दिसता म्हणपाचें ताका कोणें सांगलां बी काय कितें?

पूण हे वेळार मात ताच्या तोंडार हांसो आशिल्लो. धक्को मारिल्ल्या मनशाक हें येदें व्हडलें स्मीत कित्याक काय? एक मात जायत. फाटलीं वीस मिनटां पुस्तकांत तकली घालून हांव बशिल्ल्याक एक पान लेगीत परतूंक नाशिल्लें. हांसो हेच खातीर फुटिल्लो जांवये! ताच्या त्या हाव-भावांचेर नाका जाल्ले तर्क म्हज्या मनांत येताले.

हेच मनस्थितींत गाडी ग्रँटरोडार पावली आनी हांव देंवलों. फाटोफाट तेंवूय देंवलें आनी ताणें आपली वाट धरली. फाटल्यान बी पळेतालें काय? कळपाक मार्ग नाशिल्लो.

जानेराच्या सुमाराक ही गजाल घडली. ताच्या उपरांत आमची परिक्षा जाली आनी हांव गोंयांत येवपाचे तयारेंत आशिल्लों. एप्रिलाचो म्हयनो तो सामको गजबजीचो. गोंयां वचपाक लोकांची खूब गर्दी आशिल्ली. पुण्यांतसून-वास्को वता ती जनता एक्स्प्रेस सदांच भरून वताली. देखून हांवें तिचेर न वचपाचें थारायल्लें. मुंबय व्ही.टी. सून सकाळच्या सातांक सुट्टा त्या सिकंदराबाद एक्स्प्रेसचेर पुण्यांत येवप, दनपारच्या बारांक पुण्याकसून सुट्टा ते बेंगलूर एक्स्प्रेसचेर बसून लोंड्यार देंवप आनी थंय गोवा लोकल पकडप असो हांवें विचार केलो. म्हजेकडें सामानूय चडशें कांयच नाशिल्लें.

व्ही.टी.सून गाडी सुटली. जनेलांतल्या एका सीटाचेर पेपर चाळीत हांव बशिल्लों. दादर गाडी थांबपाक गर्दीचो चोंबोच डब्यांत घुसलो आनी गाडी सुरू जाली. कोणूय वळखीचो दिसता काय ना हे उत्सुकतेन हांव डब्यांत येवपी लोकांकडें लक्ष दीत आशिल्लों. एक चलीय बी त्या चोंब्यांतल्यान भितर सरलें.

बसपाक जागो नाशिल्ल्यान तें उबेंच राविल्लें. फाटीचो बांधो सोबीत दिसतालो. पूण ताचेवेल्यान तागेल्या तोंडावेल्या चर्येची कल्पना कशी येत? आनी तें पळोवन घेवपाची उमेद म्हज्यांत उत्पन्न जावप हें तरणेपणांतल्या स्वभावाआड आसा अश्यांतले कांय न्हय.

गाडयेंत उबो राविल्ल्या मनशाक भायर पळेतकीर धांवपी जमीन दिसचे बदला आनी तरी कितें दिसतलें? पळोवन पळोवन बाबड्याक वाज आयिल्लो जातलो आनी देखून ताणें आपली नदर दुसरेवटेन फिरयली मात आमचे दोळे एकमेकांक आदळ्ळे. न्हीद जरी म्हाका तेवेळार येनाशिल्ली, तरी पूण भुकंप जावन जागील्लेवरी म्हाका दिसलें. खूब वेळ उबो रावतकीर देहाचो ताण एका पांयाचेर चड सोपोवन दुसऱ्या पांयांक मात्सो सुसेग दिवंचो पडटा. पूण ह्या वेळार ताणें दोनूय पांयांचो आदार घेतिल्लो. दोळे म्हजे वटेनूच दिशा दाखयताले. पापणी तरी हालताल्यो काय? बसस्टॉपावेली वळख ताका पटलेली म्हणपाचें स्पश्ट कळटालें. दादरसून सुटिल्ली गाडी कर्जत येवन केन्ना थांबली हें कळ्ळें लेगीत ना. खूबशे लोक देंवले आनी ताका बसपाक जागो मेळ्ळो. हाचेपयलींच हरशीं ताका बसपाक जागो करून दिवं येतलो. पूण चूड कशी पेटल्या हाची कल्पना नाशिल्ली आनी बशिल्ल्या जाग्यार म्हाका म्हारू हाडपाक कित्याक जाय आशिल्लो? फाटले गोश्टीचो पश्चाताप जावन तें म्हजेकडे पळेत रावलां काय? पळेनासतना 'हय' कशें दिसतालें. म्हजो भ्रम न्ही मूं हो? फक्त केवळ भास. पूण जे जे वेळार तें म्हाका पळेता अशें म्हाका दिसतालें तेन्ना हांव ताका हळूच पळेतालों आनी ते ते वेळार ताची नदर खरेलीच म्हज्याच तोंडार झळकताली.

गाडी बरोबर साडे अकरांक पुण्यांत पाविल्ली. सगळे ताकतिकेन आशिल्ले. बेंगलोर वचणारी गाडी दुसऱ्या प्लॅटफॉर्मार येवन राविल्ली. म्हजी सुटकेस घेवन हांवूय गेलों. एका डब्यांत वचून हांव बसलों. जनेलाकडल्या एका सीटाचेर कुलीन हाडून बॅग दवरलेलें. ताच्या शेजराक हांवें म्हजी सुटकेस दवरली आनी दनपारचें जेवण घेवपाक भायर आयलों. गाडी सुटपा वेळार भितर सरलों. सूटकेस दवरलेल्या जाग्यार गेलों पूण बसपाक म्हज्यांत धीर ना जालो. कुलीन हाडून दवरलेलें सामान ताचेंच आशिल्लें. तेच चलयेचें. तेंच चली. परतेंय ताचेंच दर्शन. जगदंबा कशी त्या जाग्यार स्थायिक जाल्लें पळोवन म्हाका कितें जावपाक फावो आशिल्लें? हांव कावरो बावरो जालों. मनांत परतेंय म्हळें- 'योगायोग'

एक चली. सुंदर देखणी चली म्हज्या म्हऱ्यांत बशिल्लें. कोणाकूय हरशीं खातखुतल्यो जावपाक फाव आशिल्ल्यो. पूण म्हाका तोंपताले ते खर कांटे. ताचेविशीं म्हज्या मनांत जाल्लो दुस्वास अजून करपूंक नाशिल्लो.

हांव थंड बसलों. तें उलयल्यार जाप दितलों असो हांवें निश्चय केल्लो. कांय वेळान गाडी सुटिल्ली, निसर्गाचें रूप पळोवपांत तें धुंद जाल्लें, आंगान कितें बारीक नाशिल्लें तें! तातूंत आनी गर्दी. बसली म्हण्टकीर एकेमेकांक तेंकले बगर कशें रावत? आंग जाता तितलें बारीक करून हांव बशिल्लों. म्हाका खाखुडिल्लेवरी जातालें. पूण कितें करतलों आशिल्लों? गाडयेन वेग घेतिल्लो. धक्के एकमेकांक बसताले पूण ह्या वेळार अर्थ तसो घेवपाक तें पिशें नाशिल्लें.

दनपारच्या तिनांक सुमार गाडी नीरा स्टेशनार पावली. एके बायलेकडल्यान ताणें रूपयांक वीस करून सिताफळां घेतलीं. हे वेळार तें हिंदींतल्यान उलयतालें. एके पिशवेंत ताणें तीं वेवस्थीत घालीं आनी ते बायलेच्या हातार धा रूपयांची नोट दवरली. गार्डान पिल्लूक मारिल्ली. नोट ताचे हातार दवरून तिका मोड हाडपाक लावप म्हळ्यार पिशेपणां आशिल्लीं. तातूंत आनी गाडी हालिल्ली. काचाबूल जावन ताणें म्हजेकडें उतर घालें.

"आपके पास छुट्टा है?"

म्हजेकडेनूय बी तितली मोड नाशिल्ली. बोल्सांत आशिल्लो रुपयो काडून ताका हांवें दिलो. ताणें 'थँक्यु' म्हणून म्हजे उपकार मानले. रातच्या आठांक सुमार आमी मिरज पावलीं. थंय ताणें मोड घेवन, घेतिल्लो रुपयो परतो म्हजे सुवादीन केलो. हांव ताका भयंकर उपेगी पडिल्लों हें ताच्या तोंडावेल्यान कळटालें. रात जाल्ली. सीटावयर एका रिकामो जाल्ल्या जाग्यार हांव वचून आड पडलों. गाडी लोंढा पावतकच बऱ्याच वेळान म्हाका जाग आयली. खडबडून उठलों आनी बेगबेगीन देंवलों. देंवचे वेळार तें बशिल्लें त्या जाग्यार म्हजी नदर गेली पूण तें थंय नाशिल्लें. बेळगांव बी देंवलां जातलें, असो हांवें तर्क केल्लो. जिळमिट्याक चार वरांचेर गोवा वचपी गाडी येवन स्टेशनाक लागली. लोक चड नाशिल्ले. हांव एका जाग्यार वचून बसलों. कांय वेळान म्हज्या मुखावेल्या एका सीटार तें येवन बसलें. रातच्या प्रवासांत केंस ताचे उबिल्ले. तोंडाची मुद्रा काकुटवाणी दिसताली. उजवो हात पोल्यार दवरून तें कितें तरी येवजूंक बशिल्लें. मदींच दोळे मोठ्ठे करतालें. भुवयो सामक्यो विस्कळिल्ल्यो. सकाळच्या मंद झोतार

रूप स्पश्ट दिसतालें. दुदसागरावेल्यान देंवन गाडी कुळ्यां येवन पाविल्ली.

बस स्टॉपाचेर तें मराठी उलयल्लें. सिताफळांकान्नीकडें ताणें हिंदींत उलवणें केल्लें. घेतिल्लो रुपयो परतो करतना इंग्लीश तापयलेली. गोंयचो निसर्ग ताका नवो नाशिल्लो. नवख्या मनशाभशेन तें अस्वस्थ नाशिल्लें. आतां म्हाका प्रस्न पडलो, हें गोंयकार बी न्ही मू? ताच्या तोंडांतली कोंकणी म्हाका आयकूंक मेळची हे आशेन ताच्या ओंठांकडें हांव पळेत रावल्लों. पूण कश्शेंऽऽऽ तोंडांतल्यान ताणें ब्र लेगीत काडलो ना.

सकाळच्या संक सुमार गाडी सावड्ड्याक पावली. त्या स्टेशनार उदकाचो नळ आनी 'च्या' चो स्टॉल एक लागसार आसा. हांवें थंय वचून तोंड धुलें आनी च्या घेवपाक त्या स्टॉलार गेलों. तेंवूय बी गाडयेंतल्यान देवून तोंड धुंवंक आयिल्लें. त्या स्टॉलाचेर उलयल्लीं म्हजीं कोंकणीं उतरां ताणें आयकलीं. तोंडावेलें उदक लेगीत पुसपाक तें विसरलें. म्हज्या फाटोफाट तें डब्यांत आयलें आनी ताणें म्हाका प्रस्न केलो. 'तुमी गोंयकार?'

'हय' म्हुण हांवें जाप दिली. गोंयकार म्हुण समजनाफुडें ताच्या मनांत उत्पन्न जाल्लो आनंद म्हाका स्पश्ट कळटालो. आपल्याकडल्यान जाल्ले करणेचो ताका पश्चाताप जालो जांवये! काळें पडिल्लें तोंड ताणें मागीर मडगांव पावसर मात लेगीत दाखयलें ना.

त्रिकोण

शितू ऑफिसांतल्यान आज सदांचेच भशेन आयिल्लें. ताच्या तोंडावेली चर्या धवी पडिल्ली. ताची आवय तर थार हांतुणार पडिल्ली. केन्ना कितें जायत हाचें सांगू नजो आशिल्लें. घरचें सगळें काम आनी त्या भायर ऑफिसांत वचप. सगळें करून करून ताचो जीव ताकाच नाका जाल्लो. आज आनी तातूंत एक गजाल घडिल्ली.

म्हादेवबाब हो एक मोठो मिनेर. ताच्यो स्वताच्यो दोन खणी आशिल्ल्यो. कितलेशेच ट्रक आसले. आनी उण्यांत उणें हजार-दोन हजार काम करपी लोकांक तो पोसतालो. आपल्या हक्काचो बंगलो, मोटार अश्यो सगळ्यो सुखसोयी ताचेकडेन आशिल्ल्यो. शांताबाय ही तागेली घरकान्न, अपुर्बायेची संवसारीक. पदरांत गुणेस्त आनी मायेस्त अशी सुंदर एकलीच धूव, शितू. म्हादेवबाबाल्या संवसाराक कांय एक उणें नाशिल्लें. शितू एस. एस. सी. जावन निकतेंच कॉलेजीची पायरी चडिल्लें. ग्रॅजुएट जातकीर ताका एका सुंदर चल्याकडेन लग्न करून दिवप आनी ताका घरजांवय करून ताच्याच हातांत सगळें दिवचें अशें ताणें थारायल्लें. सोळा वर्साच्या शितूक म्हादेवबाबान न्हवरो लेगीत सोदून दवरिल्लो. तो म्हळ्यार शितूलो आतेभाव अशोक. अशोकाचो लेगीत शितूचेर चड मोग आशिल्लो. अशोकाचे आवयक तर शितू सून म्हुण जाय आशिल्लीच. पूण शितूक अशोक मात लेगीत आवड नाशिल्लो. ज्या वर्सा शितू कॉलेजींत वचपाक लागलें त्याच वर्सा म्हादेवबाबाल्या सुखी संवसाराक कातर लागपाक लागली. तांगेलें हें सुखी जीवन देवाच्यान पळोवंक नजो जालें आनी तांचेर एक व्हड संकश्ट आयलें. म्हादेवबाबाक एक देमांद करचें पडलें. आनी तें देमांद चलोवपाक ताका रीण काडचें पडलें. निमाणे देमांद ताचे वटेन जालेंना आनी ताका आपले ट्रक, घर आनी सगळें सगळें

विकचें पडलें. श्रीमंत आनी सुखी म्हादेवबाब दुख्खाच्या समुद्रांत पेंवलो. पूण कांय दीस तडीक येवपाक ताच्यान नजो जालें. आठ दिसां भितरूच काळजाची पिडा उप्रासून तो भायर पडलो. शांताबायचेर खूब आकांत आयलो. तिका येवजूंक लागलें तें फक्त शितूच्या फुडाराचें. बावली कशी वाडयल्ल्या शितूक शिकप सोडून नोकरी करपाची पडिल्ली. शितूची धिटाय, कामाची चुणचुणकाय पळोवन थंयच काम करपी एक निर्व्यसनी भुरगो, सुभाष, ताच्या मोगान पडलो. शितूकय तो आवडलेलो. थोड्याच दिसांभितर दोगांय जाणांनी एकमेकांकडेन मन ओडून घेतिल्लें. आपली ही गजाल आवयच्या कानार घालपाचें ताणें येवजिल्लें. पूण आज गजाल लांब वताली. तांच्या वागण्याची ही तरा गांवभर फांकील्ली. सगळ्यांच्या घरादारानीं ही गजाल कळीत जाल्ली. पूण ही खबर मात लेगीत कळूंक नाशिल्ली ती फक्त एकटेकूच आनी ती म्हळ्यार ताची आवय.

आपलो जीव आसतनाच शितूच्या गळ्यांत माळ पडची अशें तिका दीसऽ. तिणें चार दीस पयलीं अशोकाक आपले सरीं यो म्हणपाचो रकाद धाडिल्लो. आज तो येवपाचो आशिल्लो. अशोकाक, शितूचो मोग सुभाषाचेर आसा हें खबर आशिल्लें. पूण ताणें म्हादेवबाबाक दिल्ल्या वचनाचें पालन करपाचें थारायल्लें. आपूण शितूक आवडना हेंवूय ताका पुरायेन खबर आशिल्लें. आनी तेच खातीर शितूची पसंती आसा काय ना हें समजून घेवपाचें ताणें थारायल्लें.

शांताबायन आज सकाळ फुडें शितूच्या कानार ही गजाल घाल्ली. कितें करचें ह्याच विचारांत तें मोनें कशें पडून राविल्लें. सुभाषाली गजाल आवयच्या कानार घाल्यार तिका वायट दिसतलें हाची ताका खात्री आशिल्ली. एकवटेन आवयचो तळमळतो जीव ताच्या दोळ्यांर येतालो. दुसरेवटेन अशोकालें निसुवार्थी मन ताका आंवळून घेतालें. आनी ह्या विचारां वांगडा सुभाषाक दिल्लें मन ताका तिसरेकडेन ओडून व्हरतालें. आवयचें उतर पाळचें हें ताका मनापासून दिसतालें. सुभाषाविशीं ताणें आवयक केन्नाच कळीत केलें ना हाचें ताका वायट दिसलें. आज तरी सांगतलें ह्या विचारांत तें आशिल्लें. पूण इतल्यान अशोक आयलो. शांताबाय हांतुणारूच आशिल्ली. तिणें दोगांकूय एकठांय आपोवन हाडलीं. अशोकान आपलो हयकार तिका सांगलो. पूण जेन्ना शितूक उतर भायर घालपाची संद आयली तेन्ना ताका 'ना' म्हणूं नजो जालें आनी

ताणेंय आपली पसंती दाखोवन दिली. शितूचो बरेतरेन सांबाळ करतलों हाचें वचन तिणें अशोकाकडल्यान घेतलें. तोंड गोड करपाक दोगांय जाणांच्या तोंडांत तिणें साकर उडयली. हात हातांत दिले आनी जिवनाचो होच एक निमाणो आनंद भोगून तिणें त्याच हातुणार आपलो प्राण सोडलो.

सुभाषाविशींचो मोग तें निमाणें मेरेन आवयक, सांगपाक धजलें ना. आज ताका आवयची इत्सा पूर्ण करूंक जाय आशिल्ली.

आवय आनी बापूय नाशिल्लें वीस वर्सांचें शितू अशोकाचें जाल्लें.

लग्न जावन आज स म्हयने जाल्ले. आवयची इत्सा पुर्ण करपा खातीर शितून अशोकाच्या गळ्यांत माळ घाल्ली. घोव ह्या नात्यान अशोक जरी सदांच ताका मेळटालो, तरी पूण मोगान उपाट भरिल्लें ताचें मन ताका सदांच सुभाषासरी व्हरतालें. अशोक हो आपलो फुडारी हें ताणें मानून घेवपाक जाय आशिल्लें. सुभाषाचेर गेल्लें मन हळुहळू काडपाचो विचार ताच्या मनांत घुसूंक जाय आशिल्लो. हे दिशेन वावुरचें म्हुण ताचे यत्न चलताले. ताणें सुभाषाक फटयल्लेबद्दल ताका मनापासून वायट दिसतालें. ताचेसरीं वचून ताका सगळी परिस्थिती सांगची अशेंय बी ताका दिसून येताले. लग्नापयलीं शितूलो मोग सुभाषाचेर आशिल्लो हें अशोकाकूच न्हय तर तागेल्या घरच्यांक सगळ्यांक खबर आशिल्लें. दिल्लें वचन मोडचें न्हय हाकाच धरून अशोक ताचेकडें लग्न जाल्लो. अशें सगल्यांक खबर आसतनां ताणें ताका वचून मेळप योग्य न्हय आशिल्लें. त्या भायर ताचेकडेन उलयतनां जर ताका कोणेंय पळयत तर लोक नाका जाल्ले दुबाव घेवन बसतले. ताचोय बी ताका भंय दिसतालो. उज्यांत तेल घालून लोकांक ओगीच उलोवंक वाव दिवपाची ताची इत्सा नाशिल्ली. पूण ताचे पांय सुभाषाक मेळ्ळ्याबगर ताका थारो दिना आशिल्ले.

आज स म्हयने जावन गेल्ले. पूण सुभाषाविशीं विचार ताच्या मनांत आयलोनां असो एकूय दीस उजवाडलो ना. खूब धिटायेन आनी मात्श्या भंयानूच तें सदांच घरांतल्यान भायर सरूंक लागलें. जेन्ना अशोक ऑफिसांत वतालो तेन्ना ताचो सुभाषाक मेळपाचो वेळ आशिल्लो. मात लेगीत पर्वा करिनासतनां तें जें वतालें तें घरांतल्या लोकांक पसंत नाशिल्लें. खंय वतालें तें मात कोणांक खबर नाशिल्लें.

शितू लग्न जालां ही वस्तुस्थिती सुभाषाक कळिल्ली आनी देखून तो ताचेकडेन एके भयणीच्या नात्यान वागतालो. शितू खंयचे नदरेन आपल्यासरीं

आतां येता हाची ताका खबर नाशिल्ली. शितूक तागेल्या उतरांची याद येताली. तो म्हण्टालो कि 'तूं जरी खंयूय गेलें, खंयूय आसलें आनी कोणागेरूय आसलें, तरी पूण मोग मात म्हगेलो सदांच तुजेरूच आनी तुजे सरीच उरतलो' ह्या उतरांची याद परत येतकूच तें ताका शिटकायतालें.

शितूचें वागणें-उलवणें अशोकाक सदांच खटकतालें. पूण ह्या दुबावाची सोडवणूक ताणें ताचेकडल्यान केन्नाच करून घेवंक नाशिल्ली. असलो दुबाव बादून घेवचो न्हय अशें ताचें ताकाच दिसतालें. आपूण कामार वतकच सदांच तें भायर सरता म्हणपाचें ताका घरच्यां कडल्यान कळीत जाल्लें. ताकाय तें आवड नाशिल्लें पूण तो ताका केन्नाच दुखोवंक तयार नाशिल्लो. शितू सकाळचें खंय आनी कित्या खातीर वता हाचो सोद करपा खातीर आज तो ऑफिसाक वचपाचे तयारींत भायर सरलो, पूण गेलोना. एका रस्त्याचे आडकुशीन रावन तो शितूची वाट पळेतालो. तें सदांभशेन भायर सरलें आनी आपले दिशेन वचपाक लागलें. बऱ्याच पावलांचें अंतर घेवन तोवूय ताचे फाटल्यान वचपाक लागलो. कांय वेळान तें एका घरांत भितर सरलें. तें घर कोणालें हें पळोवपाक तो उत्सुकतेन थंय गेलो. घराच्या दारार नांव पळेनाफुडें अशोकाक दुख्ख जालें. तें सुभाषाचें आशिल्लें. ताणें ती गजाल घरांत येवन कोणाक सांगली ना. आपल्या मनांतूच दवरली आनी थेट ऑफिसाक गेलो. ताचें लक्ष थंय लागना जालें.

शितूची इत्सा ताचेकडेन लग्न जावपाची नाशिल्ली. फक्त आवयच्या उतराक ताणें मान दिल्लो. आपूण जरी ताचो घोव आसलों तरी पूण सूख मात ताका सुभाषाकडेनच मेळटलें हाची ताका आतां जाणीव जाल्ली. शितूक सुखी दवरतलों हें वचन ताणें तागेले सोंपिल्ले आवयक मरचेवेळार दिल्लें. ताचे कडेन लग्न जातलों म्हणपाचें उतर ताणें म्हादेवबाबाक दिल्लें आनी तें ताणें पाळिल्लें. हें वचन ताका फुडेंय पाळचें आशिल्लें.

तेच राती अशोकान एक चीट बरोवन दवरली. आपल्याक जिवाचो कंटाळो आयला तेन्ना शितूक त्रास भोगचे न्हय आनी जिवीत ताचें सुखी घडचें हे दृष्टीन ताका सुभाषाकडेन लग्न करून दिवचें अशें ताणें तातूंत बरयिल्लें. तेच राती ताणें आपल्या घरांतले बांयत जीव दिल्लो.

एक वर्स फाटल्यान आवय बापूय नाशिल्लें शितू अशोकाच्या म्हऱ्यांत आशिल्लें आनी आज तोवूय ताका सोडून गेल्लो; ताचेच करणेक लागून.

***

दिसां फाटल्यान दीस वताले. अशोक सोडून गेल्यार कांय दीस गेले. एक दीस शितूक पोस्टांतल्यान एक पाकीट आयलें. ताणें तें फोडलें आनी वाचलें. वाचपाक ताच्यांत त्राण नाशिल्लो. शेळो घाम फुटलो. ताका थरथरो आयलो; अवसान सुटलें; दोळ्यांकडेन काळोख आयलो आनी घब्ब करून तें जमनीर आपटून पडलें. घरच्या लोकांनी पळयलें जाल्यार ताचें आंग थंड जाल्लें.

त्या प्रेताकडेन पडिल्या पाकिटांतल्या कागदार एकट्याची नदर पावली. तें सुभाषाल्या लग्नाचें व्होंवळीक पत्र आसलें.

गौरी

गौरी ! गौरी !! गौरी !!!

कॉलेजच्या सगळ्या भुरग्यांच्या तोंडांत एकूच मंत्र-गौरी. गौरी, एक सुंदर आंकवार चली. पोरूं वर्सा इंटराक आशिल्लें. बऱ्या नांवाजत्या घराण्यांतलें, कुळवंत, बुदवंत आनी गिरेस्त अशें चली म्हळ्यार कॉलेजाक एक सोबायच आशिल्ली. देवान ताका धिटाय दिल्ली, सोबीत अशें रूप दिल्लें. पूण ताच्यांत नाशिल्लें तें फकत सामर्थ्य. आपल्या बापायची गिरेस्तकाय आनी ताची सुंदरकाय ह्यो दोन गजाली ताच्या सभावांत बदल घडोवन हाडटाल्यो. आपल्या व्हडपणाक लागून ताका हेर लोक कमी पावंड्याचे दिसताले. तें तांकां तुच्छ मानतालें. ताच्या रूपांत, खोड अशी काडपासारकी एक सुद्धा नाशिल्ली. ताच्या उलोवपांत चलपांत लेगीत ताची नाजूकसाण उठून दिसताली. ताची सुंदरकाय पळोवन जायते तरणाटे घुंविल्ले. जायत्या लोकांनी ताच्या बापायकडेन वचून ताका मागणी घाल्ली. पूण गौरीक तांतलो एक लेगीत पसंत पडूंक नाशिल्लो. ह्या आनी अश्या खूबश्या गजालींक लागून ताका आपलेविशीं गर्व जाल्लो आनी त्याच पुरमेंतार आपल्याक जाय तशें तें वागतालें आनी हे धुंदींत लोक आपल्याविशीं कितें म्हणटात ताची ताका पर्वाच नाशिल्ली.

अंदू वर्सा क्लासीस सुरू जावन आठ दीस जाल्ले. पूण गौरीचो पत्तोच नाशिल्लो. सभावान जरी कितलेंय कुसड आसलें तरी लेगीत ताचें येवप-वचप भुरग्यांक आवडटालें. शिकपाकूय तें हुशार आशिल्लें देखून प्रोफेसरांचोय ताचेर सामको जीव आशिल्लो. कॉलेजची नामनाय गौरीन वयर काडची म्हुण प्रिंसीपल सुद्धां ताचेर स्वता लक्ष केंद्रीत करतालो. खूब दिसांनी गौरी क्लासीक आयलें. पूण ताचो उत्साह पोरूं सारको नाशिल्लो. तोच भेस, तेंच रूप. दीस वताले.

म्हयने सोंपताले. सुटयो-समारंभ जाताले आनी जसजशी परिक्षा लागीं पावत येताली, तसो गौरीच्या सभावांत बदल घडून येतालो. अंदू वर्साच्यो ताच्यो करण्यो भुरग्यांक अपमानास्पद दीसऽ नाशिल्ल्यो. पोरूंच्या ताच्या वागण्यांत असो अकस्मात बदल जालो कसो होच एक प्रस्न सगळे भुरगे एकमेकांक विचारताले. मिळून मिसळून वागचें-उलोवचें अशें ताका आतां दिसतालें. हें सगळें जावपाक कारण ताच्या जिवनांत एक गजाल घडून आयिल्ली.

गौरी पोरूं वर्सा परिक्षा सोंपून घरा गेल्लें. माया म्हयन्यांतले हून दीस तकली सामकी रखरखायताले. देखून सांजेवेळच्या वाऱ्याचो थंड झोत आंगार घेवपा खातीर तें आपल्या मैत्रिणीं वांगडा सदांच गार्डनांत वतालें. ही पासय मारप हो तांगेलो सदांचोच नेम आशिल्लो. आपल्या दोन तीन मैत्रिणी वांगडा येवन तें एका बाकार बसतकच थोड्याच वेळांत गार्डनाच्या दारार एक गाडी थांबताली. ड्रायव्हर दार उगडटालो आनी तातुंतल्यान एक चलो आनी एक चली एकमेकांच्या सांगातान तांच्या मुखावेल्या बांकार येवन बसतालीं. ताच्या वांगडा येता तें चली ताची भयण, हें तांच्या उलोवण्यावेल्यान कळीत जातालें. त्या चल्याची सुंदरकाय पळोवन गौरी सामकें भुलिल्लें. त्या चल्याचें नांव गांव समजून घेवपाची ताका ताकतीक लागिल्ली. इतलो देखणो चलो ताच्या जिवनांत अजून मेरेन येवंक नाशिल्लो. लग्न जातलें जाल्यार हाचेकडेनूच असो एक निश्चेव ताणें मनांत लिपोवन दवरिल्लो. बापायच्या कानार गजाल घालचे पयलीं ताची सविस्तर वळख करून घेवचीं हे नदरेन ताचे यत्न चलताले. सदांच साडेपांच वरांचेर येवन स साडेसंक तांचें वचप जातालें. गौरी आनी तागेल्या मैत्रीणींचो जसो त्या गार्डनांत वचपाचो नेम आशिल्लो, तसोच त्या भाव-भयणींचो हो नित्याचो कार्यक्रम जावन पडिल्लो. ह्यो मैत्रिणीं एकमेकां भितर गजाली मारताल्यो. पूण गौरीचें त्या गोश्टींचेर लक्षूच नासतालें. अस्तंत्या सुर्याचीं किर्णां त्या चल्याच्या तुकतुकीत आंगार पडिल्लीं तें दृश्य पळोवन गौरी स्वस्त कशें बसत? आपल्यो सगळ्यो भावना ताचेरूच ओंपिल्लेवरी ताचें वाटकुळेंच तोंड भाव परगटायतालें. सगळो वेळ तें ताचेकडें पळोवन आपली भूक भागयतालें. तो सदांच आपले भयणी वांगडा येवन तांच्या मुखावेल्या बांकार बसतालो, ताचे वांगडा उलयतालो,

हांसतालो-खिदळटालो आनी ह्या ताच्या खिदळपाचेर गौरीचें मन ताचे ताकाच सांगतालें- हय, तो तुजे खातिरूच येता. तुकांच पळोवन तो खिदळटा, तुजीच सुंदरकाय ताका हांसयता. येवजून-येवजून तें आपले आपुणूच मुरगट्टालें. तो काळें गॉगल घालतालो. ताची नदर आपलेकडेनूच आसा असो गौरीक भास जातालो. त्या चल्याचें तरतरीत नाक, रेखीव भुंवयो, गुलगुलीत चकचकीत रूप आनी म्हॉवाळ तांबडे ओंठ, नाजूक पोले, भरिल्लो गोरो-गोमटो उंच देह आनी ताचेर काळें गॉगल पळोवन गौरी पिशें जाल्लें. दिस-रात ताच्या दोळ्यां मुखार 'तो' दिसतालो.

तें सदांच येतालें. तोवूय भयणी वांगडा येतालो- एक दीस तो एकलोच येतलो आनी आपूण ताचेकडेन उलयतलें हे आशेन ताणें ताची खूब वाट पळेली. पूण तो आपले भयणीक सोडून केन्नाच आयलोना. सुटी सोंपून नवें वर्स सुरू जावपाचे दीस लागीं पाविल्ले. पूण अजून मेरेन ताचें मन शांत जावंक नाशिल्लें. ताचेकडेन उलोवपाची संद येवची, ताची वळख-देख करून घेवची हे दृश्टीन ताणें आज फुडाकार घेवपाचें येवजिल्लें आनी तशें तें वावुरतालें.

तो आपल्या सदच्या वेळार आयलो. गौरीय आज एकटेंच आयिल्लें. भयणी आड ताचेकडें उलोवणी करपांत ताका यश येवंक नाशिल्लें. जेन्ना तागेलो घरा वचपाचो वेळ जालोसो गौरीक दिसून आयलें, तें बेगीन बेगीन उठलें आनी गार्डनाच्या दरवंट्यार वचून रावलें. ड्रायव्हरान जेन्ना तागेल्या मोटारीचें दार उक्तें केलें तेन्ना भयण पयलीं वचून बसली आनी हो मात भितर बसपाक वतालो, इतल्यान गौरीन ताका चुकून जाल्लेवरी एक खोंपर मारलो आनी तितल्यांत तागेलें गॉगल सकयल पडलें. उलोवपाची संद मेळची हे खातिरूच ताणें ही युक्ती काडिल्ली. सॉरी म्हुण शब्द गौरीन आपल्या तोंडांत काडल्यात मात, ताका एक विचित्र दृश्य दिसलें.

जमनीर पडिल्लें गॉगल सोदपा खातीर तो हात फांकारून सांसपितालो.

नांव गांव विचारपाक ताका वाचा फुटना जाली. ओंठ लेगीत ताचे सुकले. त्राण नाशिल्लेवरी जीव सुको तळमळ्ळे भशेन ताका दिसूंक लागलें. रडकुळेक आयिल्ले भयंकृत दोळे स्तब्ध नदरेन ताच्या दोळ्यांकडेन नदर फिरकायताले.

तो कुड्डो आशिल्लो!

त्या दिसापासून गौरीची काया दुबळी जाल्ली, रूप तशेंच आशिल्लें पूण मन मात व्हड जाल्लें. मायेचो किरण तातूंत रिगिल्लो. सभाव बदल्लो. जें गौरी सगळ्यांक भुलयतालें आनी तोंडाक येता त्या उतरांनी जाप दिवन कश्टी करून सोडटालें, तोच अणभव प्रत्यक्ष आज ताच्या वांट्याक आयिल्लो. ताका आपल्यो सगळ्यो चुको आनी आपले दुर्गुण ध्यानांत आयिल्ले.

दोंगरावेल्यान खळखळत व्हांवपी न्हंय संथपणान व्हांवताली.

दादोचें
ललित साहित्य

* मिलाग्रेचो दोतोर
* कॉलेजीचो प्रिन्सिपल कसो आसचो?
  – म्हजी एक कल्पना
* अडचावट मांय
* पिरवळ म्हजो गांव



मिलाग्रेचो दोतोर

खूब खूब वर्सां फाटल्यान सांग्यार एक व्हडलो दोतोर रावतालो. पूण ताका सगळो गांव 'मिलाग्रे'चो दोतोर अशें म्हणटाले. ताका तशें कित्याक म्हणटात हें समजून घेवपाची म्हाका ध्यास्त लागली. तो गोंयकार आशिल्लो. गोंयांत 'मिलाग्र' असो काय एकूय गांव ना. अर्थात ताच्या करण्यांक लागून बऱ्या जावं वायट, सगळे ताका तेच नांवान वळखताले. आमचेय हे पिळगेक त्या दोतोराच्यो फक्त गजाली आयकूंक मेळटात. कोण सांगता, तो एक व्हड ओपेरादोर आशिल्लो. तर आनी कोण म्हण्टा की, ताचो हात लागना फुडेंच पेशंट तरतरीत जातालो. म्हाका मात हें पटना जालें. खंय वता थंय विचारप आनी खरी गजाल उक्ती करपांत हांवें म्हजो जायतो वेळ पेङ्ग्यार केलो. कालूच म्हाका आमगेल्या दादान (म्हजो आजो) ही गजाल मात्शी स्पश्ट करून दिली आनी म्हाका दिसतायबी तशेंच शें. तो सांगतालो –

सांग्यार एक व्हड भाटकार आशिल्लो. ताका अपुर्बायेचो असो एकलोच पूत आशिल्लो. आवय-बापायन ताका म्हण्टा – म्हण्टा तें हाडून दिलें. ताचे उपाट लाड केले आनी जसजसो तो वयार येवंक लागलो तसतसो नाचपाक-हेडपाक ताका घरांतल्यान जाय तसा पयसो मेळूंक लागलो. शिकपावेलें लक्ष तर ताचें सामकेंच ना जालें. आवयक सामकी चिंता पडली. पोराचें जावचें कशें. होच विचार तिका रातदीस सतायतालो. बापूय तर मोठो भाटकार आनी इन्फ्लूइसिवादू. सांग्यावेल्या इस्कोल प्रिमारींतल्यान सेगुंद ग्राव कशेभशेन तो पास जालो (फावोरान जावये) आनी बापायन ताका पणजे लिसेवाचेर घालो. थंय किंतान पास जावपाक ताका खूब वर्सां बांक शेकोंवचे पडले. पूत लिसेवाचेर शिकता. आवय बापूय आनंदात. बापायन ताका निमाणें दोतोरकी शिकोवपाचो विचार केलो. गुङ्ग्यार गुड्डो. सेत्मान जावन तो पणजेच्या इस्कोला मेदीकांत

मन

CENTRE LIBRARY MANGALORE

वचपाक लागलो. पावसाळे सोंपता तशे सोंपता. पूण तांगेलो हो बोंडो पूत दोतोर जावंक पावना जालो. बापूय जाण्टो जावंक आयलो. आनी आपूण आसासर ताका मोठो दोतोर जाल्लो आपूण पळेतलों, ताका मोठो कोंसुल्तोर घालून दितलों अशीं तरेतरेचीं सपनां तो पळेतालो.

कांय वर्सांनीच बापूय भायर पडलो. पूत दोतोर जाल्लो पळोवंक मात ताका मेळ्ळोना. सगळो गांव ताच्या इंतेराक गेल्लो. इश्कोल मेदिकाच्या दोतोरांक प्रस्न पडलो, येद्या व्हडल्या रेश्पेताच्या भाटकाराच्या आत्म्याक शांती मेळटली कशी? ती मेळची म्हुण ताणीं तागेल्या पुताक दिप्लोम दिवपाचो थारायलो. दोतोर जावन कश्याय कशीं वखदां दिवन लोक जर मेले जाल्यार बशिल्ल्या जाग्यार त्या प्रोफेसरांचेर अप्सरण येतलें म्हणपाचोय तांकां भंय जालो. इश्कोल मेदिकाच्या दिरेतोरान ताका आपोवन हाडलो आनी सांगलें.

'तुका हांव दोतोरकीचो दिप्लोम दितां. फक्त तुज्या पायक लागून. हांव सांगतां तें तूं आयकुपाक तयार आसा?'

ताणें 'हय' म्हुण जाप दिली.

जंय खंय शिकिल्ले लोक कोणूच ना वा जांकां मेदीसीनांतलें कांयच समजना असल्या गांवांत ताणें ताका प्रॅक्टीस करपाक सांगलें. हो पिसो पोर घोळोवन कित्याय कितें दिवन तांकां उश्टे वाड्यार उडयत म्हुण दिरेतोरान ताका चार-पांच तरेचीं पोसांवां लावन दिलीं. थंडी जाल्यार एक, जोर आयल्यार दुसरें, पेर्तुवासांव (म्हळ्यार तकली बी फोडल्यार) जाल्यार तिसरें, पोटांत बी दुखल्यार चवथें आनी पांचवें आनीक एके तरेचें.

निमाणें ताका दिप्लोम मेळ्ळो. बरे व्हडले फास्केंत बी घालून ताणें तो आपल्या घरांत हुमकळायलो. आपल्या गांवांत ताचेपेक्षां शाणे अशे कोण एक ताका दिसले ना, देखून कोंसुल्तार सांग्यारूच उगडुपाचो ताणें आपलो बेत थारायलो.

दोतोर आयलो. दोतोर आयलो. सगळ्यांक आनंद. कोणूय बरो ना जाल्यार तांकां मडगांवां वचचें पडटालें. गांवच्या लोकांची सोय आतां गांवांतूच जाल्ली. सगळ्यांच्या तोंडांतसून गांवभर हीच चर्चा. विस्वण; कल्ली, शेंवटे अशीं तरेतरेचीं सागवादां दोतोराल्या दारांत वचूंक लागलीं. कोणागेरूय कितें हाडलें, पयलीं उश्टावणी दोतोराची. लोक ताका देव अशें मानूंक लागले.

तागेली क्लिनिक नेटार चलताली. कोणांक कितें जालें ताची विचारपूस करप; झेताक स्टेथो-स्कोप लावन मात्शें तपासप आनी निमाणें दिरेतोरान दिल्ल्या पांच पोंसांवा भितल्लें एक पोंसांव खिरोवन दिवप होच तागेलो सदांचोच नेम.

एक दीस कितें जालें. रातच्या मध्यान राती एक तागेलो भागेली आयलो आनी दोतोराच्या घराचें दार खडखडावंक लागलो. दोतोराक लागिल्ली सुस्त न्हीद. दाराच्या आवाजान तो जागो जालो आनी गाळी मारीतूच उठलो. दार उगडलें आनी ताका मात्सो तापयलो. कितें जालां. कित्याक आयला, हें विचारचे पयलींच ताणें आपल्यालें एक पोंसांव काडून दिलें. तो भागेली ताका कितें सांगूंक सोदतालो. पूण न्हिदेचे तंद्रेंत ताचीं उतरां कांय एक आयकनासतना भितरल्यान हाडिल्लें पोसांव ताणें ताच्या हातार उडयलें आनी दार धांपून घेतलें. तो भागेली बाबडो चिंतेस्त जावन थंयच बसलो. तागेलो एक बैल ना जाल्लो आनी तें सांगपाक तो दोतोरासरी आयिल्लो. फक्त आपल्यालो धनी अशें धरून. दोतोरालें वखद आतां करप कितें? ताणें विचार केलो दोतोर काय पिसो न्हय. घरा गेलो आनी वखद घेतलें. तें वखद म्हळ्यार एके तरेची भायरीच आशिल्ली. तें घेनाफुडें ताचे बाबड्याचे हाल जावपाक लागले. दाळार दाळ. तांबयो घेवप आनी दोंगरार धांवप. बाबडो सामको खर्शेल्लो. जिळीमिळी जायत आयिल्लें. असोच एका जाग्यार त्या वखदाच्या परिणामाचें सूख जिरयतना ताका सकाळच्या जिळमिट्यार लागच्याच झुडपांत तागेलो बैल दिसलो. घे, आनंदांत आनंद. बैलाक घेवन तो घरा परतलो. बैल मेळचो म्हुण दोतोरान हें वखद दिल्लें हें ताका आतां पटलें. दोतोराले हे दोतोरकीचो प्रचार सगळ्या गांवभर फांफावलो. सगळ्या गोंयभर ताची फाम बरी जाली. सांग्यावेले लोक (ते वेळार) अडाणी आशिल्ले. त्या दोतोराचें नांव लेगीत थोड्यांक खबर नाशिल्लें. पूण ताच्या अजापांक लागून सगळें गोंय ताका 'मिलाग्रेचो' दोतोर म्हुण वळखूंक लागले.

एक दीस इश्कोल मेदीकाचो दिरेतोर (जाणें ह्या दोतोराक दिप्लोम दिल्लो) मडगांवां एके पार्टेक मटन खायत बशिल्लो. मटन खातां खातां ताच्या गळ्याक एक हाड लागलें. कशेंच येना जालें. बरे बरे येरोपेव दोतोर हाडले पूण हाड कशेंच भायर येना जालें. अशे हे परिस्थितींत कोणें तरी एका मनशान ह्या 'मिलाग्रेच्या' दोतोराचें नांव काडलें. बेगी-बेगीन सांग्यार वचून ताका हाडलो.

हरशीं तो गांवां भायर खंयच वचपाक तयार नाशिल्लो. जरी ताका लोक 'व्हड' अशें मानताले तरी ताची बुद्ध ताकाच खबर आशिल्ली. पांच पोंसांवा परस ताचेकडें कांयच नाशिल्लें. दिरेतोराक तपासपा खातीर ताणें ताचें तोंड पळयलें. येदो व्हडलो दोतोर कोण हें पळोवपा खातीरूच ताणें आपले दोळे उगडले मात, ताका आयलो हांसो. सामको भितरल्यान हांसो. आनी त्याच नेटार गळ्यांत आडकळल्लें हाड फट्ट करून भायर पडलें. सगळे शोकाद! सगळे झेलाद!!! असो हो मिलाग्रेचो दोतोर.

कॉलेजीचो प्रिंसिपल कसो आसचो?
म्हजी एक कल्पना

हालींच्या तेंपाक कांय कॉलेजांनी वर्साक एक प्रिंसिपल आसता. हें कित्यापासून जाता? ते शिकिल्ले नासतात अशें काय न्हय. तांच्यांत येदी व्हडली जापसालदारकी घे सारकी तांक नासता अशेंय बी न्हय.

ल्हानपणापासून म्हाका दिसतालें, म्हाड्डोळच्या शांतिनिकेतनचो धनी जांवचें. हॉटेलचो मालक म्हादेव, काउंटराचेर बसून पांच-पांच मिनटांनी बटाटवड्यांचेर ताव मारताना हांवें पळोवचें आनी म्हणचें, स्वर्गीय सूख म्हणटात तें हेंच जांवये! पूण काळ जसो बदलता तशें मत्तूय बदलूंक लागता. हालीं तेपाक म्हाका कॉलेजचो प्रिंसिपल जायनशें दिसूंक लागलां. बाकी तशें पळेल्यार हॉटेलवाल्यापरस कॉलेजचो प्रिंसिपल कितलोसोच श्रेष्ठ. हॉटेलवालो घालून घालून लोकांच्या पोटांत कुसक्या बटाटांची सुकी भाजी घालीत. पूण प्रिंसिपलाभशेन भुरग्यांच्या खासा मेंदूंत तांतयां येदीं कुसकीं बटाटां तो भरूंक शकना.

हांवें जायतेकडेन पळेलां, वेग-वेगळ्या कॉलेजांची खूण (सिम्बॉल) आसता. 'मशाल' जावं 'पण्टी'. पूण कॉलेज आनी ज्ञान हांचो कितलोसो संबंद आसा हेविशीं म्हाका अजून दुबाव आसा. 'देव-आनंद' कट मारून घेवपाक कोणें एकल्यान म्हाल्याकडेन वचचें आनी ताणें ताचो 'खड्डो' करून सोडचो तेच भशेन कॉलेजांत वतल्यांचें जाता. ज्ञान मेळोवपाक म्हुण कॉलेजांत वतात पूण भायर सरतात तेन्ना ज्ञानांत व्हडलिशी वाड जाता अशें कांय ना. बोल्सां रिकामी जाल्ल्यान तकलेंत आशि-नाशिल्ले ज्ञानाचे कण मात ल्हव जावन उडून वतात. अशें आसा जाल्यार हे करणेक फावसारकी खूण कित्याक घेवची न्हय? म्हज्या कॉलेजची खूण आसतली 'वाखर'.

'न हि ज्ञानेन सद्दष्वं पवित्रनिह विद्यते', 'तमसो मा जोतिर्गमय' अशीं घोषवाक्यां

हालीसाराक कॉलेजच्या दरवंट्यार तागेले खुणेसकला दिश्टी पडटात. म्हगेल्या 'वाखर' हे खुणेक फावशें घोषवाक्य आसूंक जाय. Fools rush in where the angels fear to tread. (जंय देवदूत वचूंक भितात थंय पिशे सहज वतात.) अख्खें इंग्लीश साहित्य धुंडाळून ताची बराबरी करपाक दुसरें वाक्य मेळचेंना अशें तीं उतरां कॉलेजच्या दरवंट्यार झळकतलीं आनी ताच्या पोंदसून वतले 'ज्ञानी' भुरगे आनी प्रोफेसर.

कॉलेज आनी प्रिंसिपल हांचो संबंध 'काँग्रेस' आनी 'बैल' हांच्या इतलोच दाट! कॉलेजच्या लागसार प्रिंसिपलाचो बंगलो आसले बगर कॉलेजाची उदरगत जावंक पावना. दाव्या हाताक चल्यांचें हॉस्टेल, उजव्या हाताक चलयांचें हॉस्टेल आनी मदीं प्रिसिंपलाचो बंगलो! आपणाल्या कॉलेजांत शिकतल्याचे वर्तणुकीचेर दोळो दवरप हें खंयच्याय प्रिंसिपलाचें पवित्र कर्तव्य! आनी हो 'दोळो दवरपा' खातीर (फक्त) उजव्या हाताच्या हॉस्टेलाचीं जनेलां आनी बंगल्याचीं जनेलां एकमेका सामकार येतात हाचेर म्हजी नदर आसतली.

अशेंच आमचें एक दुसरें कर्तव्य हालीं तेंपाक आमी विसरल्यात. आमगेले लीडरलोक बोबाट करून सांगतात 'चड उलोंव नाकात, काम करात!' आनी तरीपूण आमगेले लेक्चरर जाग्यार येनांत. असल्या देशद्रोही लेक्चररांक म्हज्या कॉलेजांत एकजात सुवात आसचिना. कितें उपेग त्या लेक्चररांचो, जो sensation of sound शिकयता पूण जाचीं उतरां मात भुरग्यांच्या कानांत मात पसून sensation करिनासताना हजारांनी फूट माथ्यावयल्यान पंजाब मेलच्या वेगान धड-धड वचून वाटेक आदळतात! शिक्षक हो वर्तमानकाळांत वावुरपी आसूंक जाय (इतिहासाचो शिक्षक खेरीज करून) आज संवसारांत कितें कितें घडटा ताची ताका पुराय खबर आसूंक जाय. यशवंतराव चव्हाणांक एक ब्लेड कितल्या खाडांक पावता?, विनोबाच्या वाल्याची रूंदाय कितली आसा?, प्रेसिडेंट निक्सनच्या शिंवप्याचें नांव कितें?, दिलीपकुमाराचें ह्या दिसांनी कोणाकडें लफडें चल्लां?, चीन आनी अमेरिकनाचें जर पटत तर साखर म्हारग जातली काय गोड?, मोरारजी देसायालें मंत्रीपद वचत पासून ताचें कशें चल्लां? हांचेसारख्या राजकीय, सामाजिक, आर्थिक आनी इतिहासिक स्वरूपांच्या प्रश्नांच्यो जापो मुलाखतीवेळार दिवंक शकतात तांचीच हांव लेक्चरर म्हुण वेंचणूक करतलों.

लेक्चरर कॉलेजाची बुन्याद आसले जाल्यार, शिकपी ते बुन्यादीचेर उबे केल्ले खांबे आसात हातूंत दुबाव ना. भुरग्यांचेर कॉलेजाचो फुडार अवलंबून आसता. भुरग्यांभितर थोडे 'कुसके आंबे' आसतात. तीं कुसकां पयलींच वेंचून भायर उडोवपाची हांव तजवीज करतलों. 'डिस्टींक्शनां' मेळोवपी स्कॉलर हें तांच्यांतले सगळ्यांत चड कुशिल्ले आंबे. भायली साल धरून भितरली बी लेगीत. कुशिल्ल्या ह्या आंब्यांची सांवळी लेगीत हांव पडूंक दिवचोना. आवय-बापूय, भाव-भयण, पांच-पांच मिनटांच्या अंतरांत मरून गेल्लेवरी पाडपडिल्लें तोंड करून पयल्याच बांकार बसप, देखणे चलयेकडेन लेगीत मान वाकडी करून पळोवपा इतली रसिकताय दाखोवप ना. गणिता सारको corrosive विशय तकलेंत घुंवयत हातवारें करप हीं सगळीं पिशेपणां एक फावट सुरू जालीं जाल्यार जगपांतलो आनंद नाच जाता. मनीस कॉलेजांत वता तो ह्या कारणाक न्हय अशी म्हजी सदां आस्त. एस.एस.सी. चे परिक्षेन शिणिल्लो भागिल्लो मेंदू थोडे दीस शांत करचो आनी मागीर नोकरी धरून संवसारांत पडचें असो विचार करून चडशे जाण, दोन वर्सां घालोवपाक कॉलेजांत येतात. कित्याक तांकां फुकटचो त्रास दिवंचो?

हो त्रासांचो रोग पातळावपी आनीक एक किडो आसा. ताचें नांव परिक्षा. परिक्षा घेवपी जे आसात ते intermediate hosts. सप्तकी टेस्टी आनी टर्मिनल परिक्षा हांकां सामकीच सुटी. परिक्षा येतली ती एकदम वर्साच्या निमण्या दिसा. अशेतरेन जर चलत जाल्यार जाता तितलीं वर्सां कॉलेजांत सुखा-समाधानांत मनोवपाचो भुरग्यांचो उद्देश फळाक येतलो हें सांगुकूच नाका. भुरग्यांच्या आवय-बापायनीं भितर पुरून दवरलेले दुडू अशेतरेन घोळणुकेंत येतलो. हो देशाचें वित्तचित्र सुदरप करपाक केदो व्हडलो आदार जातलो!

मनशाचें सूख वाडोवपी दुसरी वस्त म्हळ्यार 'सिनेमा'. एकएका भुरग्यान सप्तकांत उण्यांत उणे दोन सिनेमा पळोवंकूच जाय असो कॉलेजचो कायदोच आसतलो. फक्त पळोवनूच भागना जाल्यार जणेकान रिपोर्ट दिवंचो पडटलो, आनी त्या रिपोर्टांत ताका 'हिरो चड मानवलो काय हिरोइन? कित्याक? सिनेमाचो खंयचो वांटो ताका ताच्या जीवनांत घडचो अशें दिसता?' बी प्रस्नांच्यो जापो दिवंच्यो पडटल्यो.

दुसरी एक म्हजी भावना आसा. बडी वाजलेबगर जसो शाळेंतलो अभ्यास जायना, तशेंच 'प्रेम' आयल्याबगर कॉलेजांत अभ्यास जायना. कॉलेजचो प्रिंसिपल ह्या नात्यान म्हजी अपेक्षा आसतली कीं म्हज्या जणएक विद्यार्थ्यान तो खीण अणभवचो कीं जेन्ना मनीस आपले आपणाक विसरता आनी दुसऱ्या सोबीत जगांत वता (अशें म्हणटात!) जो प्रेमांत पडटा ताका हांव तिसरी तस्रीप दितलों, जो प्रेमांत गुरफट्टा ताका दुसरी आनी जो प्रेमांत घुसमट्टा ताका पयली!

एका सुण्याचें दुसऱ्या सुण्याकडेन पटना, तशेंच गणिताचें आनी 'प्रेम-दया-माया-क्षमा-शांति' हांचें पटना अशी म्हजी ल्हानपणापासून खात्रीच जाल्या. जंय जंय गणीत, थंय-थंय माराचो वळ, सुजिल्ले पोले, भरिल्ले दोळे! सुण्याची देख दिवपाचें कारण म्हळ्यार हांवें गणीत चुकोवचें आनी मास्तरान सुण्याभाशेन म्हज्या आंगार धांवून येवचें हें आमच्या वर्गांत सदाचेंच जाल्लें. ज्या विशयाक म्हाका इतली ख्यास्त भोगल्या तो विशय हांव कसो शिकोवंक दितलों? गणीत हो विशयच हांव कॉलेजांतल्यान काडून उडयतलों. जो गणीत हें उतर उच्चारीत ताका धा रुपये दंड, जो गणीत हें उतर बरयत ताका शंभर रुपये दंड आनी जो गणीत करून दाखयत ताका हांव कॉलेजा भायली वाट दाखयतलों. हालींचें शिक्षणशास्त्र सांगता : जें शिकयता तें भुरग्यांच्या मनांत रुजूंक दियात. सादें बीं किल्लुपाक २-४ दीस लागतात. फिजिक्सचीं डेरीव्हेशनां (derivations) आनी केमिस्ट्रीचीं इक्वेशनां (Equations) रूजपाक पंदरा मिनिटांचो इंटर्व्हल कसो पावत? म्हज्या कॉलेजांत दर पंदरा मिनिटांच्या पिरियडा फाटल्यान अर्द वराचो इंटर्व्हल आसतलो. इंटर्व्हलांत विविध भारती आयकुपाची निवळ वेवस्था आसतली. कॉलेजचीं पुस्तकां कोठी (Library) राष्ट्रीय वृत्तीची आसतली. सायन्स विशयाची एक लेगीत पटी ना जावं म्हयनाळें आसचेंना. म्हणजे फायचे नागरीक सायन्सीवीशीं उदास आसतले; आनी भारत अणुबाँब करूंक शकचोना, अशे रितीन पंडित जवाहरलाल नेहरूचो शांततायेचो ध्येयवाद फुडें चलोवपाक लायब्ररी हातभार लायतली. शांततायेची जपणूक करपाक मन तयार करपा खातीर, मेनका, अप्सरा हांचेसारकीं म्हयनाळीं हिसपा भायर आसतलीं.

कॉलेजचो प्रिंसिपल ह्या नात्यान म्हजे सगळे भुरगे 'त्रि क' (कॅन्टीन, कडक स्टार्चची मुस्तायकी आनी कवी) जावचे हे खातीर हांव प्रयत्न करतलों. कवी

आसून लेगीत मनीस कॅन्टीनांत वचपा इतलो आनी कडक स्टार्चाची मुस्तायकी घालपा इतलो गिरेस्त आसूंक शकता हें संवसाराक दाखयतलों. हे ‘त्रि क’ भुरगे कॉलेजाचो घमघमाट संवसारभर पातळावपाक कितलोसो कळाव लायतले? आनी ह्या घमघमाटाच्या आधाराचेर ‘आदर्श प्रिंसिपल’ म्हुण राष्ट्रपती पदक मेळपाक म्हाका कितलेशे दीस लागतले!

अशे हे कॉलेजचो हांव जर प्रिंसिपल म्हुण कांय तेंप रावलों जाल्यार म्हाका भायर उडोवंक कोण धजतले?

अडचावट मांय

गच्च लोकांनी भरिल्लो माटोव हळुहळू पातळ जातालो. भटपण सोंपत आयिल्लें. नवो शालू न्हेसून घरा वचपाची तयारी चलिल्ली. व्हंकलपावणी. आई रडपाक लागली. मायेच्या मनशाचें काळीज फुटलें. आवयच्या दुदान वाडयल्लीं कर्मां सोंपलीं. मागीर मोटर सुटली. म्हज्या मनांत विचार आयलो–

आपलो मनीस घट आसताच. पूण 'ती' बरीं मू? म्हाका सतावचीना मू? आनी तिचें आयकून हो आमगेलो म्हजेर खुबना मू? मांय सुनांविशीं खुबश्शो गजाली म्हज्या वाचपांत आयिल्ल्यो. तोंडाक तोंड लागता आनी झगडीं झुजांक ऊत येता. कोणा एकल्याक अन्याय आपलो अशें दिसना. न्हिदिल्ल्या मनशाक उठोवप सोपें आसता पूण निव्वळ द्वेश आनी मुद्दाम निर्माण केल्ल्या झगड्याक मागीर कशें आडावंक जायत? रातच्या मंद वेळार काळखी वारें म्हाका भेशटावंक लागलें. म्हऱ्यांत बशिल्ल्या म्हज्या मनशान म्हाका धीर दिलो.

म्हजे आईक हें थळ खूब मानवलेलें आनी तिच्या प्रयत्नांत तें म्हाका मेळिल्लें! हांवें एक स्वतंत्र बिराड करून रावचें न्हय, संवसाराची सगळी जापसालदारकी एकट्याचेर म्हजेर पडची न्हय आनी देखून मांय बरी मेळूंक जाय अशें म्हजे आईक सदांच दिसतालें.

मांयोय बी तरेतरेच्यो आसतात. पूण म्हजी मांय म्हळ्यार भांगर हाचो अणभव म्हाका पयलेच दिसा आयलो. कितें तिचें उलोवणें आनी कितें तिचें तें वागप! धुवे–सुनेक वागोवपाक फरक आसता म्हणपाची ती एक निव्वळ म्हण. अर्थांत म्हजेपुरती तरी! धकचपाटे काडिनासतना आईसरी मनयलेलें म्हजें आंकवार जिणें सोंपूंक नाशिल्लेंच. तीच माया आनी तेंच मन कुळारचो स्वर्ग अजून जियेतालो. मायेचो पावस भोवस्ताळ्याचो नाशिल्लो. भाभी म्हळ्यार देराक व्हड अभिमान, सून म्हळ्यार मांवाच्या तोंडार सदाच हांशे. नण्डेचो तर म्हजेर

सामको जीव.

आनंदाच्या आनी खोशेच्या ह्या वातावरणांत म्हज्या संवसाराचें पयलें वर्स कशें कितें मनयलें हें कळ्ळें लेगीत ना. ह्या उमाळ्याचो आनंद भोगपाक म्हजे जिणेंत एक नवो आनंद जल्माक आयिल्लो. लुकलुकीत दोळ्यांची तिरसुवाद धूव म्हज्या पदरांत आयिल्ली.

म्हजो बांयटेर, म्हजी धूव, सटी, बारसो आनंद हो घरभर पातळ्ळेलो. कितें हाडलें सुनेक पयलीं. कितें म्हुण त्यो अपुर्बायो म्हजे धुवेच्यो! चली म्हज्या पोटांत जल्माक आयलें खरें पूण पांच मिनटां उमे घेवन चिड्डून मुड्डून सांसपुपाक मात लेगीत मेळना आशिल्लें. कुळारा वचत जाल्यार थंयूय तशेच लाड. सगळें सगळें पळोवन आनंदान जीव सामको हामेतालो. दोन वर्सांच्या त्या म्हज्या राबित्यांत कुळारापासून पयस आसा म्हणपाची जाणीव म्हाका केन्नाच जालीना. दिश्ट जावची अशी म्हजी अपुर्बाय. म्हजी ती सासाय पळोवन सगळें घर हांशें फुलयतालें. घरांतल्या लोकांकडें म्हजो आतां बरोच परिचय जाल्लो. आमचें नवें वर्स लागीं पाविल्लें. नव्या वर्साची गोड पोळी म्हज्या हातांतल्यान सगळ्यांच्या तोंडांत पडची अशी म्हजी इत्सा आशिल्ली. देखून संवसारपाडव्याच्या पयले दिसा हांव कुळारसून घरा आयलें.

तिसऱ्या वर्साची नवम म्हाका भेश्टावंक लागली. नव्या वर्साचो दीस चवथीचो चंद्रीम पळेल्लेवरी जावन उजवाडलो. सगळें कितें विचित्रूच. सगळ्यांच्या तोंडार काळोख, भिणभीण. कोणूच सारकीं उलयनात. कित्याक हें सगळें अशें जावंचें! म्हजी कितें चूक जाली काय? जांकां म्हजें तोंड पळोवन हांशें फुट्टालें, तांच्या तोंडार हीं सुतकीपणां कित्याक? पूण अशें म्हणूंक येत? म्हजें सूख कोणा दुश्टांच्या दोळ्यांत गेलें काय कितें! नाका जाल्ले विचार मनांत येवन सुकीं दुकां दोळ्यांत बरबटलीं. सूख हें मानून घेवपाचें आसता. पश्चातापाचीं किर्णां तकलेंत दवरून सूख भितर हाडूंक शकनात, कितेंय जरी जालें आसत. पूण हेंच म्हजें घर आनी तातुनूच हांवें म्हजो संवसार चलोवंक जाय, ही आस्त बाळगून नव्या वर्साच्या गोड रूचीक सुरुवात करपाक लागलें. आयदनां एकठांय केलीं आनी वावराडेकडे घांसपाक दिलीं. ताणें तीं घासलीं, धुलीं आनी मेजार हाडून दवरलीं. कांय वेळान तीं आयदनां नाच्च जालीं. कोणें काडल्यांत काय म्हुण हांवें वावराडेकडें चवकशी केल्या मात, मांय म्हज्या आंगार धावत आयली आनी सगळीं आयदनां

तिणें एकदम हाडून म्हज्या म्हऱ्यांत आपटिलीं. कांय वेळ म्हाका कितें जालां म्हणपाचें समजना जालें. गुळगुळ्यांतलें थंड उदक हांव पीत रावलें. हे गजालीचो तिणें केदो मोठो बोवाळ करचो! नाका नाका आशिल्लें घडोवन तिणें आपल्या धुवां मुखार म्हजें प्रदर्शन केलें. टवटवीत फुलांनी बांदिल्ली ती म्हजी आस्त आयच्यान बावूंक लागिल्ली. हांव खंय आतां म्हजे धुवेक तांचेकडेन पातयेना जालां. चलयेक मागल्यार हांव ताका खोटावंक लागलें खंय! हलकट उतरांनीं हांव खंय ताका चाळोवंक लागलें. कितें हें सगळें घडोवन दुसऱ्यांक सांगऽ मेरेन तुमची पातळी खंय पावल्या? आपल्या धुवांच्यो तोखणायो करच्योच; पूण सून सुद्धां तुमचीच न्हय? तिचें वायट जावप तुमच्या कुटुंबाक दोश देणें जावचेनां? आईन म्हजी खूब अपुर्बाय केल्या. चवथीक जावं दिवाळेक, आसा ते परिस्थितींत म्हाका आईन भरगच्च वर्जी धाडल्यांत. प्रत्येक खेपे म्हाका आरमार जावं, मेज-सोफा, म्हणनाका स्टिलवत वा रूपावत, भांगरान लेगीत म्हज्या घरची पुजा बांदल्या आनी जीव आसासर अजून लेगीत बांदपाची तयारी आसा. अशें आसतनां उक्त्या पांयांनीं आयिल्लेवरी म्हजी निर्भत्सना? घराघरांत ही वार्ता कित्याक चल्ल्या?

म्हजो घोव-तोवूय लेगीत तिजोच पूत. म्हज्या तोंडांतल्यान तिच्यो ह्यो गजाली ताका सांगप कशें जातलें? पूण हें जावपाक कारण कितें तें मात समजून घेवपाची म्हाका धास्ती लागली. तांगेलो पूत तांकां सदांच कितें ना कितें तरी हाडटालो. ह्या घरांत पद्धत ती अशी. फायचें फाल्यां आयचें आज. जी म्हुण जोड आसा तिचो फोल्गां मारून चुराडो करप. भयणींक डझनांनीं साडयो. पोलक्यांक कुडके; उंची उंची म्हारग वस्तु त्यावेळार येवन पडटाल्यो. मागीर तो पूत लग्न जालो. चार हात जातकीर मागीर खर्च म्हण्टा तो आडावंक येता! तातूंत आनी भुरगें जालें आनी हें सगळें जाल्ल्यान पयलीं ज्यो सुखचैनी तांकां तांचे खातीर मेळटाल्यो त्यो आतां मेळप मात्शें कमी जालें. आनी तेच खातीर हो द्वेश. सगळें जावपाक बायल कारण अशें तांचें मत. अशा ह्या गजालींक लागून दुसरेकडेन बिराड पळोवप खरेलेंच बरें. पूण एकूच, दोन बिराडां केल्यार लोक कितें म्हणटलो? बायले खातीर घराचीं दोन बिराडां जालीं अशें म्हणचे नात?

अशे हे परिस्थितींत करप कितें? कांयच सुचना जालें. कलीचें प्रस्थ घरांत

खूब वाडलें. प्रत्यक्ष जरी तोंडार बाचाबाची जाल्योनांत जायत तरी पूण म्हज्या नांवांचो जप जायत्या सोयऱ्यांक उश्टवणीक मेळ्ळो. निमाणें नजो जावन हांवें म्हज्या घोवाक सांगपाचें केलें.

तेच राती हांवें ही गोष्ट ताच्या कानार घाली. ताणें थंड आयकून घेतलें. कुडींतली लायट पालयल्ली आशिल्ली. एके वटेन बायलेचो मोग आनी दुसरे वटेन आवयचें रक्त. बाजू खंयचे वटेन घेवंची हें ताका घुसमटल्लेवर्री जालें जावंये! म्हज्या स्वभावाची पारख ताका आशिल्ली. म्हजें मन तो वळखल्लो. तो कांयच उलयलो ना. पूण ताच्या तोंडांतल्यान फुटऽ नाशिल्लीं उतरां मात हांव वळखूंक शकलें.

माथ्यावेल्या घरघरपी फॅनाचें थंड वारें कांचान भियेल्लें आंग थंडायतालें.

पिरवळ म्हजो गांव

मडगांवच्यान पणजे वचपाक भायर सरिल्ली मोटार मोट्या कश्टांनी फोंडेची घांटी चडटा आनी फर्मागुडयेर पावनाफुडें सुटकेचो हुस्वास सोडून थंडसाणेन आडवीं उबीं वळणां घेत चलूंक लागता. तेन्ना भितर बशिल्लो जण एकलो सगली थाकाय फाफुडटा आनी टवटवीत मुद्रेन दोंय दिकांनी पसवल्ले वनस्त्रीक पळोवन खुशालभरीत जावन भितरल्याभितर म्हण्टाः पिरवळ तें पिरवळ! ताची सर कोणाक येवची पडल्या?

चार दिकांनी चार सुपुल्ल्या दोंगरांची सासाय दवरून मेकळे हवेंत आनी उक्त्या वातावरणांत जित्या जिव्या सैमाचो आनंद भोगपी हो म्हजो गांव ल्हान-सान न्हय. ताचो एकएक वाडो म्हळ्यार सुंदरतायेचो आनी कितींचो एक आगरच. म्हाड्डोळच्या फुलकारांक कोण वळखना? मंगेशीच्या प्राकारांत कोण पावूंक ना? आनी देवूळवाड्या वयल्या बेताळाक कोणें पळोवंक ना? आपेव्हाळ पसून कुकळयेंची शीम धरल्यार सगळें पिरवळच. वाड्यांचीं नांवां पूण कितलीं सोबीत आनी तरेकवार... म्हाड्डोळ, मंगेशी, नगर-कुस्मळें, गांवठण, कोनें, गिड्डोक, आकार, गाळ, सांगांव, चिरपुटें, आपें, वाडें....

चार रूतूंत चार रंगरूपांनी सजयल्लो म्हजो गांव पळोवन म्हाका दिसता की सैमान आमकां कितें दिवंक ना? पिरवळांत मनशां पसून ल्हान किडमूय मेरेन सगलीं धादोशी दिसतात अशें म्हळ्यार अतिताय जावंची ना. वचत थंय पांचवीचार भूंय. पावला पावलाक शेतोड आनी मड्डां. कडेक आशिल्ल्या बांदांवयल्यो उंच उंच माडांच्यो वळेरी पळोवन 'कांयच चुकना, ते थंय शेतां राखुंकूच रावल्यात.' अशेंच पळेतल्याक दिसता. आनी कुळागरां तर विचारूंच नाकात. जंय उदकाचो सुकळ थंय फळाफुलांची कसली तूट! फोंडेंचे दोन वार आनी भाणस्तारचो शुक्रार पिरवळचीं केळीं नाशिल्लीं जाल्यार सोबचोच

नाशिल्लो. वरसाचे बाराय म्हयने केळीं आनी खांवचींपानां दिवचीं जाल्यार तीं पिरवळानच. त्या भायर त्या त्या वेळावयल्या फळांचो कितें थंय दुकळ आसा? उबाळांत चुन्नां-काण्णां-चारां धरून आंबे पणस. पावसांत घेयात तवशीं, घोसाळीं, भेंडे, दुदी आनी हेर शाकभाज्यो. ताज्या भिण्णांची हिंग मिरसांग घालून केल्ली कडी पियेवपाची कोणाकय रूच आयल्यार कितें कोणाक पयस धाडपाची गरज ना. दारामुखार भिरण आसताच. तेगडी काडून खांद्याक लावपाचो सुमार, कोसळ्ळी हीऽ रास मुळांत.

पिरवळांतलीं घरां हीं चड करून कुळागरांच्या वा शेतोडेच्या देगांनीच आसपाचीं. मागीर तीं बामणालीं जावं, भटांलीं जावं वा कुळवाड्यांलीं. आनी जण एकले घराचे वयले वटेन आतोड आसतलेंच. आतोडांत आसतात काजी ना जाल्यार कोंडे. तांकां केन्ना कोणें वावर करचो पडला? पूण काजींक ताचो शीण ना. मार्गशीर येता काय ना लागल्यो त्यो चवरूंक. फुलांमाळपी बायलांभशेन त्यो नट्टात थट्टात. आनी भर माघ जावंचे पयलींच तांचें आवयपण दोळ्यांत भरता. कसल्या रंगाचें म्हणूं नाकात. तांबडे, हळडुवे, किरमुजी तरेकवार म्हुट्ठ्यांचो संवसार घेवन त्यो आयिल्ल्या गेल्ल्या वाटे वाटसऱ्या मुखार मिरयत रावतात. आनी कोंड्यांक? तांकां आदरतिथ्य करपाचें सांगूच नाकात. त्या वाटांनी भोंवतल्यांचो वचत थंय तोरणां करून ताणीं सत्कार केल्लो आसाच.

आनी पिरवळच्यो वाटो म्हण तरी कसल्यो त्यो? मंगेशी-माड्डोळ माड्डून वता तो डांबरी मार्ग, वेलंगी सांकव काडून निर्जन दोंगरांतल्यान वाट फोडून चलूंक लागता. तो सोडल्यार उरली खरी वाट गांवांतल्यान वता ती. ती थेट फुडें वचून आप्यांत केर-वेरेंचे वाटेक मेळटा. पूण ह्या वाटांनी कितें ना? सगलो परमळ! फळांफुलांचो, झाडापेडांचो, तणापाल्याचो. तांच्या दर्शनान गांवच्या लोकांक रूतूंचें दर्शन जाता अशें म्हळ्यार अतिताय जांवची ना.

म्हाड्डोळच्या फुलकाराक गोंयांत कोण वळखना? जायां तेंपार पेडण्या पासून काणकोण मेरेन घरा कणकणीं भोंवपी हो फुलकार गोंयच्या बायलांचो वळखिचो जालोना जाल्यारच तातूंत खरें अजाप करपाचें. वांकड्या आंगणांत लेगीन बरो नाचपी आमचो यशवंत, कृष्ण जावं बाबुसो कसलीं फुलां म्हणून रावऽ नासतना दसण, शंकर, आबोलीं, अनंत, शब्दुलीं, चाफीं, सुरंगां, जायो, जुयो, कितेंय ताका मेळना, घाल्यो ताणें फांतयो. गुंतले ताणें पोड. केल्यो ताणें व्हळयो.

तितल्योच सोबीत–नाजूक भुलसायण्यो. तांकां पळोवन केंसांत माळपाची रूच खंयचेय बायलेक जालीना जाल्यार यशवंत सोडटा आपलो धंदो आनी जाता खाजेकार. आनी कृष्णा? तो लागता फोग करूंक.

नुस्त्या खातीर म्हाड्डोळच्या बाजाराक नांव आसा. करंजाळचे आनी कुंडयचे मानशेवयल्या नुस्त्याक गिरायक म्हाड्डोळाच. आनी ते वटेन वचपी मोटारांतलो लोक हेच नुस्तेकान्निलें सांगता त्या आंकड्यांचेर वाटवचेलें गिरायक. नाजाल्यार नुस्त्याक जीव सोडपी आमगेले बापी, दाजी, नोनलो–सोनलो हाणीं म्हळ्यार तिट्यार येवन दवरता थंय आसा ते पाटलेंत हात घालून गांथनी उबारून घेवन चलूंक लागपाचे. नुस्त्याक कितें फाव आनी कितें दिवंक जाय तें थारोवपी जशीं काय तीं कोण न्हय, तेच सगले. आनी सांतूक आनी पुतूक तरी तांचेकडेन खंय वांटपण करपाचें आसा? बाब दितलो ते फाव–तितले हें तीं जाणांच. मागीर तिसऱ्याचें थंय कितें उपकरता? ना म्हळ्यार पुतुलो नातू बरो नासलो तेन्ना बापीनच ताका वखदबिखद केलां आनी सांतू दम्यान घरा पडटा तेन्ना नोनलोच ताका पावला.

खंयूय कसलें कार्य जायना, कारण जायना, म्हाड्डोळा येवपाची खेप चुकना. वाजंत्री म्हळ्यार चौघुडो, तशें बँड, खाजेकार, फोग, रांदपी, फुलां ते दोणे आनी शिरत्यो लेगीत म्हाड्डोळच्यो व्हरप. म्हाळशेचें संस्थान म्हण, म्हाड्डोळचें नांव घेतलो जाल्यार फक्त थंयचो फांतोडेवयलो आनी तिनसांजचो चौघुडो आयकुपाचो. म्हाजनांचो आयतारचो पालखे वेळार आनी हेर उत्सवा दिसांतलो बोवाळ वगळीत जाल्यार थंय कितें आसा? म्हाळशेच्या शेजारा सांतेर... म्हाळशेच्या रूद्र रूपाक सांतेरीन थंड करतकर बोवाळ कसलो जातलो? तरूय पूण त्या तितल्या बोवाळांत सूरलयच्या तारतम्यान विनायकान हातांत घेतिल्ली सारंगी संवसार गाजयता आनी गुरूदास–मोतीरामान मारिल्ली तबल्यावयली थाप लोक लक्तुबायेन आयकूंक लागता.

पूण पांडु फुलकारान सगलें सोडून कॅमेरो कसो हातांत धरलो तेंच कुवाडें. खाशा गांवची सोबितकाय परक्यांकडेन उक्तावपाक साधन म्हुण ताणें कॅमेरो घेतलो, पिशोल घेतलेंना, अशेंच काय?

ना म्हळ्यार म्हाका पाट्यावयल्या रंगनाथ चामाराची याद येता. अनवाणी पांय उक्ते घालून फिरपीच चडसो लोक तेन्ना. पूण जोतीं घालतल्यांचीं नांवां

रंगनाथाले घट्ट यादींत. भाटकाराक जोत्यांची याद कित्याक आनी कशी जातली? ताका जोतें केन्ना जाय तें रंगनाथान सांगचेलें. मिर्गार जावं दिवाळेक रंगनाथ घराचे भितोडेंत रावन मार्गान वतल्या भाटकाराक मोट्यान म्हण्टा : "शणै, जोतें करूंक जाय. केन्ना येंव?" आनी शणै वतांवतांच ताका दीस सांगता. मागीर चल्लो रंगनाथ शणैगेर. दनपारचो जेवता-खाता आनी जोख काडून भर वोत काडटकर घरा परतता. दुसरी फावट ताची जोतें जातकर. शणैलें जोतें म्हळ्यार केदी सरंजामी. पूण रंगनाथा इतलेंच शणैकूय तातूंत समाधान. दुडू आसाच घरा म्हुण शणैन केन्ना रंगनाथाक सोडलोना आनी शारांत फिनिस्काद मेळटा तीं जोतीं हाडून केन्ना घालींना.

मामूलें खरें नांव अब्दूल, रेहमान, जाफर, महमूद काय कितें तें तागेलीं घरचीं तरी जाणां जायत जाल्यार दुबाव आसा. पूण मामूक मामूच म्हण आमचे नदरेंत स्थान आसा. तो पिरवळचे हद्दीभायलो वेलंगीचो आसत. पूण ताचे जिणेतलें खरें म्हत्वाचें तास म्हाड्डोळच्या बाजारांत लकलकता. उंच उंच देहाचो हयन्हय सत्तरेचेर पाविल्लो हो म्हातारो. धवेंशुभ्र खाड, सादीच काळी तोपी, हातांत रोत ह्या थाटांत अळंग पावलां घालीत तो उजवाड्ड्यार बाजारांत येता तो थेट वचून वाचनमंदिरांत वाचूंक बसता. ताका बेसबरी मराठी येताली आनी उर्दुतलीं चार उतरां. उबीं दोन वरां, वयरसकल अक्षरान अक्षर वाचून जातकर मागीर हेर कामांक ताणें भायर सरप. ताचें उलवणेंय जडजड. पोचादीक. राजकारणाचेर तागेलीं खासा मत्तां आशिल्लीं. फुडें इंग्लेज गेले तशें पाकिस्तान जालें. आनी मामूची तरा धपक्यांत बदल्ली. ताणें पयल्या फाराक तोपयेचेर हात घालो. माथ्यार गोंडो हुमकळूं लागलो. खाडामिश्यांच्या मामून तोंडार बदल करपा खातीर मिशांचेर वाखोर भोंवडायलो आनी मराठी सोडून म्हातारपणांत उर्दूचो ध्यास्त धरलो. पाकिस्तान जाली ताची पुण्यभूंय. आनी इतलेंय आसून म्हाड्डोळच्या जीवनांत मामू तो मामूच उरलो.

म्हाड्डोळच्यान दोंय दिकांनी जायांमळ्यांचो येवकार घेवन फुडें चलत गेल्ली ती एका उल्याची वाट काडिनाफुडें मंगेशीचो बंगलो लागता. ते सुवातेक बंगलो कित्याक म्हणटात तें कोणूच सांगूं नकळो. दांबरी रस्त्याक धरून मंगेशाच्या प्राकारांत वचपाची बरी अर्द मैलाची शेकानशेक पायण आसा. तशें पळेल्यार खंयच्याय बंगल्याकडेन वचपाचीशी वाट दिसता खरी. मंगेश म्हळ्यार बंगल्यांत

रावपी गिरेस्तच तो. म्हाजन तरी कितले ताचे! मंगेशाक कवतूक करून घेवपाची भारी हौस. केन्नाय जावं भेटीक वचात ताचे आनी कोणूय ना कोण आसतलोच थंय ताचें म्हात्म्य गायत.

पूण ह्या गिरेस्त देवाची सेवा करतां करतां कलेंत गिरेस्तकाय जोडली ती दिनान. पांडुमामाली सारंगी लोक विसरल्या जायत. पूण दिनाली तान विसरूंक नात. फुडें महाराष्ट्रांत दिनालो मास्टर दिनानाथ जालो, पूण चार पदां गांवन आणो वसूल करपी त्या आडसाट्या भुरग्याक कोण वळखना? मराठी माचयेवयल्या संगीतांत नवी क्रांत घडोवन हाडपी ह्या सुरेली गावप्यान बेगीन जिवीत सोंपयलें. पूण 'कल्पवृक्ष कन्येसाठी लावूनिया बाबा गेले' म्हणून किर्तिचो पर्वत चडटां चडटां लता, आशा बापायची खिणाखिणाक याद काडटा.

दिनाभशेनूच मंगेशाच्या कामून म्हाराष्ट्रांत लौकिक मेळयलो. आयतांतल्यान उतरां आनी तानी जशाच्यो तश्यो आयकतलो जाल्यार कामूराव मंगेशकारालें तबलें आयक अशें म्हणपाची चालच जाल्ली. सगलें जालें पूण मंगेशाच्या बाळुबुवालें नांव घेनासतना कशें जायत! भायले हरदास गोंयांत येतात कितले, आनी वतात कितलें, पूण आपलें तें आपलें न्हय जालां? आनी दामजील्या पेटी वाजोवपांत निबर व्यासंगी वृत्ती आसपावता अशेंच घडये म्हणू येत.

दादोचें
अनुसर्जीत साहित्य

* मरण
* बिहारचो उलो
* पेर
* वॉन्टेड
* झिंगू
* पत्राची उळशीक
* कर्तव्य

मरण

पाडूक मेल्लेंच जल्माक आयलें. ज्या वेळार त्या पाडकाचो तांबडोगुंज देह पांचव्याचार तणार पडलो, त्याच वेळार तातूंत जीव नाशिल्लो. पोटली कशी तें पडून आशिल्लें. थंय एकठांय जाल्लीं मनशां उठून उर्बी रावलीं आनी दुख्खान चुरचुरलीं. ज्या शेतकाराची ती गाय आशिल्ली, ताची बायल हुस्कारली आनी देवाचें नांव घेत दोन उतरां ती पुटपुटली. गाय व्हियेल्ली आनी तिगेल्या ह्या पयल्याच व्हितान, त्रास जावन लेगीत, पिशें लागिल्ल्यावरी ती एक सारखी हांबेवंक लागली. पांचव्याचार तणांत शिंगां रोंबून तिणें जमनीर घालून घेतलें. पाडका म्हऱ्यांत तोंड व्हरून ती ताका हुंगूंक लागली आनी परत हांबेली. त्या मेल्ल्या जिवाक आपले खरखरीत जिबेन ती चाटूंक लागली. शेतकाराची बायल तिका सांसपिताली. तिच्याय दोळ्यांत दुकां आयलीं. तीय जाल्यार एक आवय आशिल्ली.

ते गायेक आनीक एक कळ आयली आनी ते कळेन ती वळवळ्ळी. पाडका म्हऱ्यांतल्यान पयस वचून ती उबी रावली आनी मान सकल घालून लांब उस्वास सोडूंक लागली. थंय जमिल्ल्यांनी तिका एका शेताच्या कोनशाकडेन व्हेली. थंय मेरेर मान दवरून, जिवाचे घालमेलीन, आपलीच फाट ती शेंपडेन बडयत रावली.

लोकांनी त्या पाडकाचे दोंके धरून शेतांतल्यान ताका फरफरीत ओडून व्हेलें आनी दोंगराच्या कड्यावेल्यान दर्यांत उडयलें. खोल कडेक काळ्याकीट्ट एका तळपार आपटून त्या मेल्ल्या जिवाची विदर्णा जाली. पाडकाक व्हरतना शेतांत खड्डे पडिल्ले ते ताणीं पुरयले. शेतकाराचे बायलेन पातळ खिचडी करून गायेच्या मुखार दवरली. तिणें मात लेगीत खिचडेक तोंड लायलें ना. थंय आशिल्ल्या लोकांनी तिका खावोवपाचो यत्न केलो. तिका रूचच नाशिल्ली. तोंडांत भरिल्लो

घांस जशाक तसो परतो भायर सरतालो.

उप्रांत सगळे घरा गेले. ती बायल मात गायेसारकीच त्या मेल्ल्या पाडकाची याद काडीत थंयच बसून रावली. बरोच वेळ मेरेन ती गाय एका जाग्यार थीर पळेत रावली. कळो उण्यो जाल्यो तशी ती उठली. मात्शी धांवली आनी परत थांबली. फाटल्या फुडल्यान तिणें पळोवन घेतलें. तिका कोण्ण एक दिसलो ना. हांबे हांबेत ती शेताच्या कुणग्यां कुणग्यांनी भोंवूंक लागली. तिका जाय तें दिसलें ना. ती हांबेली. तिका जाप आयली ना. कितेंय तरी शेणलां अशें तिका दिसलें. ती चवताळ्ळी. दोळे तांबडेगूंज आनी भयांकृत दिसूंक लागले. हुंगहुंगत, फातरांक आपटत-आपटत ती चलपाक लागली.

अखेरेक तिका जाय आशिल्लो तो जागो मेळ्ळो. त्याच जाग्यार तिका वेणो आयिल्ल्यो. थंयच एके देंवतेर तिच्या देहाच्या ओज्यान बागवल्लें तण तिका दिसलें. पांयांच्या गेतांनी मदीं मदींच तण हुमटून गेल्ल्यान हळडुवसार माती दिसताली. ह्या जाग्यार तिणें पाडकाक जल्म दिल्लो. ज्या जाग्यार पाडूक पडिल्लें तो जागो तिणें पळोवन घेतलो. तोंड म्हऱ्यांत व्हरून तिणें वास घेतलो. तणार ओले दाग आशिल्ले. तिणें क्रुद्ध नदरेन हेवटेन तेवटेन पळेलें आनी पाडकाक फरफरीत ओडून व्हेल्ले वाटेन माग घेत ती चलपाक लागली. शेताचे कडेक येवन ती मात्शी थांबली आनी ती वाट खंय गेल्या म्हणपाचो सराव घेवंक ती उबी रावली. फुडें वाट सारकी नाशिल्ली. तशीच ती फुडें वचूंक लागली. आड्याच्या फातरांक लागून तिगेलें आंग खरचटलें; तरी ती थांबली ना. फुडें वचत रावली. हांबे हांबेत नेटान ती धांवपाक लागली. वाट पळेनासतना धावंक लागली. धांवतां धांवतां एके खळयेंत लवंडली. तिणें तोल सांबाळ्ळो. आंग मात्शें सोल्लें. तिका पर्वा नाशिल्ली.

ते देंवतेवेल्यान पडत-पडत ती दोंगरावेल्या एका उंच खडपार पावली. दर्याची गाज आयकून ती मात्शी भियेवन फाटीं सरली. सकयल ल्हारां दुदाची साय कशीं दिसतालीं आनी जीव-काड्या आवाजान खेळ खेळत, तळपांर येवन आपटतालीं. ल्हारांच्या आवाजाचो वास घेत, भिये भियेत तिणें पावल फुडें घालें आनी त्या खडपाच्या तोंकार येवन ती थारली. फुडें पांय घालपाक वेंतभर पासून जागो नाशिल्लो. जाल्यारूय थंयच्यान सकल तळपार पडिल्लें तिगेलें पाडूक तिका दिसलें. हुंगहुंगत राविल्ल्यान पाडकाच्या म्हऱ्यांत पावत आयिल्ले

भशेन तिका दिसतालें. पाडकाचो वास घेवपाचो ती यत्न करताली, पूण खारो वारोच तिच्या नाकांत भरतालो. दोळे मोठे करून तिणें पळेलें. तिची खात्री जाली, की पाडूक चड पयस नाशिल्लें.

खोशेन ती मात्शी फाटीं सरली. सकल पाडका म्हऱ्यांत वचपाची वाट सोदूंक लागली. हेवटेन तेवटेन ती घुंवली. तिका खंयच्यानच वाट दिसली ना. परत ती खडपाच्या तोंकार येवन रावली. पांयांक पांय आपटताले. तिणें फुडले पांय दोन आंगळां फुडें घेतले. मुखार कुसभर पासून जागो नाशिल्लो. आनी थंयच्यान कांय फूट सकल तळपार पडिल्लें तिगेलें पाडूक तिचे नदरेक पडटालें.

हालं-धोलं नासतना, पिशें लागिल्ल्यावरी पाडकाकच ती पळेत रावली. उप्रांत एक सारकी हांबेली. पाडकाकडल्यान तिका जाप आयली ना. तळपाच्या चारय वाटांनी भरतेचें उदक तिका दिसतालें. पाडकाक सांगपाक ती पर्थून हांबेली. एका फाटल्यान एक अशें ल्हारार ल्हार पाडकाच्या आंगार चडपाक लागलें. पाडकाक जागोवंक ती आनी एक खेपे हांबेली.

त्याच वेळार एक मोठें ल्हार आयलें आनी तळपार आशिल्ल्या पाडकाक उदकांत घेवन गेलें. हें पळेंना फुडें ती थारली ना. आपुणय येतां म्हणपाचें कळीत करूंक ती मोठ्यान हांबेली आनी एकदम तिणें उडी मारली.

❁

(लियाम ओल्फॅहर्टी हांचे 'धी काव्हस डेथ' हे इंग्लेज काणयेवेल्यान)

बिहारचो उलो!

भयांकृत दुकळाक लागून लाखांनी लोकांचे जे सुवातेर निखटे हाडांचे सांपळे जाल्यात त्या बिहारच्या प्रदेशापासून दामोदर व्हॅली कॉर्पोरेशनान बांदिल्लीं व्हडलीं व्हडलीं धरणां वा बांद चड पयस नात. कांय सुवातांनी तर हे हाडांचे सांपळे हालूंक लेगीत शकनांत. कांय लोक तर मरणाची वाट पळयत आसात.

तिलय्या धरण तर ह्या दुकळाची बादा जाल्ल्या बुद्धगया जिल्ह्याथावन तीस मैलांपरस उण्या अंतरार आसा. कोनार धरण पन्नास मैलांर आसा. दक्षिणेक तीस मैलांचेर बोकारो आसा. अशें आसून लेगीत बुद्धगया आनी पलामाउ ह्या दोन जिल्ह्यांत हजारांनी मनीस तानेन आनी भुकेन वळवळटात. तांच्या वळवळ्यांचीं वर्णनां करपाक उतरां उणीं पडटलीं.

अशा ह्या थळार हांवें पांचशें मैलांची भोंवडी निकतीच सोंपयली. सुकून गेल्ल्या आनी फकत मातयेचीं दिफळा दिसतात अशा ह्या प्रदेशांत मदींच खंयतरी पांचवोचार कुडको दिसऽ. मको वा कसलेंय दुसरें धान्य नाका त्या वेळार थंय पिकोवंक घाल्लें दिसऽ.

शेतकारांनी बांयों खणल्यात आनी उदकाची मांडणी करून घेतल्या. भुंयेभितर उदक आसा. कांय कडेन ३० फूट नाल्यार हाचे परसूय उणे खोलायेंत उदक मेळटा. तरी पूण गेल्ल्या कांय वर्सांनी सरकारी लोकान मोट्या मोट्या धरणांच्या बांदावळीचेर लक्ष लायलें. कित्याक तर भारताच्या घायांक होच एक बरो उपाय अशें ताणी मानलें. एका ल्हान आसपावाच्या कामाखातीर उदकाची मांडणी करप तांकां कमीपणाचें दिसलें. सरकारान बसयल्ले हातपंप कांयकडेन हांवें पळयले. कांय पंप सुर्वेकसावनूच चलनाशिल्ले तर कांय पंप बसयले उप्रांत थोड्याच दिसांत मोडले. बिहारांत हांवें कितें पळयलें हाचीं वर्णनां करचे आदी आयचे कठीण आवतिकायेचें मूळ जाणा जावंक जाय.

बिहार हें भारतांत लोकसंख्येचे नदरेन दुसरें व्हडलें राज्य. ह्या वर्साच्या मार्चांत बिहारची लोकसंख्या ५ कोटी ३० लाख आसली जावंये असो अदमास आसा. दर चौखण्या मैलाक सरासरी ६९४ मनीस अशें हें प्रमाण आसा. सगल्या भारतांत हें प्रमाण ३५८ आसा. तिरहूत सारक्या कांय जाग्यांनी लोकसंख्येचें प्रमाण दर चौखण्या मैलाक ११२७ पडटा. बिहारांतले २५ टक्के लोक आदिवासी, हरिजन आनी भूय्यान जमातीचे. अर्थव्यवस्था गांवगारी. ९२ टक्के लोक खेड्यांनी रावतात. भारतांत हें प्रमाण सरासरीन ८० टक्के आसा.

गेल्ल्या वर्सा देसांतलें भयांकृत अवर्शण बिहारांतूच जालें. १९६६ च्या पावसाळ्यांत हांगा ५९१ मिलीमीटर पावस पडलो. हरशीं हें प्रमाण आर्दी १०६१ उरतालें. उत्तर बिहारांत जायतेकडेन हुंवार आयले. गया, पालमाव आनी हजारीबाग ह्या जिल्ह्यांक आनी दरभंगा, सुजाफरपूर, भागलपूर आनी सराणा ह्या भागांक दुकळाचो चड मार लागलो. राज्याची सगळे मेळून ५८७ गटांत वांटणी केल्ली आसा. दर एका गटांत १०० गांव आसात. सुमार २७० गटांत भाताचें पीक २५ टक्के लेगीत आयलें ना. १३४ गटांत २५ टक्के आनी ५० टक्के हांचे भितर आयलें. सुमार ४८००० खेड्यांनी पीक अर्दापरस उणें आयलें. हांतल्या ३२२२७ खेड्यांनी २५ टक्क्यांपरस उणें आयलें. ह्या दुकळाच्या ४५००० चौखण्या मैलांच्या वाठारांत ८३०० खेडीं आसात जांची लोकसंख्या ३ कोटी ३० लाख भरता.

बुद्धगया जिल्ह्यांत दानपूर खेड्यांत हांव गेलों. ह्या खेड्यांत फकत एकल्याच शेतकाराचें कुटुंब रावता म्हणपाचें म्हाका कळ्ळें. बाकीच्यांनी गांव सोडला. शेतकाराचें नांव महावीर. ताची बायल, तिगां भुरगीं आनी तो, इतलीं मनशां थंय रावतालीं. महावीराक भूदान आंदोलनांत तीन बिघे भूंय मेळिल्ली. ताणें उप्रांत एक बांय खणली आनी भूंय पिकोवंक लागलो. एक म्हस आनी कांय बोकड्यो ताणें पोसल्यो. आपले भोंवतणी स्पश्ट देखाव आसून लेगीत, सूर्यान भूंय भाजून करपिली आसून लेगीत आनी भुंयेर एक पांचवो पटो नदरेक पडना आसतना लेगीत महावीर भुंयेची जतनाय काडी.

दानपूर थावन कांय मैलांचेर सोब नांवाचो गांव आसा. लोकसंख्या ३२०० हांगा बिहार रिलीफ कमिटीन २१४ कुटुंबांक खोटले करपाच्या वावराक लावन तांची पोटा-पाण्याची वेवस्था केल्या. ३ खोटल्यांक १६० पयशे मेळटात. पूण

खोटल्यांक आतां मागणी ना आनी तांचो सांठो मात वाडला.

ह्या गांवांत सुमार १२ हजार गोरवां मेलीं वा मांसाखातीर मारलीं अशें म्हाका कळ्ळें. २५ पयशांक किलो हे दरेन म्हाका तांणी मांस दिवपाचें केलें. नन्हा नांवाच्या एका शेतकाराची काणी कितें आयकुची! तागेल्या कुटुंबांत १२ मनशां आसलीं. तांकां पोसप ताका जड वचूंक लागलें. कांय जाणां कोळशाचे खाणीचेर वावर करूंक धनबादेक गेलीं. पूण वावर मेळ्ळो ना म्हुण परतुचें पडलें. आतां तीं बांदांचेर काम करतात आनी दिसाक एक रूपया प्रमाण जोडटात.

हांगा कांय जेवणां-घरांय चलयतात. अपंगूळ वा भुरग्यांखातीर हांगा खिचडी वांटता. खिचडेंत कांदो, चणे, मिरसांगो, मीठ बी आसता. बैजनाथपूर नांवाच्या खेड्यांत म्हाका पलगुणा नांवाचो एक शेतकार आनी ताची बायल दखय्या मेळ्ळीं. तांकां पांच पोरां आसात. ल्हान भुरगीं फटी मारिनात. दोळे खोल गेल्ल्या आनी सांपळ्यावरी दिसतल्या ह्या काकुळटवाण्या भुरग्यांनी म्हाका सांगलें कि आदल्या दिसाचे सांजे सावन तांकां खावंक कांयच मेळूंक ना. आदल्या दिसा तांणी महुआचीं फुलां उकडून खाल्लीं.

लागींच भूय्यान जातींतलें एक कुटुंब रावता. घरांतल्या जाणट्याचें नांव आसा सानीचार. ताणें सगळ्यो गायो आनी बोकड्यो विकून उडयल्यात. २० मार्च सावन ताणें रेशन घेवंक ना अशें ताच्या कार्डावयल्यान दिसता. भुरग्यांच्या सांगण्याप्रमाण तांची आवय घर सोडून कलकत्त्याक गेल्या.

ही मंडळी आतां महुआ फुलांचेर जियेता. उपासांनी मनीस मेल्ल्याची खबर पयले फावट म्हाका हांगाच मेळ्ळी. एके खोंपींत नूरमही नांवाचो मनीस रावी. पोटांत अन्न नाशिल्ल्यान तो मरणाचे देगेर आसलो. ताची सुदबुद गेल्ली. उस्वास लेगीत थांबला काय दिसऽ. तागेली नाडी पळोवप म्हणचे ताचीं फकाणां मारपासारकें जावपाचें. ताका जितो राखप हाताभायलें जावन आसलें. थंय कसलेंच साधन नासलें.

मेसोदी नांवाच्या खेड्यांत लोक महुआ फुलांचेर आनी लिंबावरी दिसतल्या गुल्लार नांवाच्या एका रानवट फळाचेर जगतात. भारोनथू नांवाच्या एका वावराड्याक पयशे नाशिल्ल्यान आठ मार्चसावन रेशन हाडूंक मेळूंक ना. तागेल्या घरांत सगळीं पांच जाणां आसात. तागेले बायलेन, सुंद्रीन म्हाका सांगलें की तांगेल्या तिगांय भुरग्यांले, सचदेव, सुखदेव आनी बारमी हांचे बद्द सांपळे जाल्यात.

तीं चड दीस जगपाची आस्त ना. गांवांतलीं सात मनशां उपासान मेल्ल्याची खबरूय तिणें म्हाका दिली.

बिहारी जनतेक फकत दुकळाकूच न्हय तर तरांतरांच्या त्रासांक तोंड दिवचें पडटा. गया जिल्ह्यांतल्या जोगिया नांवाच्या खेड्यांत एका भाटकारान ४० हरिजन कुटुंबांकडल्यान जबरेन जमनी ताब्यांत घेतल्यो, तांगेल्या खोंपींक उजो घालो आनी तांकां धांवडावन घाले. कामौती ह्या नांवान पाचारतले रविशेप्रमाण हीं कुटुंबां मानायपणाक ह्या भाटकाराकडेन आसलीं. हे रविशेप्रमाण मानायाक तागेल्या लग्नावेळार २५ रुपया आनी ताडीचो एक हांडो मेळटा. उप्रांत ताणें जल्मभर भाटकाराली भूंय फुकट कसची पडटा.

जोगियांतल्या ह्या ४० कुटुंबांनी हे रविशेआड आवाज काडलो. देखून भाटकारान हो उपाय घेतलो. हीं कुटुंबां आपणाल्या आयदनां–मुस्तायके सयत बिहार सरकाराल्या रानखात्याच्या एका पाड्या जाग्यार येवन रावलीं. सरकारी रान खात्यान तांचेर 'सांगतासतना भितर सरलीं' हो आरोप दवरून तांकां बंदखणींत व्हेलीं. तांचो निवाडो करचो सरकारी बेत आसलो. ह्या लोकान बिहार रिलीफ कमिटीकडेन संपर्क जोडलो. उप्रांत रानखात्यान तांकां सोडले आनी त्या जाग्यार रावंक मान्यताय दिली.

पालमिरा झाडांच्या पानांनी आनी तणान शाकारिल्लीं तांगेलीं घरां आमी पळयलीं. बिहार रिलीफ कमिटी तांकां दुकळाक लागून चलता त्या लागशिल्ल्या वावरार दिसवडो दिवपाच्या यत्नांत आसा. तुर्ताक हो लोक महुआ फुलांचेर पोट भरता. हे नवे वस्तीक ताणी 'जोगिया मुक्ति' अशें नांव दिलां.

कोविकाला खेड्यांत एक आगळोच देखाव दिसता. २०० लोकांचें हें एक ल्हान खेडें. इल्ल्याशा फाटबळान साप्प खालते परिस्थितींत लोक कसो तग धरता हाची हांगा देख मेळटा.

आदीं जंय एक ल्हानसो खड्डो आसलो थंय थंयच्या लोकांनी बांय खणली. हांगा भुरग्यांक दोन ओंसां अन्न दिवपाची मांडणी केल्या. कॅर संस्था तांकां दूद दिता.

खासगी संस्थांवरवीं हांगा जें पालवाचें काम चल्लां तातूंत बिहार रिलीफ कमिटी वांगडा कॅथोलीक रिलीफ सर्विसेस हांचोय बरोच वांटो आसा. कॅथोलीक रिलीफ सर्विसेस ४ लाख लोकांक जेवण दिता.

कोविकाला खेड्यांत पावस ना, शेतां नात आनी अन्नूय ना. गोरवां मेल्यांत वा विकल्यांत. लोक हो गांव सोडून वचूंक लागिल्लो. त्या वेळार बारा वर्सां पिरायेची एक शांती नांवाची चली आनी तिची भयण फुडें आयली आनी तांणी बिहार रिलीफ कॅमिटीच्या एका कार्यकर्त्याक सांगलें की आमकां खोटले विणूंक येतात.

हे गजालीन ह्या गांवाक एक नवो मार्ग दाखयलो. जंय मरण जण एकाक भेश्टायतालें थंय आस्त आनी जीण नव्यान फुलूंक लागली.

कांय मैलांचेर दनिरी नांवाचें खेडें आसा. ह्या खेड्यांत मातयेन बांदिल्ली पूण पालमिरा पानांनी शिंविल्ली एक खोंप आसा. हे खोंपीक स्टेवे भवन ह्या नांवान वळखतात. स्कॉलरशीप मेळिल्ल्या, भायल्या देसाच्या, स्टेवे मिनिकेन नांवाच्या बावीस वर्सांच्या एका हुशार भुरग्याचें नांव हे खोंपीक दिलां. दुकळाचे सुर्वेक ह्या खेड्यांत भोंवन ताणें भुकेन फडफडटल्या मनशांची आनी गोरवांची खबर पुंजायली. स्टेवे भवनांत सात सप्तकां रावन ताणें लोकांक तांकता ती मदत दिली. तानेन आनी भुकेन फडफडटले जनते मजगतीं रावपी आनी आपणाक तांकता ती मदत दिवपी मिनिकेन हो एकलोच भायलो नागरीक न्हय. वेगळ्या वेगळ्या संस्थानिसबतीं बिहारच्या ह्या दुकळान पिडिल्ल्या सुवातांचेर ब्रिटीश, फ्रेंच, जपानी आनी हेर कार्यकर्ते आपणाल्या सुखाची पर्वा करिनासतना सेवावृत्तीन कार्य करीत आसात. ह्या भागांनी कांयकडेन देवीची आनी कॉलराचीय साथ सुरू जाल्या.

जांव्री खेडें त्या मानान बरें फुडें सरलां. ह्या खेड्यांत वीज आयल्या. रजपूत, बामण, भुय्यान आनी हरिजन हांगेलीं सुमार ५० कुटुंबां ह्या खेड्यांत रावतात. लागींच एक व्हाळ आसा. पंपांतल्यान उदक काडून हांगा शेतांनी पावोवपाची वेवस्था आसा.

ह्या खेड्यांत रावतले म्हाका सांगूंक लागले की गेल्या वर्सा आमी कांयच पिकोवंक ना. पूण ह्या वर्सा पंप मेळिल्ल्यान कांय जमीन आमी रोवंक घेतल्या. ह्या खेड्यांत सात बांयों खणल्यात आनी ते वरवीं २६ एकर जमीन भिजयतात. पंप आशिल्ल्यान १० एकर जमनीक उदकाची पुरवण करूंक मेळ्ळ्या. ह्या खेड्यांत ११०० एकर जमीन आसा. पूण थंयच्या लोकांक ही सगळी जमीन पिकावळीक वापरूंक तांकना.

मातयेच्यो वणटी आसात अशा वीस खोंपींनी वसयल्लें सागरपूर नांवाचें एक

खेडें आसा. ह्या खेड्यांत सरकारान एक हातपंप बसयला. हो पंप सारको नाशिल्लो अशें कळटा. दोन दिसांत ह्या पंपाचें हँडल मोडलें. सारकें पळयतकीर कळ्ळें की हँडल आदींच वेल्डींग केल्लें आशिल्लें. देखून हो पंप रोखडोच मोडलो. ह्या पंपाची दुरुस्ती मागून लेगीत सरकारी लोकान कानामनार घेवंक ना.

बिहारच्या पिडिल्ल्या वाठारांत सरकारान सगळीं मेळून २५००० कामां सुरू केल्यांत. ह्या वावरार ३.१५.००० वावराडे आसात. अडेच लाख बांयों खणपाच्यो, १६००० डिझल आनी १२००० विजेचेर पंप बसोवपाचे आनी ३००० खासगी नळ-बांयो (Tube wells) बसोवपाची मांडणी जाल्या.

सरकारान मांडणी केल्या अशें जरी म्हाका कळ्ळें तरी ह्या दुकळाच्या वाठारांत हांव भोंवत आसां पूण पंप, बांयो आनी उदक सगल्याक दिवपाची आंखणी केल्या म्हणटात ती म्हाका जाल्यार जाणवूंक ना.

(टायम्स ऑफ इंडियाचे श्री. सुधाकर भट हांच्या लेखाच्या आदारान – नवें गोंय)

पेर

ह्या जगांत तो म्हजो सगळ्यांत अपुर्बायेचो आमीग आशिल्लो. तो चड लांब नाशिल्लो. रंग काळो, पोले पडिल्ले, वोंठ फिके पूण जेन्ना तो हांसतालो तेन्ना मात ताका पळयन पळयन दिसतालें. ताच्या दोळ्यांतल्यान एक तरेची चकचकसाण भायर ओतताली. ताचें नांव आशिल्लें देवू. आमगेलें घरचें काम करपी तो चेडो. ताची पिराय आसत सात वर्सां, चड तर आठ. हांवूय ताचे बरोबरचोंच आशिल्लों.

आमच्या घरा मुखार एक पोरसूं आशिल्लें. पोरसांत एक ल्हानशी बांय आशिल्ली. ते बांयचे देगेर बसून म्हगेली व्हडली भयण आपल्या घोवाच्या हातांत हात घालून सुर्याकडे पळेत रावताली. मावळुपी सुर्य किरणांत हीं जाण्टीं मनशां सोदतात तरी कितें? म्हाका तरी कांय कळना.

आमच्या पोरसांत सफरचंदां आशिल्लीं. डाळमां, तोरगां, केळीं, बोरां सगळे सगळे तरेचीं फळांचीं झाडां आशिल्लीं. थंडेच्या दिसांनीं ह्या झाडांक फुलां येतालीं आनी ह्या फुलां पासून जेन्ना चोंय दिको वासान घमघमताल्यो तेन्ना आशीनाशिल्लीं धाकटुलीं फुलपाखरां आमच्या पोरसांत आयले शिवाय रावऽ नाशिल्लीं. आमच्या पोरसांत कितें म्हणून नाशिल्लें?

हय, नाशिल्लें. आमच्या पोरसांत पेरीचें झाड नाशिल्लें. तशीं खड्डीं पेरांचीं झाडां खूब आशिल्लीं. गोड लागपी आनी रूच येवपासारकीं दिसपी अशीं पेरां आमगेर मेळनाशिल्लीं. आंबो कशीं दिसपी पेरां आमच्या गांवच्या भाटकाराल्या कुळागरांत मेळटालीं तसलीं जगांत दुसरेकडेन खंयच मेळनाशिल्लीं.

डोंगरी झऱ्यांतल्यान येवपी उदक एकठांय व्हाळ कसो जावन भाटकाराल्या कुळागराक तेंकून व्हांवतालो. व्हाळांत न्हावपाखातीर हांव आनी देवू जेन्ना थंय वताले, तेन्ना हडवीचार आनी आंबो कसो दिसपी हीं पेरां पळोवन तोंडाक उदक

सुट्टालें.

कितलीं सुंदर आशिल्लीं तीं! वयली साल कितली निवळ! फिकट हडवसार रंग आपल्या पोल्याचेर फाफडावन वाऱ्याच्या नेटार हांसत हांसत खिदळटालीं. पेरीचे झाडार पयलीं धवींच फुलां जावप, नंतर आनी कांय दिसांनीं फुलां पडप आनी पांचवींचार बोरां कशीं दिसपाक लागप. नंतर मोठीं जातालीं आनी जेन्ना रंग तातूंत भरता म्हणसर एक दीस सगळे खांदे रिकामे दिसताले. तेन्ना आमी समजताले गोड पेरां भाटकारागेर व्हेलीं आनी व्हाळांत पेंवतां पेंवतां हांव आनी देवू त्या रिकाम्या खांद्यांकडेन मात पळेत रावताले. आमच्या नशिबांत असलीं गोड पेरां खावपाचें नाशिल्लें काय?

एक दीस मात म्हज्यान तीं पेरां पळोवन राव नजो जालें. पेंवतां पेंवतां देवूचेर उदक शिंपडायत हांवें म्हळें "चल. भाटकाराल्या कुळागरांत वचून आज तीं पेरां हाडपूच."

देवू भिलो, आनी भीत भीत म्हाका म्हणूंक लागलो. "भाटकार बांदून घालतलो."

"भाटकार तर आपल्या बंगल्यांत आसतोलो मरे पिश्या."

"तर भागेली आसतोलो. तुका खबर ना, तो भागेली म्हळ्यार म्हारू अवचिन्न तें."

"तो आनी कित्याक येता हांगा ह्या वताच्या कडार! मरूंक! हे वेळार तो न्हिदून गोरेता आसतोलो"

"छे, खंयच्याय झाडापोंदा आसतोलो झेम काडीत" एक सेग्रेद जशी सांगूंक जाय तशी म्हाका देवून सांगली. "म्हगेलो बापूय सुद्धां एका भाटकारालो भागेली आसा. तोय असोच लिपून बी बसता."

व्हाळांतल्यान देगेर येवन भाटकाराल्या कुळागाराच्या आड्याकडें पर्यंत वचून हांवें म्हळें, "देवू, तूं मरे सामको भित्रो! भितर येवपाक भिता?"

"आरे, आमकां ते पकडटले." देवून जाप दिली.

"तूं येता काय ना?" हांवें धेंकसणायलो. उडी मारून देवू म्हजेसरीं आयलो आनी काष्टी सारकी बांदून म्हणपाक लागलो, "कोण भिता? हांव काय तूं?– भितर वचून उलय!"

इतलें म्हणून तो त्या आड्यावेल्यान उडी मारून भितर सरलो. ताचे फाटोफाट

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY MANGALORE

हांवूय गेलों. हरण जशें उडी मारता तशे तरेन आमी बेगीन बेगीन झाडार चडले. आनी भराभर बोल्सां भरलीं. मात पयलें पेर आमी बोल्सांत उडय नासतना दातांनीच धरलें. एका फाटल्यान एक खादयो हालूंक लागल्यो. आमीं हाडिल्ली पिशवी सुद्धां भरली आनी आमी सकयल देंवले. आमचें मन जितलें व्हड आशिल्लें तितली जर आमगेली पिशवी आशिल्ली जाल्यार–

"चल वचूंया आमीं आतां" देवून म्हाका दाटायलो.

पूण म्हजी अधाशी नदर दुसऱ्या झाडाचेर गेली. हांवें म्हळें, "देवू, केदीं मोठीं पेरां आसा पळे मरे ह्या झाडार!"

"भागेली येतलो पळे" देवून परत दाटायलो.

"भागेली मार झकं"हांवें जाप दिली.

"भाटकार येतलो."

जाप दिना आसतना हांव हांसलों. म्हजा वोंठांक पेराच्या रोसाची चटक लागिल्ली. हांव तांची कोणाचीच पर्वा करिनाशिल्लों "तर आमी हीं काडल्यां तीं पेरां लिपोवन दवरूया आनी तीं काडपाक लागुया." देवून म्हळें–

लागींच आशिल्ल्या पणसाचे धोलींत जर आमी दवरूपाक वचत तर एक हात देवूचे मानेर पडलो आनी दुसरो म्हजेर. देवचारा सारको, काळो किट्ट बेरड भागेली आमच्या मुखार आमकां दिसतालो. आमी चोरपाक आयिल्ले हें समजुपाक ताका वेळ गेलो ना. आमचें तोंड सांगतालें आनी उप्पाट पेरांनी भरिल्ल्यो पिशव्यो ताका स्पश्ट सांगताल्यो.

आमी रडपाक लागले. दोळ्यां मुखार दिसपी व्हाळ जसो व्हांवतालो तशींच आमच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतालीं. भागेल्यान आमकां व्हरून भाटकाराल्या एका लॉजांत बंद करून घाले.

गांवांत सगळेकडें उज्यासारकी ही खबर फांफावली. भाटकाराल्या कुळागरांत चोर घुसले. पेरां चोरलीं. अजून मेरेन कोणाकूच भाटकाराल्या कुळागरांत पांय दिवपाची कापाजदाद नाशिल्ली. पूण हें एकदम जालें कशें?

लोकांक एक विशय मेळिल्लो आनी एक नविदाद जाल्ल्यान लोक झुड्यानीं आमकां पळोवपाक येताले आनी आमकां पळोवन तर तांकां चडूच अजाप दिसतालें–दोन येर्दीशीं पोरां– उगडीं–एकट्यान एक पिजाम घाल्ली तर दुसरो काश्टी न्हेशिल्लो.

एक वर जालें, दोन जालीं, जेन्ना तीन वरां जावंक येतालीं तेन्ना दार करकरलें आनी म्हजे आवयक घेवन बापूय भितर सरलो. आई रडतच म्हजेसरीं येवन मुसमुशीत रडूंक लागली. म्हजी पापी घेतली. हांवूय रडूंक लागलों आनी देवूय.

म्हगेलो हात धरून बापूय म्हणूंक लागलो, ''चल घरा वचुया.''

बापाय वांगडा हळुहळू हांव वचूंक लागलों. देवू धांवत धांवत म्हगेल्या बापायसरीं येवन पांयां पडूंक लागलो आनी रडत रडत म्हणूंक लागलो, ''धनया, म्हाका व्हरना?''

बापायन फाटल्यान वळून देवूचेर एक खोंट मारली. बुटांची खोंट पडनाफुडें वळवळून वण्टीक आपटल्लो देवू परत उठलो आनी म्हगेले आवयसरीं वचून तिका सोड म्हणून विनोवंक लागलो. म्हजे आवयन देवूचेर एक मुस्कटार दिलें आनी म्हणूंक लागली, ''चोर, फटींग खंयचो, म्हगेल्या पोराक वायट वायट म्हण्टा तें शिकयलें.''

''हेच खातीर हांव तुका परत परत सांगतालों, देवू वांगडा खेळूंक नाका. पूण म्हजें तुका पटलें ना, तुवें आयकलें ना.'' बापायन म्हजेर धेंगसो घालो.

देवू सांजवेळ जाली तरी पूण येवंक नाशिल्लो. देवूचे आवयन आपली आशिल्ली भांगराची सरपळी घाण दवरून पुताक सोडोवन हाडलो. तो दिसनाफुडें हांव धांवत ताचेसरीं गेलों आनी म्हळें–

''देवू, चल खेळुंया मरे!''

तो गप्प रावलो. ''देवू, चल गड्ड्यांनी खेळुंया आमी'' तरीपूण मात सुद्धा देवून वोंठ हालयले ना.

''देवू. म्हजेकडें उलोंवचो ना? म्हजे वांगडा खेळचो ना?''

रडत रडत आनी कश्टान देवूच्या तोंडांतल्यान उतरां फुटलीं.

''ना, खेळचोंना! तूं एका बामणालो चलो आनी हांव? ..... तुमगेलो चेडो.''

वॉन्टेड

वॉटर्लू स्टेशनाच्या सातव्या प्लॅटफोर्मार जॅनेट आनी हांव मोठमोठ्यान झगडलेलीं. ह्या प्रसंगा उपरांत आमी एकमेकांपासून जीं वेगळीं जाल्लीं तीं आतां अचानक पांच वर्सांनीं एकठांय जाल्लीं.

झगडल्या उप्रांत दोनूच दिसांनी ती 'रेन्सा'त गेली आनी हांव एकदम पूर्वेक वचून भुयारांत बसल्या बसल्या घडिल्ल्या प्रकाराचेर विचार करून तकलेक त्रास दिवंक लागलों.

गेल्ल्या कांय दिसांत हांवें जॅनेटाक लग्नाविशीं विचारपाचें मनापासून ठरयिल्लें आनी त्या दिसा वॉटर्लू स्टेशनार तर विचारपाचें नक्कीच जाल्लें, पूण मदल्यामदीं झगडें जाल्ल्या कारणान बेत सगळो फसलो. मनाक तडफडे पडूंक लागलेले. दोन तीन दिसां उपरांत हांवें ताका पत्र बरोवन विचारलेलें 'आमी झगडलेलीं तरी कित्याक?' झगड्याचें कारण हांव सामको विसरलेलों आनी तें येवजुपाचो हांव सामको परत परत विचार करतालों.

जॅनेटचें आनी म्हजें हें सदाउचेंच आसतालें. दर्याचे धवेफुल्ल रेंवेंत आमी भुरगेपणांत खेळटालीं. आनी जवळ-जवळ सदांच कितें ना कितें कारण काडून झगडटालीं. झगडीं इतलीं क्षुल्लक आसतालीं की तांतल्या एकासुद्धा झगड्याची म्हाका याद नासताली. म्हज्या मनाचेर हांवूच तडफडटालों. पूण फाटीं पयलीं कोण घेतलो? भुरगेपण जरी जालें तरी अभिमान हो प्रत्येकाक आसतालोच आनी म्हणून आमी एक युक्ती सोदून काडिल्ली. आमच्यापयकीं ज्या कोणाक तह (Pact) करचोसो दिसऽ ताणें दुसऱ्याच्या हातांत दोन गड्डे दिवप अशें आमच्या मजगतीं ठरिल्लें, आनी इतलें जालें की आमी एकठांय जातालीं. वोगीच मोठो मोठो वाद घालून आनी तरेतरेचे मुद्दे उपस्थित करचेपेक्षां हो आमचो विचार कितलोसोच बरो आशिल्लो.

भुरगेपणांतलो हो सरळपणा जाण्टेपणांत उरना आनी म्हणुनूच म्हज्या पत्राक जाप आयली ना आनी हांव सुद्धां लढायेच्या बोवाळांत सगळें विसरून गेल्लों.

लढाय सोंपली. देवाचे कृपेन आनी म्हजे काय सैनिक मित्रांबरोबर हांव धडधाकट परत आयलों. हांव कसल्याच संकश्टांत पडूंक नासलेलों, म्हाका अपघात कसलोच जावंक नासलेलो आनी इतलें आसुनूय लढायेचो परिणाम जो जावपाचो तो जाल्लोच. हांव मात्सो खडबडीत, गंभीर आनी मात्सो ओढलेलों सो दिसतालों. घरा येवन नोकरी बी पळोवपाचें सोडून; पयलीं मेळिल्ली 'ग्रॅच्युइटी' हांवें मजेन खर्चिल्ली.

आनी मागीर बेकारीचें भूत म्हज्या दोळ्यां मुखार नाचूंक लागलें. म्हज्यांत कसलीच कला नाशिल्ली आनी म्हाका खंयच्याच धंद्याचो गंध नाशिल्लो. म्हजें शिक्षण 'पब्लीक स्कुलां'त जाल्लें आनी युद्धाच्या जगांत हेच लायकीचेर म्हाका कोणूच विचारनाशिल्ले. म्हजो एकुलतो एक सोयरो– म्हजो बापोलयो हालींच म्हाका सोडून गेल्लो आनी ताणें म्हजे खातीर 'रसेल स्क्वॅरां'त एक घर बांदून दवरलेलें. आनी नशिबान तेंच एकुलतें एक घर युद्धाच्या वेळार बॉंब पडून नश्ट जाल्लें.

निमाणें हांव वर्तमानपत्रांतले 'वॉन्टेड' कॉलम वाचूंक लागलों. बऱ्या घराण्यांतलो आनी मात्शें शिक्षण आशिल्ल्यान मेळटा ती नोकरी धरपाक कमीपणा आसपाचो. पूण खंयच जर साध्य जालेंना तर असले मूर्ख विचार सोडून मेळटा ती नोकरी धरपाचें येवजिलें. मात प्रामाणिक आसतकच जालें. पूण जसजशी बॅंकेतली म्हजी रक्कम कमी जायत वचूंक लागली तेन्ना विचार मनांत आयलो. 'नोकरी प्रामाणीकूच कित्याक आसूंक जाय?' शेवटीं करतां करतां म्हजेकडें फक्त सात पौंड आनी आठ शिलींग येदी व्हडली (?) रक्कम आसतनां अकस्मात 'वॉन्टेड' मदली एक जायरात दिसली.

'जाय. पार्लरमन जाय. मोटार चलोवपाक येवपाक जाय आनी बारीक सारीक कामां करपाक जाय, भरपूर पगार.'

जायरात दितल्याचें नांव आनी पत्तो सकयल दिल्लो. म्हजेकडें सामान व्हडलेंशें नाशिल्लें. हांवें बेगीन बेगीन बॅग भरली आनी पॅडिग्रॅनाक वचपाक भायर सरलों. वाटेर अद्र्यारूच म्हाका दिसूंक लागलें कि एकदम वचप न्हय आशिल्लें. लेखी अर्ज पयलीं धाडपाचो हांवें. जागो पयलींच भरिल्लो जर आसत

तर म्हाका ह्या पिसांटाक ते हो खर्च तरी कशे दिसले? पूण आतां ताचो विचार करून कित्याक उपयोग? हांव वचपाक भायर सरिल्लोंच.

विचारांच्या भरांत आसतनाच बस थांबली आनी कंडक्टरान एका तांबड्या घराकडें बोट दाखोवन म्हाका सांगलें 'तुमकां जाय आसलेलें घर हेंच तें.'

बस सुटली आनी म्हज्या ह्या मूर्खपणाबद्दल लजेवन मान सकयल घालून त्या तांबड्या घराचे दिशेन वचपाची वाट धरली. तीं म्हज्या शिक्षणाबद्दल आनी काम खंय केल्ल्याची वासपूस करतलीं! आनी हांवें तर काम खंयच करूंक नाशिल्लें आनी म्हजेकडें म्हजें वळखपत्र आनी जुनो इश्कोलाचो युनीफॉर्म आशिल्लो तितलोच. चलतां चलतां मनांत दिसूंक लागलें की, आनी आनी कांय विचार करनास्तना सरळ परत वच्चें, पूण परत दिसूंक लागलें, घरा परत वचप म्हळ्यार हेंवूय एक मूर्खपणूच; त्या परस आतां जें कितें घडटा तें घडूं दी. विचार करून करून निमणों हांव त्या तांबड्या घराकडें पावलों. बटन दामून घराची बेल वाजयली.

साठ वर्सांचो सुमार एक जाण्टो मनीस दार उगडून भायर आयलो. तागेल्यो मोठ्यो, लांब मिशो आनी तुळतुळीत खड्डें पळोवन हांव मात्सो निर्शेलों. हांवें म्हळें ''हांव पार्लरमनच्या नोकरीखातीर आयलां, तो जागो अजून मेरेन भरूंक ना मूं?'

म्हजेकडें मात्शें फक्त दोन मिनीटां पळेलें आनी वयरसून सकयलमेरेन सारखो पळोवन घेतलो आनी म्हणूंक लागलो, ''यो भितर यो. म्हजें नांव मेजर जनरल क्रेस्क.''

'मेजर जनरल' हीं उतरां आयकतांच हांव मात्सो भियेलों आनी रोखडोच अॅटेन्शनाक उबो रावलों. पूण रोखडोच हांवेंच म्हाका सांबाळ्ळो. हांव कितें आतां मिलीटरींत ना. वोगीच भियेल्लों हांव.

जनरल क्रेस्क हांच्या फाटोफाट हांव एके धाकटेशे कुडींत गेलों. वोल्तेरार बसलां थंय मिसेस क्रेस्क म्हजेकडेन पळोवंक लागली. हांव कोण हें जनरल क्रेस्क हांणी तांकां सांगलें.

''नांव कितें तुमचें?'' मिसेस क्रेस्कच्या आवाजांत मात्शी काकुळटसाण दिसताली.

''जॉर्ज रेनम, मॅडम.'' हांवें सांगलें.

''पयलीं खंय काम बी केलां?'' मिसेसीन परत प्रस्न घालो.

''म्हजी पयलीच नोकरी, मॅडम. तेन्ना म्हाका असलो कांय अनुभव ना.'' हांवें म्हळें.

जनरल म्हजेकडें दोळे वटारून पळोवंक लागलो.

''हांव गेलीं स वर्सां मिलीटरींत आशिल्लों.'' हांवें सडसडीत सांगून सोडलें.

''खंय?'' जनरलान म्हाका विचारलें.

''बरमा, सर.''

''अशें?'' जनरलानी उस्वास सोडलो.

''तुका मोटार चलोवपाक येता?''

''यस सर.''

''पूण ह्या कामांत व्हडलीशी शिटुकसाण आसा? तुका मात्शें शिकचें पडटलें न्हय?''

''यस सर.''

''आयकलें'' मिसेस क्रेस्क म्हणूंक लागली. 'रेंमाक पांच मिनिटां पॅंट्रींत (special visiting room) बसूंदी. म्हणचे तो मेरेन आमकां ताचे बाबतींत उलोवपाक सवड मेळटली.''

जनरल म्हाका पॅंट्रींत घेवन गेले आनी ताणीं म्हाका कदेलार बसपाक सांगलें, ''चड वेळ तुका बसचें पडचेंना'' अशें म्हणीत ते परत गेले.

हांव ह्या विशीं विचार करतां आसतनांच म्हाका एकदम अजाप दिसलें. तांगेलें म्हजेविशीं उलोवणें म्हाका स्पश्ट आयकूंक येतालें. मिसेस क्रेस्क म्हणटाली ''आमकां ह्या मनशाची कांयच गरज ना. ताचेवीशीं आमकां कांयच खबर ना.''

''तागेलो मिलीटरींतल्यान रिपोर्ट मागोवया आमी.'' जनरल मदींच म्हण्टाले.

''दिसपाक तर सभ्य आनी बऱ्या घराण्यांतलो सो दिसता.''

''अशें कित्याक? पार्लरमनचे जागे खातीर फक्त सकल्या पावंड्यावेल्या लोकांनीच अर्ज करचो अशें बांदिल्लें आसा काय कितें?''

''पूण, डिअर, ताणें पगाराबद्दल मातसुद्धां वासपूस केली ना.''

''सभ्य मनशाचे दृश्टीन आसूं येत तें. स्वभावीकूच. पूण तूं एक सांग म्हाका, आमचे हे जायरातीक अश्शो कितल्यो जापो आयल्यात?''

‘‘पूण तो जर खरोच उंच पांवड्यावेलो आसत तर ताचेकडें आमकां वागपाक मात्शें कठीण वतलें.’’

‘‘तें सोड तूं आतां, एकदां म्हजो बॅटमन असोच बऱ्या घराण्यांतलो आशिल्लो. तातूंत कांय विशेश ना.’’

हें सगळें आयकून म्हाका भितर राव नजो जालें. तांचें उलोवप म्हाका चोरून आयकुपाक नजो जालें आनी तांकां वचून स्पश्ट सांगप म्हळ्यार म्हज्यांत तांक ना जाली. म्हाका सगळें आयकूंक येता हाची तांकां मातसुद्धा कल्पना नाशिल्ली. मिसेस क्रेस्क म्हण्टाली, ‘‘ताका सुरवातेक पासून सगळें शिकयत बसचें पडटलें.’’

‘‘पूण एका जाणा जाल्ल्या मनशाक घेवचे पेक्षां हो नवसुरोच बरो.’’ जनरल म्हजी बाजू घेतालो हें उगड दिसतालें. आनी तो जर खऱ्याच बऱ्या घराण्यांतलो आसत तर मार्थाबरोबर ताका वागोवपाक उलोवपाक कठीण वचचें ना?

आनी त्याच वगतार म्हज्यान नजो जावन हांवें ती खबरी करतालीं ते कुडीच्या दारार वचून खटखटायलें. जनरलांचो आवाज जालो, ‘‘भितर यो’’

‘‘हांव पांयां पडटां तुमकां सर, पूण तुमी आनी खंयूय वचून बसात नाजाल्यार म्हाकाच आनी खंयचेय कुडींत बसपाक सांगात. तुमचें सगळें उलोवप म्हाका पँट्रीत आयकूंक येता.’’

जनरल हांसत म्हजेकडे पळोवन म्हणूंक लागले, ‘‘बस्स ठरलें, हाकाच कामाक दवरपाचो. हें पळें रेनॅम, सप्तकाक चार पौंड. कशें कितें दिसता तुका? आनी तुका सामान बी हाडपाक जाय न्हय?’’

हांवें म्हजें सामान म्हजे वांगडा हाडिल्ल्याची तांकां खबर दिली आनी मागीर म्हजी नोकरी सुरू जाली. दोगांय घोवबायल स्वभावान बरीं मनशां आशिल्लीं. म्हजें काम हांवें रोखडें शिकून घेतलें. केन्ना केन्ना चुको जाताल्यो. पूण धनी-धनीण फक्त हांसून सोभोवन व्हरतालीं. म्हाका रेनॅम म्हणपाचें ताणी सोडून दिवन जॉर्ज ह्या नांवानूच तीं उलो करतालीं. इतलें जरी सगळें जालें तरी पूण तीं म्हाका पार्लरमन म्हणूनच वागयतालीं.

सांजेवेळां डिनर बी जावन केन्नाय हांव सिनेमा नाटकांक वतालों. पूण चडसो वेळ म्हजो मार्था वांगडा चकाटां मारूनच वतालो.

मार्था हें त्या घरांतलें एक पोन्नें चेडूं आशिल्लें. एक वेळ तर जेवण तें बरें करतालें. हांव मिलीटरींतल्यान बी आयलां म्हुण तें म्हाका बरे तरेन वागयतालें

आनी वेळ मेळटा तेन्ना आमी बुद्धीबळ (चेस) खेळटालीं. एकदां हांव ताका सिनेमाक घेवन गेलों. खंयतरी हॉलिवुडचें पिक्चर आशिल्लें. तातुंतलो 'रोमान्स' ताका कसो आवडटलो! 'असल्या हलकट सिनेमाक कायद्यान बंदी घालूंक जाय' अशें म्हणीत म्हणीत तें रागान गेल्लें. ताचे मागीर हांवें ताका खूब आग्रो केल्लो पूण तें तर केन्नाच आयलें ना.

एकूण म्हजे दीस बरे वताले. एक दीस मिसेस क्रेस्क म्हाका म्हणूंक लागली "जॉर्ज, आज रातच्या जेवणाक दोन सोयरे येवपाचे आसात. तेन्ना पावणे सातांक थोडी जीन-ऑरेंज मिक्स घेवन यो."

बरोबर सातांक वीस मिनटां आसतनां दारावयली घंटा (बेल) वाजली आनी तांकां येवकार दिवपा खातीर हांव फुडें सरलों. सोयऱ्यांक बसपाचे कुडींत घेवन येतना उजवाडाचेर तांचेर जेन्ना नदर पडली तेन्ना म्हाका अजाप जालें. एक देखणो आनी भुरगो चलो आशिल्लो आनी ताचे वांगडा जी चली आशिली ती आनी कोण नासून जॅनेटूच आशिल्ली. ताणें म्हाका मात सुद्धां वळखूंक नाशिल्लें. मात्शे वेळान हांवें तांकां तांचें नांव विचारलें.

'मिस रीडर' जॅनेटीन सांगलें. 'मिस्टर थार्प' ताणें जाप दिली. वयल्या उतरां मजगतीं 'मिस्टर आनी मिसेस थार्प' अशें जर उतर आशिल्लें तर हांव करतलों आशिल्लों कितें? कसो वागतलों आशिल्लों हें म्हज्यान सांगू नजो जालें आज. पूण तांचे हे जापेन म्हाका मात्शें बरें दिसलें.

वा! जॅनेट! आनी म्हाका दिशिल्लें हांव तिका सामको विसरून गेलां म्हुण! तें म्हाका वळखूंक शकलेंना हाचेबद्दल हांवें देवाकडें मनापासून उपकार मागले. दार उगडून सोयरे आयले म्हणपाची खबर दिवपाक हांव भितर गेलों.

पँट्रीत आयल्या नंतर हांवें म्हज्या कपलाक हात लावन पळेलो. हांव घामान चीप्प भिजून गेल्लों. काळीज धडधडटालें. आयचो हो दबाजो कसो पार पडत हाचेविशीं चिंता पडिल्ली. जॅनेटीन जर म्हाका वळखत तर कितें जातलें? पूण म्हजे हावभाव, उलोवपाची तरा तर सारकी ताका कळोवन दितली की तो हांवूच म्हणून. हांवें म्हजें रूप हारशांत पळेलें. पूण जो कितें बदल जाला तो म्हाका समजना जालो. ट्रेंत कॉकटेल-बिस्किट बी दिवन हांव परत भितर आयलों. धनी-धनीण म्हाका 'रेनॅम' म्हणपाचें सोडून जॉर्ज म्हुण उलो मारतालीं हें एके दृश्टीन बरेंच आशिल्लें. कारण जॉर्ज हें नांव खूब जाणांचें आसता. परत तांच्या

म्हऱ्यांत गेलों. मिस्टर थार्प हांकां बरोऽ पळोवन घेतलो. ह्यो नाजाल्यार त्यो अश्यो नाका जाल्ल्यो गजाली मनांत येवपाक लागल्यो. तांचें लग्नाचें बी ठरूंक बी ना मूं? हांव एक हांगा नोकर. म्हजो हे गोश्टीकडें संबंद. तरी पूण म्हजी तकली जाग्यार नाशिल्ली. रांदचे कुडींत वतनांच मार्थाचो उलो म्हाका आयकूंक आयलो. ''जॉर्ज सूप तयार जालो. व्हर तो.''

भरिल्ले ग्लास घेवन हांव तांचेसरीं गेलों. जॅनेट म्हाका वळखत म्हणपाचो म्हाका भंय दिसतालो. जॅनेटसरीं हांवें सुप-कप व्हरून दवरलें. जॅनेट आजुनूय तोच ताचो आवडटो चेर वापरतालें. वास घेनाफुडें मन म्हजें त्रासलें.

जेवता आसतना तांच्या गजाली वयल्यान अशें दिसलें की तो जो चलो जॅनेट बरोबर आयला तो तिजो पुतणयो. जॅनेट अजुनूय तागेले मावशेगेर रावतालें. जेवन जातकच जॅनेट म्हण्टाली, ''ह्या दिसांत तुमकां पार्लरमन मेळ्ळा तें नशीब तुमचें. मनीस बरो तरी स्वभावान?''

''काम करपाची संवय ना. पूण येतलो जाग्यार थोड्या दिसांनी. मनीस मात अत्यंत बरो.'' मिसेस क्रेस्क सांगताली. कॉफी बी पिवन जातकच हांव रिकामे कप घेवन भितर आयलों. पँट्रीत आयल्या नंतर म्हज्यान रावं नजो जालें. पयलीं इतलोंच हांव जॅनेटचेर मोग करतालों आनी ताणें मात म्हाका विसरून वचप न्हय? काय म्हजो आवाज ताका वेगळो दिसलो?

हांव ह्या घरांत सुखी आशिल्लों. जॅनेट वांगडा सगळ्यो म्हज्यो इत्सा म्हाका सोडून गेल्ल्यो. आनी खरेंच जॅनेट तरी म्हाका कित्याक सोडून गेल्लें? कारण तरी कितें आशिल्लें त्या झगड्याचें? आतां ताचो विचार करून कित्याक उपेग? हाच्यापेक्षां म्हाका बरें सूख दिवपाची देवाची इत्सा ना शी दिसता!

भायल्या हॉलांत येवन हांवें जॅनेटच्या कोटाचो मुको घेतलो. हें कर्म करता आसतना जर म्हाका कोणेयतरी पळेल्लो तर कितें जातलें आशिल्लें? सोयरीं घरच्या धनी-धनीण वांगडा भायर आयलीं.

''बरो वेळ गेलो आमचो'' जॅनेट मिसेस क्रेस्काक म्हणूंक लागली.

ती वचपाक भायर सरलीं. जॅनेटच्या कोटाचो जो हांवें मुको घेतलो तो शेवटचो वेळ काय! हाचेनंतर म्हाका तें मेळचेंना काय! तरतरेचे विचार मनांत येवपाक लागले. मोटारींत चडटां चडटां जॅनेटचो लेंस सकयल पडलो. ताचे बरोबर आशिल्लो चलो मोटार सुरू करतालो. हांव बेगीन बेगीन गेलों आनी ताचो लेंस

काडून दिलो. म्हज्या मोगाळ जॅनेटा खातीर कसलेंय काम करप म्हळ्यार स्वर्ग मेळोवप अशें म्हाका दिसतालें.

'थँक्स' ताणें म्हळें आनी ताणें म्हाका दिवपा खातीर आपलो हात फुडें काडलो. हांव एक नोकर आनी ते खातीर हांवें म्हजो हात फुडें केलो आनी ताणें म्हज्या हातांत कितें तरी दिलें. म्हाका लज दिसताली. काळोख पडिल्लो. नाजाल्यार धनयाक एक प्रस्न पडपाची शक्यताय आशिल्ली की हांव इतलो लजतां कित्याक?

तो तन्नो मनीस तिचेकडें पळोवन म्हणूंक लागलो. ''हें कितें जॅनेट बटलराक 'टीप' दिली काय कितें?''

''तातूंत कितें, वायट जालें काय कितें?'' जॅनेटान ताका जाप दिली. गाडी सुरू जाली आनी हांवें म्हगेली मूठ उगडून पळेली तर कितें. तातूंत दोन गड्डे आशिल्ले!

(जॉन हेस्टींग्ज टर्नर हांचे कथेचो कोंकणी अणकार)

झिंगू

झिंगूलें घराणें म्हळ्यार ताची गिरेस्तकाय. मोठे भाटकार म्हुण सगळेकडे नामनाय आशिल्ली. फक्त मजा मारपांत ताणीं दीस घालयल्ले. एके सादे गजालीक लेगीत तांचो कंडो मोठो आशिल्लो. ह्या सगळ्या तांच्या मोठेपणांक लागून ताणीं हजारांनी पयशांचो चुराडो केल्लो. घराणें भीक मागपाकडें पावलें. पूण तांचीं मोठेपणां जिरूंक नाशिल्लीं. तात्पर्य कांय वर्सांनी तांकां गरीब परिस्थितीक तोंड दिवचें पडलें. ताणीं दिवाळें काडलें. झिंगू सारखेलो जाण्टो मनीस हो त्या मोठ्या घराण्यांतलो वारस म्हुण आशिल्लो. घराण्यांतलीं मोठेपणां तो अजून चलयतालो. पूण पयशे नासतना.

जेन्नां सगळी इस्टेट विकून उडयली तेन्ना झिंगू आपल्या एका पोन्नेल्या घरांत रावपाक आयलो. तागेल्या विश्वासांतलो चेडो गणेश आनी तागेली नात कुसूम ताचे वांगडा आयिल्लीं. थोड्याच दिसां भितर तो अतिशय लोकप्रिय जालो. सगळ्या जातींच्या लोकांभितर तो मिळून-मिसळून वागतालो. गांवांतल्या सगळ्या समारंभांत तो वांटो घेतालो. इतलेंच न्हय तर शेजाऱ्यांच्या सुख-दुख्खांत आपलेपणान जावन तांच्यांतलोच आपूण एक अशें समजतालो. सगळ्या ताच्या ह्या गुणाखातीर लोकांक तो जाय आशिल्लो. लोक ताका मान दिताले.

ताच्या घराच्या शेजारा एक भुरगो रावतालो. ह्या जाण्ट्या मनशाविशीं ताच्या मनांत कितें भरिल्लें हें सांगू नजो आशिल्लें. पूण एक खरें झिंगूदाद ताका दोळ्यांमुखार नाका आशिल्लो. सुरेश नांव आशिल्लें त्या भुरग्याचें. सुरेशान एम्.ए.ची डिग्री निकतीच घेतिल्ली. ताचो बापूय एका मोठ्या हुद्यार आशिल्लो. घरांत पयशे खूब घोळटाले. जेन्ना झिंगूदाद आपल्यो मोठेपणाच्यो गजाली लोकां मजगतीं सांगतालो तें आयकून ताका ताची तिडक येताली.

झिंगू जरी गरीब आसलो, तरी पूण तो सदांच टापटिपीचो. ताचे कपडे स्वच्छ

आसताले. तागेली कूड सदांच व्यवस्थीत आसताली. जरी ताका आपली कूड आपले आपुणूच लींप दवरची पडटाली तरीपूण तो तें काम करतालोच. पूण लिपचोरयां. तागेले कुडींत आशिल्ल्यो सगळ्यो वस्तू सवाय दराच्यो आनी साद्यो आशिल्ल्यो. फाटल्या मोठेपणाची याद येवपा सारख्यो थोड्यो म्हारग वस्तूय थंय दिश्टी पडटाल्यो.

थोड्याच दिसांभितर, झिंगूदादालें धाकटुलें घर म्हळ्यार गांवांतल्या सगळ्या लोकांचे सभेचें एक स्थान जावन पडलें. लोक थंय येताले, चकाटां मारताले, विडयो-सिगरेटी फुसकायताले. पूण तेच वांगडा झिंगूदादाकूय केन्नाच खर्चाक घालनाशिल्ले. तो ज्यो गजाली तांकां सांगतालो, तातूंत मात लेगीत फट नासतालें. आपल्या पदरांत आयिल्ली गरिबी पळोवन ताका लज दिसताली. दिस-रात येवजुणुकींत वताले. वोगीच ह्या विचारांनीं जिवाक त्रास घेता तो पळोवन लोकूय त्रासीक जाताले. खबरींनीं ताचो वेळ मारून व्हरताले. आपल्या मोठेपणाच्यो गजाली तो दुसऱ्यांक सांगता तीं फक्त बंडलां अशें एकट्याकूच दिसतालें तें फक्त सुरेशाक. झिंगूलीं हीं बंडलां उगड्यार घालपाचो निश्चय सुरेशान केलो आनी तेच वाटेन ताचीं पावलां धांवतालीं.

झिंगूक तुच्छ करून उडोवपाची कल्पना ह्या सुरेशाच्या मनांत येताली ती आनीक एका कारणाक लागून. सुरेश हो एक तरणाटो, सुंदर आनी शिकील्लो सवरलेलो आशिल्ल्यान खूब जाण गिरेस्त लोकांनी बरोऽ हुंडो घालून आपल्या चलयांच्यो सोयरीको ताका हाडिल्ल्यो. हे गजालीक लागून ताका दिसतालें आपूण ह्या सगळ्या श्रीमंत लोकांवयर आसां शें. झिंगूली नात, कुसूम इतली शेजरा आसून लेगीत ताची सोयरीक आपल्याक ताणें अजून मेरेन हाडूंक ना हाचो ताका राग आशिल्लो. कुसूम सुंदर दिसतालें. गरिबींत जरी जगलीं तरीपूण ताच्या तोंडावेली चर्या मात गिरेस्तकायेंतल्यान आयिल्लेवरी दिसताली. फक्त हेच गजालीक लागून झिंगूचो सूड घेवपाचो ताणें येवजिलो आनी तें घडोवन हाडपाची तो वाट पळेतालो.

एक दीस सुरेश तांगेर गेलो आनी जाण्टेल्याक सांगलें की, ‘‘राज्याच्या गव्हर्नरान तुमच्या घराण्यांविशीं खूब बरें आयकलां आनी देखून ताणें एकदीस तुमचेसरीं येवपाचें थारायलां.’’ हें आयकून ताका भयंकर आनंद जालो. सुरेशाच्या ह्या उतराचेर ताणें विश्वास दवरलो. आपल्या घराण्याविशीं आदर बाळगुपी ह्या

मनशाचें स्वागत आपल्याकडें जातलें तरी कशें ह्या विचारान आनी त्याच बरोबर आनंदान ताचें मन खवदळतालें.

गव्हर्नर ज्या दिसा येवपाचो आशिल्लो त्या दिसा बेगीन उठून ताणें घर पुसलें-धुलें आनी थाटामाटान ताची वाट पळेत उबो रावलो, इतल्यान दनपारच्या सुमाराक ताच्या घरामुखार गाडी थांबली. दोग जाण चेडे भायर सरले आनी ताणीं झिंगूक गव्हर्नर आयिल्ल्याची वोर्द दिली. गच्च भरिल्ल्या उत्साहान ताणें गव्हर्नराक हात दिवन गाडयेंतल्यान देंवयलो. घरांत व्हेलो. ताचे मुखार एक व्हड भाशण केलें आनी सगळो कार्यक्रम सोंपतकच आशि-नाशिल्ल्यो सगळ्यो भांगराच्यो वस्तु ताणें ताका भेट म्हुण दिल्यो. आपल्या घरांत एका मोठ्या मनशान पांय दवरल्याचें ताका भाग्य मेळिल्लें. आपल्या घराण्याचो मान अजून जितो आसा हाची ताका आज जाणीव जाल्ली. आनी देखून ह्या गजालीं मुखार ताका त्यो भांगराच्यो वस्तु व्हड दिसल्योना. धा मिनटांभितर ते भायर सरले आनी गेले.त्या दोगूय चेड्यांनी त्यो दिल्ल्यो वस्तु व्हेल्यो आनी मोटार सुटली. हांसत हांसत मोटार गेली आनी झिंगूक मात ताची कल्पना आयलीना. आपल्याक फटयलो अशें ताका दिसलेंनाच पूण उलट मेळयल्लो आनंद खरेलोच हेंच ग्रहीत धरून ताणें घरांत परतें पावल घालें.

सुरेशान केल्लें हें गव्हर्नराचें सवंग पळोवन आनी तेच वांगडा झिंगू फटवलेलो पळोवन शेजरा रावतालीं मनशां भितरल्या भितर हांसपाक लागलीं. कुसुमाक ही गजाल कळपाक वेळ लागलोना. तें वेगीन सुरेशासरीं गेलें आनी ताका विचारलें कीं आपल्या आज्याचीं फकाणां आनी मस्करी करून ताणें कितें मेळयलें काय म्हुण! तोंडार विचारलेलीं हीं उतरां आयकून सुरेशाक लज जाली. ताका प्रश्चाताप जालो. ताणें तो एक 'विनोद' म्हुण केल्लो पूण त्याच 'विनोदाचें' कुसुमाक 'मरण' जाल्लें. सुरेशाविशीं ताच्या मनांत घृणा निर्माण जाल्ली.

सुरेशान कुसुमाची माफी मागली.

दुसरे दिसा ज्यो भांगराच्यो वस्तु त्या जाण्टेल्यान भेट म्हणून दिल्ल्यो त्यो घेवन सुरेश तांगेर गेलो. घरांत पावल मात घालपाक गेला, इतल्यान आजो-नात मजगतीं जातालें तें उलोवणें ताच्या कानार पडलें. नात ताच्या म्हऱ्यांत बशिल्ली आनी कालच्या समारंभाचें वर्णन करपाक लायताली. झिंगू आपले धुंदींत गव्हर्नरान केल्ली कल्पित स्तुती गायतालो. आपल्या घराण्याचो मान

जागोवन दिल्याबद्दल ताका आज आनंद जातालो. नात म्हऱ्यांत आयकत बशिल्ली. आजो जें कितें सांगता तें खरेंच अशें समजून ताका ती उत्तेजन दिताली. आज्याक दुखोवप तिका नाका आशिल्लें. हें तांचें उलोवप आयकून आनी आज्याबद्दल आशिल्ली ती नातीची भक्ती पळोवन ताका आपले करणेचें वायट दिसलें. झिंगू ना सो पळोवन ताणें त्यो सगळ्यो वस्तु व्हरून कुसुमाकडें दिल्यो आनी एक शब्द लेगीत काडिनासतना परतो गेलो. रोखडोच सांजेवेळचो तो झिंगूसरीं आयलो. आनी मोठ्या आदरान ताका पांयां पडलो. म्हऱ्यांत कोण एक परकी ना सो पळोवन ताणें घराण्याची तुस्त गावन ताचेकडें कुसुमाक मागणी घाली.

आपल्या घराण्याचो अभिमान आशिल्लो हो भुरगो पळोवन ताणें हयकार दिलो. ताणें ताका मोठ्या उत्साहान वेंगांत घेतलो आनी म्हळें, "हांव एक गरीब मनीस आनी तुजे सारको भुरगो म्हज्या घराण्याचें अभिमानास्पद तारूं फुडें धुकलतलो अशें हांवें सपनांत लेगीत येवजूंक नाशिल्लें."

आपल्यालीं मोठेपणां पयशे नाशिल्ल्यान देंवल्यांत हाची ताका कल्पना आशिल्लीच. पूण तो केन्नाच उलोवन दाखय नाशिल्लो. आपल्या घराण्याचीं मोठेपणा आनी अभिमान नाशिल्लेवरी आनी कमीपणांवेलीं केल्लीं हीं झिंगूचीं उतरां सुरेश पयलेच खेप आयकतालो.

(रवीन्द्रनाथ टागोर हांचे एके कथेचें कोंकणीत रूपांतर)

पत्राची उमळशीक

गांवांत थंडी पडिल्ली. पांगरूणां माथ्यावेल्यान घेवन लोक गच्च न्हिदिल्ले. अश्या ह्या वातावरणांतल्यान एक जाण्टो मनीस, पिंजिल्ले कपडे घालून रस्त्यावेल्यान वतालो. चलत चलत तो एके नवेच बिल्डींगेसरीं आयलो. तकली वयर काडून 'पोस्ट ऑफिस' ही पाटी ताणें पळेली आनी तातूंत तो भितर सरलो. थंडसाणेन वचून तो एका कोनशावेल्या बांकार बसलो.

पोस्ट ऑफिसांतले क्लार्क लखोट्यांवेलीं नांवां वाचून, ज्या त्या पोस्टमनाकडें उडयताले. तातुंतल्या एकट्यान अकस्मात अल्लीचें नांव तोंडांतल्यान उच्चारलें. तो जाण्टो मनीस एकदम उठलो आनी पोस्टमनासरीं बेगीन बेगीन वचून ताणें त्या पत्राची मागणी केली. पूण तें पत्र ताका नाशिल्लें. हो जाण्टो मनीस फाटल्या पांच वर्सां सावन सदांच सकाळीं येवन हांगा बसता आनी एकवेळ तो पिसो जाला म्हुण अशें करता जांवये म्हणपाचो तर्क करून थंयच्या एका मनशान पोस्टमास्तराकडें उलोवन दाखयलें.

अल्ली, ताच्या भुरगेपणांत एक हुशार कासादोर आशिल्लो. तीर तो असो धरतालो की, शेवणें जावं वा कसलेंय जनावर, आक्ताक जमनीर पडुंकच जाय आशिल्लें, पूण तो जेन्ना जाण्टो जालो तेन्ना ताणें तीं क्रूरपणा सोडून दिलीं. ताका एकलीच चली आशिल्ली आनी ताका लग्न करून लाहोराक दिल्लें.

मोग म्हळ्यार कितें हाचो खरो अर्थ ताका चलयेक लग्न करून दिल्या

उपरांत कळून आयिल्लो. एकमेकांचीं मायेचीं मनशां पयस आसतकूच दुख्ख कितलें जाता हाची ताका आतां जाणिव जाल्ली आनी त्या दिसाच्यान तो आपले चलयेच्या पत्राची वाट पळेत आशिल्लो.

सदांच सकाळींफुडें चार वरांचेर उठून तो पोस्ट ऑफीसांत वतालो आनी मोठे आशेन तो वचून थंय बसतालो. ताका पत्र केन्नाच येना आशिल्लें. पूण पोस्टमन ताचें नांव मुद्दाम उच्चारून ताचीं फकाणां करताले. आपल्याक पत्र आसा काय हें जेन्ना तो तांचेकडें विचारतालो तेन्ना ते हांसताले. पूण पत्र एक दीस तरी येतलें म्हणपाचो अल्लीक पुराय विश्वास आशिल्लो.

पोस्टमास्तर जो थंय आशिल्लो ताका कळकळो म्हणटात तो नाशिल्लो. असोच एक दीस येवन पत्र आसा काय ना म्हणपाची वासपूस करून जेन्ना तो परतलो तेन्ना ताचेविशीं पोस्टमास्तरान खबर घेतली. भुरगेपणांतसून शेवण्यांक आनी जनावरांक मारिल्ल्यान ताचो ताका आज पश्चाताप जाला आनी तें केल्ल्यान तो पिसो जाला म्हणपाचें थंय आशिल्ल्या एका मनशान पोस्टमास्तराचे नदरेक हाडलें. लोक ताका पिसो म्हुण समजताले आनी ताच्यो करण्योय बी पिशेपणाच्यो म्हणपाचें ते लेखताले.

दोन-तीन सप्तकां अल्ली पोस्टांत आयलोच ना. एक दीस जेन्ना तो आयलो तेन्ना ताच्या तोंडार अशक्तताय दिसून येताली. मरण खूब लागीं आसा म्हणपाचें सामकें कळून येतालें. सदांचे भशेनूच जेन्ना ताणें आपल्याक पत्र आसा काय ना म्हणपाची वासपूस पोस्टमास्तराकडें केली तेन्ना तो ताचेकडेन खूब कठोर वागलो. अल्ली सामको खर्शेल्लो आनी तातूंत आनी हीं तागेलीं उतरां आयकून सामको निर्शेलो. ताच्या पांयांत त्राण ना जाले. तागेले दोळे भरून आयले.

अल्ली भायल्या बांकार बसून राविल्लो. ऑफिसांत एक क्लार्क ताच्या मुखावेल्यान वता आसतना अल्लीन ताका नमळायेन आडायलो. ताच्या हातांत पांच रुपये ताणें दिले आनी एक काम करपाक लायलें. आपल्याली स्थिती जगपाची उरूंक ना म्हणपाचें ताणें ताका कळोवन दिलें. आज नाजाल्यार फाल्यां जीव वचपाचो आसा हाची ताका खात्री आशिल्ली. मेल्या उपरांत जर ताका तागेले चलयेचें पत्र येत जाल्यार तें पत्र व्हरून

तागेल्या फोंडावयर उडोवपाचें, हेंच तागेलें काम आशिल्लें. काम करतां म्हणपाचें वचन त्या क्लार्कान ताका दिलें.

त्या दिसा उपरांत अल्ली कोणाकूच केन्ना दिसलो ना, पूण ताचेविशीं वासपूस घेवपाक हुस्को तरी कोणाक जाल्लो? कोणाकूच ताची पर्वा नाशिल्ली. कांय दिसां उपरांत पोस्टमास्तर आपल्या चलयेच्या पत्राची वाट पळेत आशिल्लो. ताची चली खूब बरी नाशिल्ली आनी देखून तिचो ताका हुस्को जाल्लो. जसो अल्ली सकाळींफुडें येवन चवकशी करतालो तेच भशेन पोस्टमास्तर बेगीन बेगीन बॅग उसोवन आपल्याक चलयेची चीट आसा काय ना म्हणपाचें कळीत करून घेतालो. आपले चलयेचेंच पत्र जाल्लेवरी भास जावन तो खंयचेंय पत्र काडटालो पूण पत्तो वाचतकच मात ताचें तोंड पडटालें. एक दीस अशेंच ताणें जें पत्र काडलें ताचेर पत्तो आशिल्लो अल्लीचो. फाटल्या कितलेश्याच वर्सांत ज्या पत्राची तो वाट पळेत राविल्लो तें ताचें पत्र आज ताका आयिल्लें.

जो मनीस अल्लीच्या प्रस्नांक काळजाक लागपी अश्या उतरांनी जाप दितालो तोच मनीस आज ताचें पत्र पावतें करपाच्या बोवाळांत दिसून येतालो. आपल्या मायेच्या मनशाची खबर कळना जाल्यार जीव कसो वयर सकयल येता हाची जाणीव ताका आज जाली. तोवूय ताचे चलयेच्या हुस्क्यांत आशिल्लो. आज तो सकाळींफुडें उठून येवन आपल्या ऑफिसांत बसलो, फक्त तें पत्र ताच्या हातांत दिवपा खातीर.

बरोबर पांच वरांचेर दारार कोणें तरी मारलें. पोस्टमास्तरान दार उगडलें आनी ताका मायेन येवकार दिलो. अल्ली दाराच्या आधारान तेंकून उबो आशिल्ल्यावरी ताका दिसलें. तो भयंकर जाण्टो दिसतालो. अशक्त जाल्लो पूण मायेचो किर्ण मात ताच्यांत अजून रिगिल्लो आशिल्लो. पोस्टमास्तर तें पत्र घेवन उबो आशिल्लो. इतल्यान थंयचो क्लार्क भितरल्यान आयलो आनी ताका विचारपाक लागलो, 'तूं कोणाकडें उलयतालो?'

आपल्या मुखार आशिल्लो अल्ली एकदम नाच जाल्ल्याचें पळोवन ताका अजाप जालें. अल्ली थंय नाशिल्लो. पूण तें पत्र मात जमनीर झळकतालें. तीन म्हयन्या फाटल्यान अल्ली भायर पडिल्ल्याची खबर त्या क्लार्कान ताका

गमयली. हें कळनाफुडें घडिल्ली गजाल हो केवळ भास जाला म्हणपाचें ताका कळ्ळें. तो एकदम भिलो.

वचन दिल्ले प्रमाणे त्या क्लार्कान व्हरून तें पत्र ताच्या फोंडार उडयलें. आपल्याक अल्ली सकाळींफुडें दिसलो कसो? हाचेविशीं पोस्टमास्तराच्या मनांत विचार घोळटालो. आपले चलयेच्या पत्राखातीर तो कित्याक तळमळटालो हें ताका कळून आयिल्लें. तोवूय आतां तेच अवस्थेंत आशिल्लो.

पत्रां म्हळ्यार केवळ कागदाचे कुडके नासून तातूंत खरी भावना आनी मोग जिरिल्लो आसता हें ताका आतां कळिल्लें.

(एके इंग्लीश काणयेचे आदारान)

कर्तव्य

श्रावण म्हयन्यांतले दीस! सकाळमेरेन घोग्यांनी पावस पडटालो. रस्त्याचे कुशीन आशिल्ल्यो खळयो भरून व्हांवताल्यो. घरामुखार पडिल्लो कोयर कोचोब उदक आपल्या हुंवारान ओडून व्हरतालें. मळबांत एकठांय जाल्ल्या काळ्या कुपांखातीर जमनीर सगळेकडेन काळोख जाल्लो. धा वरां जाल्लीं तरीपूण निकतीच सकाळ जाल्ल्याचो भास जातालो.

पूण मोती मात ह्या खातीर फसलोना. ताचेकडेन वेळ समजुपाक घड्याळ नाशिल्ली तरीपूण सदांचे भशेन तो आपलें जाळें खांदार मारून पागपाक घरांतल्यान भायर सरून वचूंक लागलो. फाटल्या चार पांच दिसांत दर्यार जाल्ल्या वादळाखातीर ताका जाय तितलें नुस्तें मेळूंक नाशिल्लें आनी हेच खातीर तो चिंतेन आशिल्लो. मोतीच्या ह्या कुटुंबांत तागेलीं चार भुरगीं तो आनी ताची बायल अशीं सगलीं मेळून स मनशां आशिल्लीं. ताचे एकट्याचे जोडीर स जणांचें पोट भरतालें.

मोती आपले खोंपीपसून चाळीस पन्नास पावलां गेला जातलो, इतल्यांत ताका थंयच म्हऱ्यांतूच आशिल्ले खोपींतसून भुरग्यांच्या रडण्याचो आवाज आयलो. ती खोंप तर एके गरीब नुस्तेकान्नीची आशिल्ली. घरकार सात आठ म्हयन्याफाटल्यान भायर पडिल्ल्या कारणान ती बाबडी दुसऱ्याकडल्यान नुस्तें विकतें घेताली आनी घरा कणकणी वचून खपयताली. ताचेर जो कितें फायदो मेळटालो ते जोडीचेर ती बावडी आपलें स्वताचें आनी भुरग्यांचें पोट भरताली. मोतीची बायल तर केन्ना केन्ना तिचेसरीं वचून गजाली करताली आनी मागीर आपआपल्यो गजाली सांगून कशेयभशेन वेळ घालयतालीं. तीं दोगांय जाणां भयणी भयणी सारकीं वागतालीं.

भुरगीं रडटात तो आवाज आयकून मोती ते खोंपी म्हऱ्यांत गेलो आनी तोंड

भितर घालून पळोवपाक लागलो. मोतीक पळोवन ते नुस्तेकान्नीचो व्हडलो पूत रडत रडत ताचे सरीं आयलो आनी म्हणूक लागलो ''तात्या, पळे म्हजे आईक, येदोळ मेरेन उलो करतां हांव हिका पूण ती कशीच उठना. कित्याक उठना म्हुण कोण जाणां, आमकां तर भयंकर भूक लागल्या.''

सात-आठ वर्सांचे पिरायेचो हो भुरगो आनी तीं तागेलीं रडकुरीं उतरां आयकून मोतीचो जीव कळवळ्ळो. थंयच म्हऱ्यांतूच न्हिदिल्ले नुस्तेकान्नीचेर जेन्ना ताचें लक्ष गेलें तेन्ना तर मोती खुबूच भियेलो, तिचें काळें निळें जाल्लें आंग पळोवन मोतीन आपल्या मनाची खात्री केली की तिका सोरोप चाबिल्ल्यान मरण आयलां.

मोतीक आतां कितें करचें म्हणटा तें कांय कळना जालें. तो बुचकळ्यांत पडलो. सोरपाच्या दंशान जाल्ल्या काळ्या निळ्या प्रेताकडेन ताचें लक्ष वतालें आनी रोखडेंच तिगेल्या भुरग्यांचेर. मोतीचे तकलेंत तरेतरेचे विचार येताले. इतल्यांत सगळ्यांत धाकटो तिगेलो एका वर्साचो पूत मड्या म्हऱ्यांत आयलो आनी रडून आवयक विचारूं लागलो ''आईऽऽ ऊठ मगे, म्हाका भूक लागल्या'' आनी इतलें म्हणून तो चड रडूंक लागलो.

विचारांत पडिल्ल्या मोतीक त्या धाकट्या भुरग्याच्या रडण्यान जाग आयली. ताणें खोंपींत हेवटेन तेवटेन सगळ्याक नदर मारली पूण रडून अर्धमेल्लीं जाल्ल्या त्या भुरग्यांक खावपाक दिवपा सारकें थंय कांयच नाशिल्लें. असल्या ह्या भयंकर वातावरणांत ताच्यान रांव नज जालें. कशे तरेन थंयसून वचपाचें तो येवजूंक लागलो. मात्शे वेळान मोतीन तिगेल्या व्हडल्या पुताक आपोवन वेंगांत घेतलें आनी ताका सांगलें, ''बाब, चल, थंय वचून शेजरा आशिल्ल्या त्या जगन्नाथाक आपोवन हाड, हांव रोखडो येतां.''

बाबडो धांवत धांवत जगन्नाथाक आपोवपाक गेलो. ताका दिसलें, आतां मोतीदाद आपले आवयक उठयतलो आनी मागीर आपणाक खावंक मेळटलें. पूण तशें जावंक पावलें ना. मोती भायर सरलो घरांतसून आनी गेलो नीट दर्या देगेर. कादयेंतल्यान पळपी कैद्यांसारकें ताका दिसतालें. दर्यार पावनाफुडें मोतीन जाळें घालपाक सुरवात केली. दोन खेपो ताणें जाळें उडयलें पूण एकसुद्धां नुस्तें मेळ्ळेंना. पांच खेपो, धा खेपो... पंदरा खेपो अशें कितलेशेच खेपो ताणें जाळें घालें पूण नुस्तें मात एकसुद्धां मेळूंक नाशिल्लें. आनी ताचें ह्या कामार तर आज

मातसुद्धां लक्ष लागनाशिल्लें. तो जाळें उदकांत उडयतालो. मागीर नुस्तें आयलां काय ना तें तो पळयतालो पूण ह्या वेळार ताका नुस्त्या बदला खोंपींत पळयल्लो देखाव दिसतालो आनी मन विचार करतालें – आतां जगन्नाथ आयलो जातलो. ताणें सगळ्यांक सांगलें जातलें. सगळे लोक एकठांय जाले जातले. पूण ल्हासपाक लाकडां ते खंयच्यान हाडटले? आनी ह्या पावसांत तर तांकां सुकीं लाकडां मेळटलीं तरी खंय? जमिल्ले लोक म्हजी वाट पळेत राविल्ले नासत मूं? ... आतां प्रेत घेतलें जातलें खांदार. आवय-बापूय नाशिल्ल्या त्या भुरग्यांचें आतां हाल जातले. रडून रडून अर्दमेलीं जालीं जातलीं आतां. तांकां आतां कोण धीर दितलो? शेजारचीं मनशां म्हणटात तीं आमी. मोतीक कितें करचें म्हणटा तें अजून समजनाशिल्लें. दर्यार ल्हारां मोठ्यामोठ्यान फुटतालीं आनी मनांत विचारांचें वादळ सुरू जाल्लें.

अशे हे विचारांचे तंद्रेंत तीन वरां कशेय भशेन ताणें दर्याच्या वांगडा खेळत काडलीं. मन जाग्यार नाशिल्ल्या कारणान आनी दर्यार जाल्ल्या वादळाखातीर त्या दिसा ताका खुबूच कमी नुस्तें मेळ्ळें. ताणें परत दर्यांत जाळें पसरायलें आनी त्या बरोबर तागेले विचार परत सुरू जाले– आतां तिका ल्हासली आसतली. भुरगीं रडटात आसतलीं! लोक 'वायट जालें' 'वायट जालें' अशें म्हणून 'चुक चुक' करतले आनी हांव....! अजूनूय कितें करप म्हणटा तें ताका येवजूंक नाशिल्लें. बरोच वेळ ताणें विचार केलो. पूण ताका योग्य ती वाट अजून मेळूंक नाशिल्ली. निमाणें ताणें आपले वेव्हारीक बायलेची बुद्द घेवपाचें थारायलें. ती आपल्यापरस खूब हुशार आसा म्हणपाचें ताका बेस बरें खबर आशिल्लें आनी हें तो मानतालो सुद्धां.

ताणें जाळें गुठलायलें आनी खांदार उडयलें. नुस्त्याची पोती हातांत घेवन तो एके दुसरेच आड वाटेन घरा आयलो. ते मेल्ले नुस्तेकान्नीच्या घराकडल्यान येवपाक ताका नाका आशिल्लें. घरा पावनाफुडें ताणें आपणालें जाळें सदांचे भशेन दांडयेर सुकपाक उडयलें आनी नुस्त्याची पोती आपणाले व्हडले चलयेच्या हातांत दिवन तो नीट बायलेसरी गेलो. तागेली बायल मागीलदारांत आयदनां घासताली. तिच्या मुखार एका उंच फातरार बसून तो म्हणूंक लागलो, "आज सुद्धां नुस्तें खुबूच कमी मेळ्ळें. वादळ केन्ना थांबतलें कोण जाणां!"

थोड्या वेळान म्हऱ्यांत कोण आसा काय ना हें बेस बरें पळोवन तो ल्हवू आपले बायलेक सांगपाक लागलो, ‘‘हें पळे आमगेली शेजान्न सोरोप चाबून मेली म्हणपाचें खबर आसा मगे तुका? ती मेली. कशेंय जावं पूण तिगेल्या भुरग्यांचें आतां जावचें कशें? आमगेल्या घरांत हाडपाक कांय नज आशिल्लें. पूण आमी तरी धड आसात? आमचीय स्थिती तीच! ही स्थिती म्हज्यान पळोवंक नजो. तांचें आनी करप तरी कितें हें सुद्धा कांयच सुचना. भुकेन तीं तडफडटालीं. हें पळोवंक नजो आशिल्लें. पूण धड तांच्या घरांत कांय नाशिल्लें आनी आमच्याय ना. तांकां आमगेर हाडचीं अशें म्हाका परत परत दिसता. पूण ताचे पयलीं तुका विचारून पळोवंचें म्हणून बेगीन बेगीन आयलां.’’

पूण ताचे बायलेन ब्र काडलोना. तिणें आपल्या घोवाचेर मात्शी नदर भोंवडायली आनी परत आसा तशी आयदनां घासूंक लागली. मोतीक तिगेल्या ह्या वागपाचो अर्थच समजलो ना म्हणून तो परत म्हणूंक लागलो, ‘तुका हांव कितें सांगतां तें मान्य ना?..... हय. तुजोच विचार बरोबर आसा. आमकांच पयलीं खाणाजेवणाची मारामारी, तातूंत आनी हें कित्याक विकतें श्राद्ध? म्हजेंय सुद्धा हेंच मत. पूण त्या भुरग्यांचीं तोंडां पळेनाफुडें मन कितेंशेंच जाता. मनांत दुसरोच विचार येता, तो असो की देवान जर आमकां चारा वाट्यांचीं स-सात भुरगीं दिल्लीं तर आमी कितें करतलीं आशिल्लीं? आमी चड कश्ट करचे अशीच देवाची इत्सा आसुंयें! तांकां हांगा आमचेसरी हाडचें अशें तुका दिसना?.... तूं वोगी कित्याक? हे बाबतींत तुका चड समजूंक जाय, कारण तूं बायल मनीस, भुरग्यांक जल्म दिवपी तूं आवय. तूं म्हणटा तेंच खरें आसूंक जाय. म्हज्यान कांयच सांगू नजो. पूण मनांत वोगीच येवजता, देवान जर आमचेर अशी आपत्ती हाडिल्ली तर आमच्या भुरग्यांचें कितें जाता आशिल्लें? देवा आमच्या भुरग्यांचेर मात उपकार करून...’’

मोती फुडलें उलोवंक शकलो ना. घडूंक नाशिल्लें हें भयानक कल्पनाचित्र पळोवन ताच्या आंगार कांटो येवंक लागलो. तागेली बायल अजुनूय वोगीच आशिल्ली. अजून पसून तिणें तोंडांतल्यान एक उतर लेगीत काडूंक नाशिल्लें. आयदनां घासून तिणें घरांत व्हेलीं. मोती हें सगळें पळोवन चड [illegible] पडलो. तिगेल्या वागण्याचो ताका अर्थूच समजनाशिल्लो. इतल्यांत आपले

WORLD KONKANI ... LIBRARY
कोंकणी
MANGALORE

भिजिल्ले हात पदरान पुशीत ती भायर आयली आनी घोवाचो हात धरून ती भितरले कुडींत ताका घेवन गेली. कोनशाक घाल्ल्या हांतुणांचेर बोट दाखोवन ताचेकडेन पळोवन ती हांसली.

थंय कितें आशिल्लें? ते सोंपिल्ले नुस्तेकान्नीलीं दोन भुरगीं सुस्त न्हिदिल्लीं. आनी तांच्या शेजारा मोतीचीं दोन भुरगीं हात घालून न्हिदिल्लीं. मोतीन आनी एक फावट त्या भुरग्यांकडेन पळेलें आनी मागीर आपले बायलेकडेन पळेत तो उबो रावलो.

(व्हीक्टर ह्युगो हांचे एके काणयेच्या आदारान.)

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी ग्रंथालय
MANGALORE

दादो सुमंता भाशेन रंगमंच कलाकारूय आशिल्लो. तो गातालो आनी कोंकणी, मराठी नाटकांनी कामां करतालो. ताणें बरीच लोकप्रियता जोडिल्ली. दादोकडेन बरोवपाचें कसब आशिल्लें ही खबर त्या काळार चार–चौगांत कशी पातळ्ळी ना हाचें अजाप जाता. ताच्यो कथा अदींमदीं राष्ट्रमतांत येताल्यो, पूण बरोवपाचो ताका छंद लागिल्लो हें आज कळटा.

मन मोकळाय

बऱ्याच वर्सां पयलीं बरयल्ल्यो ह्यो कथा वा निबंद समिक्षेखातीर म्हजेकडेन न्हय, तर दादोली याद जागोवपाखातीर वाचप्यां मुखार येतात. त्यो सगळ्यो कथा न्हयत. तातूंत निबंद, सादे लेखूय आसात. कथांनीं कांय अणकारिल्ल्यो अप्रतिम कथा आसात ज्यो अणकारप्याच्या मन-मोवळायेची वळख घडयतात. खासा लेखकान बरयल्ल्यो ज्यो कथा आसात तांचे वयल्यान भोंवतणच्या घडणुकांकडेन लेखक कसो उदार मनान पळयतालो आनी तांचेर प्रगल्भ भाश्य करतालो तें कळटा.

- गुरूनाथ केळेकार

बिम्ब प्रकाशन